
# कोंकणी भाशेचो इतिहास



नागेश सोंदे

# १ कोंकण प्रदेश आनि आर्यीकरण

कोंकणी भाशेचो इतिहास म्हळ्यार ते भाशेचे जलमापासून आजमेरेन तिगेल्यांतु जालिलो बदल, म्हळ्यार तिगेली विकासाची काणी. ह्या इतिहासाचो अभ्यास म्हळ्यार ते भाशेचें मूळ, तिगेलो जलमकाळ, तिगेलीं अवस्थांतरां, रूपांतरां असले अनेक विशयांचो अभ्यास. ह्या सगळ्यांचो अभ्यास सामान्यतायेन ते भाशेंतु मेळचीं पाशाण बरपां, दानपत्रां वा ग्रंथांतले आधार हांचेर आधारून उरता. हे सगळे आधार जर जायते प्रमाणांतु मेळ्ळेनांची जाल्यार ताकालागून भाशेचे इतिहासकाराले काम कठीण जाता. प्रत्येक भाशेचें आयचें रूप हें एक एक जनांगाचें अनेक शेकड्यांतले एक भरीव अशें आनी साकार जालिलें रूप आसता. भाशेचें तोंडी रूप हें क्षणाचें आसून तें अक्षरांतुल्यान जेन्नां कायम रूप धरता तेन्नाचि भाशेंतले उतरांक शाश्वतकायेचें आनी सादृश्य असलें रूप मेळूंक पावता.

भाशा हें एक मनशान आपणायिलें, निर्माण केलिलें कर्तुत्व आसा. मनीस आपण्याले रातदीसाचे वेव्हारांतु, आपण्याले जीणेचे सर्वांगी उदरगतींतु जायत्या तरेचें संकेत, चिन्नं वा रूपकं वापरता. हांचे संबंदान प्रोफेसर व्हायटहेड म्हणता, "मानवतायेक खास आपल्या आविश्कारांखातीर कसलें तरी चिन्नं वा संकेतांचो उपयोग करचें पडता अशें दिसता. खरें पळयल्यार विचार प्रगट करचें हेंचि एक तरेचें संकेतीकरण आसता संकेतीकरण म्हळ्यार बेकारपणांतले कल्पनातरंग न्हंय, वा तें जित्या भावांचे जीर्ण आनी विकृत स्वरूप न्हंय. तें मनशाले जीवनरूपी वस्त्रांतूचि विणलेली, अनुस्युत आशिली अशी एक जिनी वस्त्र आसा. भाशा हें एक संकेतीकरणूचि आसा."[1]

जाल्यारूय हे संकेत, चिन्नं वा रूपकं हीं देश, वेळ आनी भोंवतण हांका अनुसरून जल्माक येताचि, रूपां धरताचि आनी बदलतातबी. "करोति काल: । सकलं संहरेत् काल एव ही । काल: स्थापयते विश्वं कालाधिनमिदं जगत् ।।" अशें पुराण वचन आसा. खरें पळयल्यार परिवर्तन वा बदल हेंची काळाचें स्वरूप. दरएक जनांगाचे मूळ मूल्यांक आनी तांचे आविश्कारांक संघर्श आनी संघटणेचें वळण दीवनुं काळ मनशाले अस्मितायेक जागी करता.

धर्तरेचो आवाठ व्होड आसा. मनीस धर्तरेचे वेगळेवेगळे भागांतु सान व्होड संघ करनुं वसती करता. काळ वता तशें ह्या संघांतु अनेक पोट विभाग निर्माण जाताची. मनीस हो संघटनेन आनी एकठाय रावनुं विकास पावता. मनशाले भाशेचें दृश्य स्वरूप हें त्या विकासाचें एक प्रतीक—म्हळ्यार चिन्न जावनुं उरता.

भाशेची उदरगत ही मनशाले उदरगतीकेन एक वेगळे करचाक येना तसलें आंग जावनु आशिल्यान भाशेचे विकासाचो अभ्यास म्हळ्यार मनशाले जिणे-उदरगतीचोचि एक अभ्यास अशें म्हणूं येता. कोंकणी भाशा ही आर्य कुळांतली भाशा आशिल्यान ते भाशेचो अभ्यास आर्य समाजाचो आनी आर्य संस्कृतायेचो अभ्यास केल्यानचि परीपूर्ण जावू शकता. भारताचो आनी आर्यांलो इतिहास हांगेल्यांतु लागींचो संबंध आसा हें जरी सत्य आसा तरीय भरत भूयेचो इतिहास आर्य येवचे पयलींपासूनचि समृद्ध आसा हेंवी तितलेचि खरें.

आर्यांनी भारतांतु येवनु रावंचे पयलें हो भूंयभाग निर्जन आशिलो अशें म्हणचें सत्याक धरनु ना. खरें पळयल्यार आर्य जेन्नां भारतांतु आयले तेन्नां तांका थंय एक व्होड आनी संस्कृतायेन समृद्ध आशिलो एक पंगड दिश्टीक पडलो. आर्यांक तेवेळेच्या हेर लोकांबरोबर संघर्श म्हळयार झगडीं करनु आपण्यालें अस्तित्व घट करचें पडतालें. ह्या संघर्शाची विस्तारान खबर आमकां वेदांभितर मेळता. "मोहेंजोदाडो" हे सुर्वातेच्या खणपांतु आर्य भारतांतु येवचें पयलें हांगा जी एक ऊंच संस्कृताय नांदताली तिगेलें रूप दिश्टीक पडता. हे संस्कृतायेविशय जरी आमकां अजून पुरेशें ज्ञान ना तरीय त्या जनांगाचो आर्यांचेर जालिलो वा पडिलो प्रभाव निर्विवाद आसा. ताजे संबंधान श्री सुनीतीकुमार चटर्जी म्हणताची, "भारतीय संस्कृतायेचे वस्त्रांतु आर्येतर संस्कृतायेचे धागे चड प्रमाणांतु विणीले आसाची. ही गजाल आतां जास्तन् जास्त स्पश्टतायेन नदरेक येता. भारतीय धार्मिक आनी संस्कारी परंपरेचो चड वांटो, तेच भाशेन पूर्विले दंतकथा आनी इतिहास ह्या गजाली जास्त वाटयान आर्येतर आसाची. इतलेंच कीं तांगेलो अणकार जालो तो आर्यांले भाशेंतु. आर्यांलें व्होडपण आशिलें तें तांगेले भाशेंतु. तरीयपुण तांगेली भाशावीं जायत्या प्रमाणांतु हेर भाशांचे संपर्कान भंगून अशुद्ध जाली. थोडक्यांतु सार दिवचें म्हळयार अशें: कर्माविशींची कल्पना, मनशालो आत्मो नवें शरीर धरता ताजे संबंधाची कल्पना, योगाची साधना, शिव, देवी, विष्णु ह्या देवते संबंधाचे धार्मिक आनी तात्विक विचार आनी कल्पना, हिंदूले वैदिक होमहवनापेक्षां भिन्न आशिले पूजाविधी—ह्यो सगळ्यो आनी आनीकची जायत्यो हिंदू धर्मांतल्यो आनी विचारांतल्यो गजाली पळोवचाक गेल्यार मूळांतु आर्येतर आशिले अशें दिसून येतालें."[2]

शास्त्रज्ञांले मतान प्राचीन काळांतु आर्यांप्रमाणें भारतांतु निवास करचाक भारताभायल्यान अनेक मानववंश आयले. आनी ताणीं आप-आपण्याले कर्तुत्वाप्रमाणें जिणेचे उदरगतीक हातभार लायलो. असले अनेक वसणूकींतल्यो एक वंश म्हळयार निग्रिटो वंश. हो पंगड कदाचित अरबस्तान आनी इराण मार्गान भोंवत भोंवत भारतांतु आयिलो आसत. हो वंश संस्कृतायेचे सुरवेचे अवस्थेंतलो आसून तो प्राग्-इतिहासिक किंवा पाशाण युगांतुलो आशिलो. ताका शेतकाम करचें वा गोरवांक राखचें जाण नाशिलें. सध्या ह्या पंगडाचे अवशेश दक्षिण भारतांतुले कांय थोडया जमातींतु,

आसामांतले नाग लोकांतु आनी अंदमान बेटांतुले मूळ लोकांभितर दिश्टी पडताची. ह्या पंगडाचो प्रभाव भारतीय संस्कृतायेचेर वा भारतीय भाशांचेर कांय जालो ना. श्री सुनीतीकुमार चटर्जीले मतान "निग्रिटोंले उपरांत जे भाशा भारतांतु आयल्यो तांगेले वयर निग्रिटोंचो प्रभाव पडलो ना. निग्रिटोंचे भाशेचेर तांगेले पयलीं भारतांतु चालू आशिले उण्यांत उणें दोन भाशांचो प्रभाव पडिलो. हे भाशा म्हळ्यार एक आस्ट्रिक आनी दुसरी द्रविड. ह्रो प्रभाव तिगेले वयर आर्य लोक येवचे पयलेंचि पडिलो. म्हणटकूच निग्रिटोंले भाशेचो आर्य भाशेचेर प्रभाव पडचाक संधीच नाशिली."[3]

निग्रिटो वंशाचे लोकां उपरांत भारतांतु प्रोटो-ऑस्ट्रेलाइड वंशाचे आनी ऑस्ट्रिक भाशा उलोवचे लोक आयले. काळे रंगाचे आनी बसके नाकाचे लोक हे. निशद म्हण्णुं तांगेलो उल्लेख वेदांतु आयिलो आसा. ह्रो वंश ईशान्य दिशेचान आयलो. इंडो-चायना, कांबोडिया, मलाया, इन्डोनेसीयाबी देशांतु ह्या वंशाचें पातळप जालिलें आसा. ह्या वंशाचे अवशेश भारतांतु अजून जाच्यां जाच्यांतु तगून उरल्यात अशे मानववंश वा जाती म्हळ्यार आसामचे खासी, कोल किंवा मुंडा ह्या वर्गांतले संताळ, कोरव भूमिज, कुर्कु वगरे. ऑस्ट्रेलाइड लोक पाशाणयुगाचे उत्तरकालीन अवस्तेंतु आशिले म्हण्णुं तज्ञ अभिप्राय दिताची. भारतांतु आयले उपरांत तांका तांबे आनी लोखणाचो उपयोग कसलो हे समजलें. लाकडाचे सहाय्यान जमीन खणून शेतकाम करची पद्धत ताणीं सुरू केली. तांदूळ ते पिकयताले. तांगेले भाशेचे अभ्यासावयल्यान दिसून येता कीं नारीकेल, कदल, तांबूल, हरिद्रा, शृंगवेर, वातींगण असले अुत्रं ह्या वंशान भारतांतु हाडलीं.

आस्ट्रिक लोक भारतांतु उत्तरेक पंजाबचे प्रदेशापासून मध्यप्रदेशामेरेन पातळेले. न्हंयी आनी दरीच्या आसपास हे आपण्याले वसणूक्यो करताले. गंगा न्हंयेचें नांव गंगा हें आस्ट्रिक भाशेंतल्यान "न्हंयी" ह्या अर्थाचे उतरापासून आयलां अशें डा. चटर्जी मानताचि. हे लोक प्रेत जाळिले जाग्यार उबो फातर दवरनु ती सुवात दाखयताले मरणाउपरांत मनशाक जीवन आसा हें ते मानताले, आनी मनशाचो आत्मो रूखांतु वा जनावरांतु वास करनुं आसता अशें तांगेलो विश्वास आसतालो. आस्ट्रिक लोक भारतांतु केन्नां आयले हें सांगचे कठीण आसा, जाल्यार ते आयपिक्षां अनेक शेंकडे पयलें भारतांतु आयिले आसूंक जाय. कदाचित ते आनी द्रविड लोक एकचि काळार भारतांतु आयिले आसताले, हांतलो एक वंश पश्चिमेकडल्यान आयलो तर दुसरो ईशान्येकडल्यान आयलो अशें दिसता.

आस्ट्रिक भाशिकां उपरांत भारतांतु द्राविडी भाशा गटांतले लोक आयले. हे भूमध्य समुद्राचे पूर्वेकडल्यान आयले. ह्या द्रविडांले सुर्वातिचे नांव द्रमिल किंवा द्रामिळा आशिलें. ताजें आर्यीकरण जावनुं द्रमिड, द्रविड, दामिळ, तामिळ वा तामिल जालें. तामिळ, तेलगु, कन्नड, मलयालम्, तुळु आदि भाशो ह्या गटांतल्यो जावनुं आसाची. द्रविड भाशेचे लोक भारतांतु सगळेकडेन पातळिले. सिंधू संस्कृतींतु खणपांतु दिसून


आयिली संस्कृताय ही द्रविडांली संस्कृताय म्हण्णुं आतां मान्य जालां.आर्य लोक हांकाच दस्यु किंवा दास म्हणताले. तांका हांगेलेबरोबर संघर्श करचें पडतालें. हांगेली संस्कृताय ऊंच प्रतीची आशिल्यान आर्य आनी द्रविड हांचे संसर्गान भारतीय सारखी प्रतिभावान संस्कृताय जल्माक आयली.

आस्ट्रिक भाशिक निशाद आनी द्रविड भाशिक दास-दस्यु उपरांत भारतांतु आयिलो मानववंश म्हळयार मंगोली-चीनी-तिबेटी भाशा गटाचो वंश. हांका आर्य समाजान "किरात" म्हणून संबोधलां. हांगेले रावप सर्व साधारण हिमालयाचे भोंवतणांत आसतालें.

सिंधू न्हंयेच्या तिरावयल्या मोहेंजोदाडो, हरप्पा आनी छन्नूदाडो ह्या गांवातल्या खणप उपरांत भारताचे इतिहासासंबंधान अनेक प्रश्न उपस्थित जाले. आनी भारतांतु आर्य येवचें पयलें ह्या देशांतु जालिले वसणूकीविशयी आमकां म्हायती मेळ्ळी.

आर्य भारतांतु येवचे पयलें हांगा द्राविडांली ऊंच प्रतीची संस्कृताय नांदताली, अशें आज सामान्यपणान आमीं मानताची. ऋग्वेदांतुले रुशी द्रविडांले वैभवाचे साक्षी आशिले. ते आमकां तांगेले मायाविशयी खबर सांगताची. शांबराले हल्याविशय उलयताची. भायल्या इतिहासकारांले प्रभावाक लागून आतांमेरेन हे द्रविड म्हळयार एक असंस्कृत आनी रानवट जात म्हण्णुं आमीं मानताले. जाल्यार आतां इतिहासिक पुराव्यावयल्यान हें म्हणचें चूकिचें अशें दाखोवनुं द्रविडांले ऊंच संस्कृतायेचेंर प्रबंध बरोंवयेतीत.

हे भाशेन आर्यांनी भारतांतु प्रवेश करचें पयलें ह्या देशांतु अनेक द्रविड वसणूंकां चारी दिकान पातळलेल्यो. हांतूतले कितलेशे वंश वा वसणूंको राजा सुदास आनी तांगेले पयलें राजा दिवोदास बरोबर संघर्श चलयताले. देखिक: आलीन, शिव, अज, यक्ष, किकाट, अंग, मगध, मत्स्य, बाल्हिक—हे सगळे वंश त्या काळांतले समृद्ध द्रविड वसणूको आशिल्यो. डा. राखाल दास बॅनर्जी म्हणताची, "हिंदी आर्यांनी सिंधू न्हंयी आनी तिगेले उप-न्हंयो हांगेले खोरीं, त्याचि तरेन गंगा न्हंयेचे वाराणसीमेरेनचें खोरें हीं जेन्नां जिखून घेतले आनी थंय आपण्याल्यो वसणूक्यो केल्यो त्या वेळार तांगेले चारूय दिकांक असुर लोक पातळलेले. पांडव आनी कौरव हांचेभितर दायजकींचे व्होड युद्ध जेन्नां जालें त्या वेळार मगध, दाक्षिण, बिहार आनी आतांचो राजपुताना प्रदेश हांचेर असुरांली मालकी आशिली. हे असुर लोक व्होड शिल्पी आनी घरबांदपी आशिले. तांगेली बांदकामां आर्यांक मोटी कौतुकास्पद आनी तोंडांतु बोटां घालूंक लावचे तसलीं भव्य दिसताले. तांका त्या क्रमांक लागून असुरांविशय आदर दिसतालो. वैदिक वांग्मयांतु दासांनी बांदिले फातरांचे कोटांचो उल्लेख मेळता. असुरांले शारांची नांवा पाताल, संभा, प्राग-ज्योतिश, हिरण्यपुर, तक्षिला अशीं आशिलीं. पूर्वेकडचे शारांभितर गिरिव्रज ही असुर राजा जरासंधाली राजधानी आशिली. आनी पांडव राजपुत्र भीम जेन्नां थंय गेलो तेन्नां ताका त्या शाराची तटबंदी पळोवनुं मोटें कौतुक दिसलें खंय.




आर्य आनी आर्येतरांल्यो भारतांतल्यो वसणुक्यो

पांडवांचो व्होडलो भाव युधिष्ठिर हाणें जेन्नां राजसूय यज्ञ केलो तेन्नां असुर शिल्पी मय हांका त्या यज्ञाक लागचे इमारत्यो आनी तांगेली योजना करून बांदून काडचाक आपोवन हाडिलें."[4]

द्राविडांल्यो सगळेकडेन पातळिल्यो ह्यो बसणूको पळोवनुं एक निश्कर्श काडूं येता की सिंधू संस्कृताय ही फक्कत मोहेंजोदाडो आनी हरप्पा हांचेभितर केवल मर्यादित नासताना सगळ्या भारतातु पातळलेली. डा. हचुवेट हांका संशोधन करताना दिसून आयले कीं द्रविड संस्कृताय ही आर्यांनी भारतांतु येवचे पयलीं अप्रतिम तरेची आसून परदेशांतु ताणीं आपली संस्कृताय आनी वेपार पसरायिलो. मेसोपोटेमियांतु ताणीं मोर आनी कावळ्यांवी निर्यात करनुं थंयच्या लोकांक अजाप करूंक लायिल्लें. डा. हचुवेट म्हणटाची, "आर्यांले उदरगती हाडोवचांत द्रविड लोक मुखेल आशिले. ह्या लोकांले जमातीनीं देशभर केंद्रस्थानांतु घट आसलेली अशा राज्यांचे एक जाळेंच विणलेलें."[5] हो इतिहासकार मुखारसरनुं म्हणता, "निर्यात करचे मोटचा देशाचो भोवमान भारताक हाडलो तो थंय येवनुं बसलेल्या आर्यांनी न्हंय; आर्य लोक येवचे पयली बरोच काळ कोल आनी द्रविड वसणूकांतल्या लोकांनी ह्या भारतांतु अंतर्देशीय आनी भायलो व्यापार सुरू करून तो भरभरीक हाडिल्लो. अशा तरेचो वेपार सुरू करचें आनी तगोवन धरचें हें ह्या लोकांली संस्कृताय बरीच ऊंच पांवडयाची आशिली हें सिद्ध करता."[6]

भारतांतु आयजमेरेन दिसून येवचे ग्रामपंचायतीचे मूळ द्रविडांल्या संप्रदायेंतु दिश्टीक पडता. ह्या सर्व विचारांचे सार म्हणून डा. सर्वपल्ली राधाकृष्णन् हाणीं मांडिले विचार दीवयेत: "वैदिक धर्मान दुसऱ्या संप्रदायांपासून विचार आचारादि गजाली शोशून घेतल्यो, ते आत्मसात् केल्यो आनी दुसरे संप्रदायांतुले विधी आनी प्रकार ताणीं तगोवन धरले. ताणीं ताजो नाश केलो ना. उलट आपण्याक उपकारा पडतीत आशेतरेन तांका आपण्याले विधी आनी प्रकारांभितर जुळोवनुं घेतले. द्रविड आनी हेर मूळ निवासी लोकांकडसून ताणीं इतलें कांय घेतले की तांचे जीणे-तल्यान मूळ आर्यांले संस्कार दुसऱ्या संस्कारापासून वेगळे काडचें हे अतिशय कठीण काम जावनुं बसलां."[7]

हे भाशेन खुबशे पुराव्यावयल्यान सिद्ध जाता कीं भारतांतु आर्य लोक येवचे पयलें हांगा वयल्या पांवडयाची संस्कृताय नांदताली आनी आर्यांनी ते संस्कृताये वांगडा धार्मिक विचारांचे पातळीवयर संघर्श करनासताना त्या सगळ्यांतले विचारांतु आर्य लोक मेळून मिसळून गेले.

आर्य लोक जास्त करून भारतांतु दोन पंगडांतु आयिले म्हण्णुं सर्व साधारण जाणत्यांनी मानिलें आसा. मानववंशशास्त्र, भाशाशास्त्र आनी पुराण-इतिहासावयर हे अनुमान बांदिले आसाचि. होर्न्ले, ग्रियर्सन, रिस्ले, रामप्रसाद चंदा, वैद्य आनी सुनीती-कुमार चटर्जी आदी जाणत्यांनी हे विशय अनेक सिद्धांत मुखार दवरल्याची. होर्न्लेलो

"अंतर-बहिर-वर्तुळ"[8] सिद्धांत लोकांक जास्त मानत आशिल्यान तोची आतां इतिहासकारांनी आपणायिलो आसा.

ह्या "अंतर-बहिर वर्तुळ" सिद्धांतानुसार आर्यलोक भारतांतु दोन पंगडांतु आयले. एक पंगड काबूलचे दिकान वायव्य प्रदेशांत पंजाबचे सिंधू न्हंयेचे आसपास वसणूक बसोवन नंतर कालांतरान गंगा न्हंयेचे प्रदेशापर्यंत पसरलो. ह्या पंगडान येताना आपले धार्मिक विचार आनी मंत्र आपण्या वांगडा घेवनुं आयिली शक्यता आसा. वैदिक मंत्रांचे भितरले संदर्भावयल्यान दिसून येता कीं थोडे तरी मंत्र आर्यांनी भारतांतु येवचे पयलें रचयले उरत. जाल्यार हीं मंत्रं तोंडी आशिल्यान भाशादिश्टीन ताजें म्हत्व जास्त आसा. हो पंगड आपण्याक स्वतः वैवस्वत मनुपासून जल्माक आयिलो वंश म्हण्णुं मानतालो. ह्या विशय भागवताचे इकराव्या स्कंधांतलो अुतारो दीवयेत:

"प्रियव्रतो नाम सुतो मनोः स्वयंभुवस्य यः ।
तस्याग्नीध्रस्ततो नाभिर्ऋषभस्य सुतः स्मृतः ॥
तमाहुर्वासुदेवांशं मोक्षधर्मविवक्षया ।
अवतीर्णं सुतशतं तस्यासीद् ब्रह्मपारगम् ॥
तेषां वै भरतो ज्येष्ठो नारायणपरायणः ।
विख्यातं वर्षमेतद् योन्नाम्ना भरतमुत्तमम् ॥"

मनु वैवस्वतापासून जल्माक आयिले ह्या भरतकुलालागून ह्या भूयेक भारत भूंय म्हण्णं नांव पडलें. भारतवर्ष ह्या नांवाविशय वायुपुराण म्हणता :

"वर्षं यद् भारतं नाम यत्रेयं भारती प्रजा ।
भरणाश्च प्रजानां वै मनुर्भरत उच्यते ॥
निरुक्तवचनाच्चैव वर्षं तद् भारतं स्मृतम् ॥"

वायुपुराणांत उल्लेख जालिले निरुक्तांतु भरत आनी आदित्य हे दोग्गयी एकचि अशें म्हळयां—"भरत आदित्यस्तस्य भारती" ह्या आनी हेर उल्लेखाचे आधारवयर श्री चिं. वी. वैद्यानी निश्कर्श काडला कीं हे आर्य सूर्यवंशी नांवान भारतांत प्रसिद्ध जाले.[9] वैदिककाळाचे भरत, दिवोदास, सुदास, देवश्रव, देवव्रत, पुरुकुत्स, त्रसदस्यु आनी इक्ष्वाकु हे सूर्यवंशी क्षत्रिय राजे राज्य करताले. तांगेले पौरोहित्य विश्वामित्र, वसिश्ठ आनी भारद्वाज ऋशींनी केलिले उल्लेख आसाची. त्या काळांत सरस्वती न्हंयेचे आसपास वसणूक करून आशिले मोहेंजो-दडोचे द्रविडादि आर्येतरांबरोबर ह्या आर्यांलो संघर्श जातालो.

काळसमया उपरांत आर्यांलो दुसरो पंगड उत्तरेच्यान कदाचित् हिमालयाचे कठीण मार्गान आयलो. पंजाब प्रदेशांतु येवनुं सरस्वती न्हंयेचे तीरारि तांचेपेक्षां पयले येवनुं वसणूक केलिले आर्यांक ताणीं शत्रुवृत्तीन हाकलायलें. आनी त्या प्रदेशांतु स्वतः

वसणूक बसयताले जाले. श्री चि. वी. वैद्यांले मतान हे चन्द्रवंशीय आर्य आशिले. तांगेले ह्या संवर्शाचो परिणाम म्हळयार पयलें आयिले सूर्यवंशी आर्यांनी नंतर येवनु सरस्वती-दृषद्वतीचे आनी गंगा-यमुनेचे दोआबांत स्थिर जालिले चन्द्रवंशी आर्यांले संभोवती कांकणा भाशेन एक वर्तुळ केलें. होर्न्लेंलें "बहिर-वर्तुळ" तें हेंची. आनी "अंतर-वर्तुळ" म्हळयार तो प्रदेश जावनु आसा जंय नंतर आयिले चन्द्रवंशी आर्यांनी आपण्याली वसणूक बसयली.

स्कंदपुराणांतर्गत सह्याद्रिखंडांतु चंद्रवंशाविशय ह्या प्रकार उल्लेख केला : "मनो विरंचेश्चन्द्रो ह्यत्रिगोत्रसमुद्भवः। चंद्राद् बुधो भवत्पुत्रस्तस्य पुत्रः पुरूरवाः ॥" चन्द्रवंशाचो पूर्वज म्हण्णु मानचांतु आयिले ह्या पुरूरवाले मूळ निवासस्थान हिमालयाचे प्रदेशांतु आसून तागेलो विवाह ऊर्वशी ह्या अप्सरेबरोबर जालिलो म्हण्णु वेदांतु उल्लेख आसा. तागेलो पणतू ययातीन भार्गवकुळाचे कवि उशनस् वा शुक्राचार्यांली धूव देवयानी बरोबर आनी असूर राजा वृशपर्वनाली धूव शर्मिष्ठेबरोबर विवाह केलिले. भृगु कुळाचे आर्यांनी असूरांलें पौराहित्य केलिलें आसून तांगेले आनी चंद्रवंशीय आर्यांलिमध्यें निकट संबंध वाढोवचाक कारणीभूत आशिले. ययातीक देवयानी कडचान यदु आनी तुर्वश, शर्मिश्ठेकडचान द्रह्यु, अणु आनी पुरु जल्माक येताची.[10] ययातीले संततीपासून नंतर आयिले वंशज भारताचे इतिहासांतु प्रख्यात जाले.

होर्न्लेंले मतान प्राचीन काळांत जेन्नां आर्यांली वसणूक भारतांतु पयलावयलीं आयलीं तेन्नां तांगेली तोंडी भाशा संस्कृत आशिली. जाल्यार कालवश ती केवल सूक्तांतली भाशाची जावनु उरली. आनी वेव्हारांतु वेगळीची तोंडी भाशा वावुरताली. बाह्य-वर्तुळांतले आर्यांली तोंडी भाशा, होर्न्लेंले मतान, "मागधी" जावनु आसल्यार अंतर-वर्तुळांतले आर्यांली तोंडी भाशा म्हळयार "शौरसेनी". आमीं लक्षांतु दवरकां कीं होर्न्लेंलो अंतर-बहिर-वर्तुळ सिद्धांत मुख्यतः भाशिक विचारांवयर आधार घेता. होर्न्लेंले मतान प्राग्-इतिहासकाळांतु प्रामुख्यान उत्तर भारत दोन तोंडी भाशेंतु विभाजन पाविलें. एक विभाग म्हळयार पश्चिमेंतलो शौरसेनी भाशेचो आनी दुसरो पूर्वेकडचो मागधी भाशेचो. जाल्यार प्राग्-इतिहास काळापेक्षांपयलें म्हळयार चन्द्रवंशी-शौरसेनी भाशिक आर्यांनी भारतांतु येवचें पयलें केवल मागधी ह्या तोंडी भाशेन सर्व उत्तर भारत आपणायिलें. तशें पळेल्यार अति पश्चिमेंतु मागधीचे अवशेश दिसताची आनी हे अवशेश पूर्व दिशेन वाढत वाढत अखेरीक मागधींतु एकठायताची. जेन्नां शौरसेनीचो उदय उत्तर भारतांतु जालो तेन्नां मागधीक पूर्व आनी दक्षिणेक शौरसेनी भाशेचे संभोवती कांकण जशें प्रदेशांतु पसरचें पडलें.[11]

ह्या सिद्धांताक लागून होर्न्लेंन आर्य भारतीय भाशांचे नांव "गौडी" म्हण्णु दिल्यां. आनी ह्या भाशांचो पंगड ताणीं हिंदीचे व्याकरणाचे संदर्भांतु केलिलो आसा. उदारण, पूर्व हिंदी भाशा ही पश्चिम हिंदी पासून सारखीच वेगळी आसा म्हण्णु तांगेलें

मत आसा. ह्या दोन भाशांचो आनी इतर गौडी भाशांचो—म्हळयार पंजाबी, सिंधी, गुजराती, बंगाली, ओरिया, नेपाळी आनी मराठी—हांचो विचार केला. ह्या सर्व भाशेंतु साधर्म्य-वैधर्म्याचो विचार करनुं सान सान गट करचें शक्य जाता. ताका लागून पूर्व हिंदी, बंगाली आनी ओरिया हांचो एक गट, जो पूर्वी गौडी भाशांचो गट म्हण्णुं संबोधन करयेत. पश्चिम हिंदी, सिंधी, पंजाबी आनी गुजराती हांचो गट हो पश्चिम गौडी भाशा गट. नेपाळी हो उत्तर गौडी गट आनी मराठी हो दक्षिण गौडी भाशा गट. भाशिक दिश्टीन ताणीं परतून पश्चिम-उत्तर गौडीचो एक गट आनी पूर्व-दक्षिण गौडी अशीं साधर्म्याक लागून दोन गट केले. ह्या दोन गटांतले पूर्व अवस्तेंतले आनी तांका जल्म दिवचे प्राकृत भाशेवयल्यान होर्न्लेंन तांका अनुक्रमान शौरसेनीप्राकृतोत्पन्न भाशा किंवा मागधीप्राकृतोत्पन्न भाशा म्हण्णुं नांव दिलें. मुखारसरनुं ताणें सांगलें कीं शौरसेनी गटांतले भाशा हे अंतरकुळांतले भाशा आनी मागधी गटांतले भाशा हे बहिरकुळांतले भाशा म्हण्णुं निश्कर्श काडलो.

होर्न्लेंन भाशाशास्त्रावयर केलिले ह्या विभाजनेक ग्रियर्सनान सहमत दाखयलें. रामप्रसाद चंदा आनी रिस्लेन मानववंशाचे अधारावयर ह्या विभाजनेक संपुश्टी दिली.[12] तांगेळे मतान अंतरवर्तुळांतले आर्य हे लांब माथ्याचे (Dolichocephalic) लोक आसल्यार बहिरवर्तुळांतले आर्य ल्हान माथ्याचे (Brachycephalic) लोक आशिले. हाजेवयल्यान दिसून येता कीं द्रविड, आस्ट्रिक, निग्रिटो लोकांले दिश्टीन जरी आर्य एक आसल्यारीयी ते आपआपसांतु एकजीनसी नाशिले.

वेदिक काळांतु आर्य वसणूको दक्षिण भारतांतु आसल्यार आश्चर्य ना. तशें पळेल्यार ऋग्वेद सूर्यवंशी आर्यालो धार्मिक ग्रंथ जावनुं आसा. हांतु अंतरवर्तुळांतले चन्द्रवंशीय आर्यांविशय जे उल्लेख आसात ते आपुलकीचे नांत. ते तिरस्काराचे किंवा वैरत्वाचे दिसून येताचि. जशें सूर्यवंशीयांलो उल्लेख भौमानान आनी गर्वान जाता तशें तो इतर आर्यवंशीयाविशय ना. उदाहरणार्थ, भृगुवंशीय आर्यांलो उल्लेख सविस्तर ना. भृगु वंश हो एक प्राचीन आनी विख्यात वंश आसून ह्या वंशाचे पुराणत्व मानिलें आसा. जाल्यार ऋग्वेदांतु जामदग्निलो उल्लेख सोडल्यार तागेलो बापूय ऋचिक किंवा तागेलो पुत्र महाप्रतापी परशुरामालों उल्लेख खंयीची ना. पुराणिक काळांतु पुरु कुल महा बलाढ्य म्हण्णुं नामांकित जालें. जाल्यार ऋग्वेदांतु मात्र तांचो उल्लेख केवल दाशराज्ञ युद्धाचे संबंधान जालो. श्री चि. वी. वैद्य म्हणताची, "ऋग्वेदांतले मंत्र ह्या लोकांविशय (म्हळयार चंद्रवंशी आर्यांविशय) तिरस्काराचे, दडपण हाडनुं नाश करचाक योग्य मनीस ह्या भाशेन उल्लेख करताचो तर थोडे मंत्रांतु हांचेविशय आदर आनी प्रेमाचे आशय दाखयलो आसा. थोडे संदर्भांतु वैदिक रुशीनीं देवांले आशीश तांचेवयर मागल्यार दुसरे संदर्भांर तांगेले वयर विनाशाची याचना केल्या. ह्या सर्व उल्लेखांचे निकश म्हळयार हे जन भारतांतु नंतर आयले आनी म्हण्णुं थोडे काल ते अनाहूत आयिले वंश आशिल्यान पयले आयिले जनांले द्वेशाक पात्र आसून वैरी म्हण्णुं मानचांतु येताले.

ह्या प्रदेशांतु वसणूक ताज्नीं केलें अुपरांत मूळतः ते आर्यकुळाचे आशिल्यान वैदिक मंत्रांतु ते कालांतरान आशीर्वचनांक पात्र जाले."[13]

उदारणार्थ ऋग्वेदांतले थोडे मंत्रांचो उल्लेख दीवयेतः "अभिविश्वा आभियुजो विषूचीरायर्याय विशो वतारीर्दासीः । इन्द्र जामय उत ये अजामयो अर्वाचीनामो वनुषो युयुज्रे । त्वमेषां विथुरा शवांसि जहि वृष्ण्यानि कृणुहि पराचः ।" ऋ. ६.३३.३. ह्या प्रकार सर्व प्रतिकूल दासांक वश कर. जे दायादी वा अपिरचित जे कोण आमकां अन्यायान हानिकारक ठरताची तांगेली शक्ति नाश करनु तांका धांवडांवनुं घाल. "तां इन्द्र उभयां अमित्रान् दासा वृत्राणि आर्या च शूर । वधिरित्यादि ।" हे इन्द्रा, आर्य आनी दास जे आमगेले अमित्र आसाची त्या दोग्गांलो नाश कर. "दासा च वृत्रा हतमार्याणि च सुदासमिन्द्रावरुणा वसा वतम् ।" ऋ. १०.३८.३ दास आनी आर्य वैर्यांलें तू नाश कर हे इन्द्र-वरुणांनो, तुमीं सुदासाले रक्षण करा.

जाल्यार ऋग्वेद हो कांय विस्तृत ऐतिहासिक ग्रंथ न्हंय. म्हणून मंत्रांचे संदर्भावयर इतिहासाचे कथानक बसोवचें चूकीचें ठरतालें. शिवाय भारतांतु आर्य वसाहती जे आयले ते केवळ उत्तरेचान आयिले सूर्यवंशी-चन्द्रवंशी मात्र म्हण्णुं मानचांतु अपाय आसा. कारण जशें वैदिक उल्लेखावयल्यान सिंधू न्हंयेचे आसपास आशिले प्रदेशांतले आर्यांलो इतिहास तयार जाता तशें वेदांतु थोडे उल्लेख जावनुं अुपरांत भारतीय संस्कृतीचे अस्मितायेंत प्रभावित जालिले दुसरे महानुभावांचो इतिहास आमकां शोधचो पडतालो. असलो एक प्रभावी आनी तेजस्वी कुळ म्हळयार भृगु वंश, ज्या वंशाविशय ऋग्वेदांतु अस्पस्ट आनी विरल असले उल्लेख मेळताची. तशें पळयल्यार मनुवंशीयांनी जशें आपण्याली अस्मिताय ऋग्वेदांतु प्रगटायली तशें भृगुवंशीयांनी आपण्याली अस्मिताय अथर्ववेदांतु आनी मुखारसरनुं शतपथ ब्राह्मणांतु झळकायली.

अंगीरस कुलाचे आर्यांनी अग्निचो शोध काडलो म्हण्णुं ऋग्वेदांतु उल्लेख आसा. "त्वामग्ने अंगीरसो गुहाहितम् अन्वविंदइ छिश्रियाणं वने वने । स जायसे मथ्यमानः सहो महत् त्वामाहुः सहसस्पुत्रमंगीरः ॥" ऋ. ५.११.६ "इममुत्यमथर्ववदग्निं मथंती वेदसः । यमंकूयंतमानयन्नमूरं श्यावाभ्यः ॥" ऋ. ६.१५.१७. ह्या दोन मंत्रावयल्यान समजनां की अंगीर नांवाचे रुशीनीं रानांतु गुप्त रीतीन निवास करचे अग्निलो शोध केलो. आनी अथर्व रुशीनीं लाकडं एकत्रित करनुं ताजेपासून अग्नि तयार करची विद्या जनांक शिकयली. भृगुवंशाचे आर्यांनी ह्या अग्निपूजक अथर्वांगीरस कुलाचे विचारांतु सहकारी आसचें साहजिक आसा. कित्याक तर ते सुद्धां अग्निपूजक आर्य आसून ताणीवी मातरिश्वापासून अग्निक हाडिलें म्हण्णुं ऋग्वेदांतु उल्लेख आसाची. "वन्हीं यशसं विदथस्य केतुं सुप्राव्य दूतं सद्यो अर्थं । द्विजन्मानं रयिमिव प्रशस्तं रातिं भरद्भृगवे मातरिश्वा ।" ऋ. १.६०.१. यज्ञांतु अग्निची स्थापना करचें कार्य भृगुवंशाचे रुशीलें कार्य आशिलें. "अग्ने प्रेहि प्रथ देवयतो चक्षुर्देवाना मृत मर्त्यानाम् । इयक्षमाणा भृगुभिः सजोषाः सुवर्यंतु यजमानाः स्वस्ति॥" तैत्तिरीय संहिता ४.५.२

वैवस्वत मनूपासून आपण्याले प्राचीनत्व सांगचे सिंधूप्रदेशाचे आर्यकुळांप्रमाणें भृगु वंशाचेसुद्धां आपण्याले कुळ अति प्राचीन भृगु रुशीपासून मानताले. भृगुलो जल्म वरुणदेवापासून जालिलो. "भृगुर्हं वै वरुणी:" त्या कारणान भृगुवंशाचे वरुण देवतेप्रमाणें प्रखर क्षात्रवृत्तीचे साधक आशिले. ऋग्वैदिक काळाचे वैवस्वत मनु वंशीयांलो आनी भृगुवंशीयांलो संबंधाचो विचार करचें आसल्यार वैदिक धर्म संस्थेंत वरुण देवतेली जागा निश्चित करचें जरूर आसा. इन्द्र हो ऋग्-वैदिक आर्यांलो प्रधान देव जावनु आसा. वेदांचो सखोल अभ्यास केल्यार दिसून येत कीं वरुण दैवत बीं आर्यांले प्राचीन विचारांतु एक प्रमुख दैवत म्हण्णु मानचांतु येतालें. एक निश्कर्श काडिलो आसा कीं आर्य लोक उत्तरेच्यान जेन्नां सकयल आयले तेन्नां ते दोन पंगडांतु विभाग जावनु एक पश्चिमेंतु इराणचे वाटेन आनी दुसरो पंगड दक्षिणेक भारतांतु आयलो. आनी त्या रीतीन येवचें पयलें आर्यांली आराध्य देवता वरुण आशिली. जाल्यार संघर्शाक तोंड दिवचाक पडिले सिंधुप्रदेशाचे आर्यांनी क्षात्रतेजाचो आराध्य दैवत जावनु आशिले इन्द्राक अुपरांत आपण्यालो देव म्हण्णु मानलो.

भारतांतले ऋग्वैदिक आर्य जेन्नां भृगुवंशाचे रुशी किंवा अथर्वांगीरसालो उल्लेख करताची तेन्नां ते तांका प्राचीन काळांचे रुशी म्हण्णु करताची. ऋग्वेदांतु वरुण देव हो समुद्र आनी आकाशाचो राजा. समुद्रपर्यंटन हाका समजतालें. हो, देव आनी असुरांलो सुद्धां राजा आशिलो. देखीक: "अव सिंधुं वरुणो द्यौरिव स्यादृद्रप्सो नश्वेतो मृगस्तु-विश्मान्। गम्भीरशंसो रजसो विमान विमानः सुपार क्षत्रः सतो अस्य राजा।" ऋ. ७.८७.६ वेदा यो वीनां पदमन्तरीक्षेण पतताम्। वेद नावः समुद्रियः ॥" ऋ. १.२५.७.

ज्योतिषशास्त्र आनी थोडे उषासूक्तांचे आधारावर टिळकांनी निश्कर्श काडिलो आसा कीं वेदांतले थोडे सूक्तांची रचना आर्य जेन्नां उत्तर ध्रुव प्रदेशांतु आशिले तेन्नां जालिली. स्वतः वेदांतु "पूर्वः" आनी "नूतनः" रुशी विशय उल्लेख केलिलो आसा. महाभारतांतु म्हळयां: "मूलगोत्राणि चत्वारी समुत्पन्नानी भारत। अंगिराः काश्यपश्चैव वसिष्ठो भृगुरेवच। कर्मतो न्यानि गोत्राणि समुत्पन्नानि भारत। नामधेयानि तपसा तानी च ग्रहणं सताम्". ह्या पुरातन परंपरेचो आनी एक उल्लेख म्हळ्यार" अग्निः पूर्वेभि ऋषिभिरीड्यो नूतनैरूत। स देवा एह वक्षति।"—ऋ. १.२.१—जे अग्निक पुराणकाळाचे रुशी आनी आताचे रुशी पूजताची तो अग्नि समस्त देवांक घेवनु येवूं. ह्या श्लोकाचो अर्थ सांगताना सायणाचार्य म्हणताची : "अयमग्निः पूर्वेभिः पुरा-तनैर्भृग्वांगिरःप्रभुतिभिरीड्यः स्तुत्यो नूतनैरुतेदानीन्तनैरस्माभिरपि स्तुत्यः।" हो अग्नि जाका पुरातन काळाचे रुशी म्हळ्यार भृगु, अंगीरस इत्यादि पूजन करताची .... इत्यादि.

हाजे वयल्यान दिसून येता कीं जेन्नां आर्य वसणुकी विशय ऋग्वेद उलयता तें वास्तविक सिंधूप्रदेशनिवासी आर्यांविशय आसून दुसरे आर्य वसणुकीविशय

ते केवल उल्लेख करताले. तेन्नां इतिसाहकारांनी जर अनुमान काडलो, की जशें इन्द्रपूजक आर्यांनी आपण्याली वसणूक सिंधू प्रदेशांतु बसयली तशें अग्निपूजक आर्यांनी दक्षिण इराणचान समुद्रवाटेन येवनुं भारतांतु करावळी प्रदेशांतु वसणूक बसयली तर तांतु आश्चर्य ना. कारण मत्स्य पुराणांतु नर्मदा तीरावयर आशिलो भृगुतीर्थाचो उल्लेख मेळता : "नर्मदायां स्थितं दिव्यं भृगुतीर्थ नराधिप"—म. पु. १९३.५९. "दशाश्वमेधोत्पश्चीमतो भृगुब्रामणसत्तम:" म. पु. १९३.२३.

अग्निदेवतेचे उपासक जावनुं आशिले अथर्वांगीरस वंशांचे आर्य वसाहत्यो जेन्नां दक्षिण इराणांतु निवास करताले तेन्नां भारताचे पश्चिम करावळीवयर भृगु वंशाची वसणूक आशिली. ह्या दोन वंशांतु सलग संबंध आशिलो. अथर्ववेद हो ह्या अथर्वांगीरस वंशजांलो धार्मिक ग्रंथ आसून तांतुतले आचारविचार इराणचें अवेस्तांतुले विचारांक लागीचे आसाची.

भृगु आनी अंगीरस वंशाचे धार्मिक आचारांतु आनी विचारांतु सिंधून्हंयेचे आर्यांपेक्षां थोडे जास्त भेद आसल्यारीयी तांगेलो हातभार वैदिक संस्कृती निर्माण जावचांतु लाक्षणिक आशिलो हांतू संशय ना. भृगुकुलाचे जमदग्निन वेदिक ऋचा निर्माण करचांतु विश्वामित्राक मदत केलिलो उल्लेख आसा. बृहस्पती दीर्घतमस आनी भारद्वाज हे अंगीरस कुलाचे आसून तांगेले कार्य वेदांतु प्राधान्यतेन दिसून येता.

भृगु वंशाचे लोकांलो आनी वैदिक आर्यांलो ह्या तरेचो वैचारिक संबंध तांगेले नित्य जीवनांतबी दिसून आयलो. भृगुकुलाचो एक पुरातन वंशज च्यवन आनी मनुवंशाचो शार्यती हांगेल्यांतु वैवाहिक संबंध आशिलो. शार्यतीली धूव सुकन्या ही च्यवनाली पत्नी आसून ह्या विवाहानंतर च्यवनाक आपण्यान हरवलेलें तारुण्य परत प्राप्त जालें म्हण्णुं उल्लेख ऋग्वेदांतु मेळता. "युवं च्यवानमश्विना जरन्तं पुनर्युवानं चक्रथु: शचिभ्भि: । युवो रथं दुहिता सूर्यस्य सह श्रिया नासत्या वृणीत् । ऋ. १.११७.१३.

भृगुवंशाबरोबर ह्या तरेचो संबंध आयिले उपरांत शार्यतीन आपण्याली बसणूक नर्मदेचे आसपास बसयली अशें दिसून येता. सुकन्या हे धूवेबरोबर शार्यतीक अनर्त नांवाचो एक पूतबी आशिलो. शार्यतीन आताचे गुजरात प्रदेशांतु आपण्याली बसणूक बसयिली आसून त्या प्रदेशाक ताणें आपण्यालें पूतालें नांव "अनर्त देश" दिलें. ह्या अनर्तालो पूत रेवा आसून हें नांव उपरांत नर्मदा न्हंयेक दिलिलें. रेवालो पूत रैवत-कुकुद्मिनान आपण्यालें नांव सौराष्ट्रांतुले एक डोंगराक दिलिलें आसा.

पुरूरव-ययाती ह्या चंद्रवंशी कुळाचे आर्यांबरोबरबी भृगु वंशाचो संबंध निकट आशिलो. वास्तविक ययातीन भृगु वंशाचे कवी उशनस् वा शुक्राचार्याली धूव देवयानीबरोबर विवाह केलिलो आसून तिजेपासून ययातीक यदु आनी तुर्वश हे


पूत जालिले आसताची. "देवयानी यदुं पुत्रं तुर्वसुं चाप्यजीजनत्" कवि उशनस् हो असुरांलो पुरोहित आसून तागेली ख्याती पौराणिक ग्रंथांतु पसरिली दिसून येता. असुर राजा वृशपर्वनाली धूव ही ययातीली दुसरी बायल आसून तिजेपासून ताका द्रहयु, अणु आनी पुरु हें संतान प्राप्त जाता. "तथा द्रह्यमणु पुरुं शर्मिष्ठा जनयत्सुतान्".

आर्य म्हण्णुं संबोधचांतु येवचे लोक सामान्यतः इतर निग्रिटो, द्राविड लोकांचे तुलनेन एक अशें दिसून आयल्यारीयी ते मूलतः एकजीनसी नाशिले. तांगेले आपआपसांतले शारीरिक लक्षणांतबी फरक आशिलो. देखीक : वसिश्ठ हो गौरवर्णीय (स्वितम्) आसल्यार कण्व, विश्वामित्र हे कृष्णवर्णीय (श्याव) आशिले. त्याचीप्रमाणें क्षत्रिय कुळांतले यदु, पुरु, द्रहयु, अणु, तुर्वशबी कृष्णवर्णीय आशिले. हाजें कारण एकची आसू शकता, आनी तें म्हळधार असुरादि वर्ण भिन्न जमातीचो शारीरिक संबंध. यदु-तुर्वशांक "दास" म्हण्णुं ऋग्वेदांतु संबोधन केलिले आसा. श्री चंदाले मतान यदु-तुर्वश वंश नैऋत्य एशियाचे बाजून आयिले आसूयेत.

ह्या सर्व उल्लेखावयल्यान एकचि सिद्ध जाता आनी तें म्हळधार भृगु वंशीयांचो संबंध साधारणतः अंतरवर्तुळांतले चन्द्रवंशी आर्यांबरोबर निकट आसून बहिरवर्तुळांतले सूर्यवंशी आर्यांबरोबर जो वैमनस्क वा संघर्श दिसून येता तो ह्या तरेचो वांशिक भेदांक लागून. आनी ताका लागून आमकां पुराणांतु दिसून येवचें अनेकानेक आर्यकुळांतले आपआपसांतले संघर्श आसाची.

जेन्नां चन्द्रवंशी आर्यांनी सूर्यवंशी आर्यांक शत्रुवृत्तीन सरस्वती आनी ब्रह्मावर्तांतल्यान स्थळांतर केलें तेन्नां सूर्यवंशी आर्य चारी बाजून पसरले. असलो एक सूर्यवंश म्हळचार हैहय कुळ. ह्या हैहय कुळाचे कार्तवीर्य राजान आपण्याले साम्राज्य पूर्वेक वाराणसीपासून पश्चिमेक नर्मदातीरपर्यंत पसरायिलें. हैहयांले कुळ हे वैदिक काळांतु प्रख्यात आसून दाशराज्ञ युद्धांतु ह्या वंशाचो समावेश सूर्यवंशी आर्यांबरोबर वीतहव्य ह्या नांवान दिसून येता. पुराण काळांतु ह्या हैहयांतु आनी चन्द्रवंशाचे आर्य कुळांतले यदु-पुरू कुळांतु वैमनस्क दिसून येता. भृगु कुळान स्वाभाविक रीतीन हैहयांचो प्रतिकार केलो. आनी ताका लागून हैहय राजा कार्तवीर्य अर्जुनान जमदग्निले आश्रमावयर धूरी घालनुं ताजो नाश केलो. ह्या संघर्शांतु जमदग्नि मरण पावता. पितृवध जालिल्यान संतप्त जालिलो जमदग्निलो पूत परशुराम आपण्याले नेतृत्वा सकयल अंतरवर्तुळांतले आर्यकुळ आनी इतर क्षत्रिय कुळं एकठायता. आनी मदांध जालिले हैहय कुळ नाश करचो संकल्प करता. अखेरीक एकवीस वेळ घोर युद्ध करनुं हैहय साम्राज्य धूळींतु मेळोवनुं नाश करता.

ह्या प्रकार हैहयांले राज्य नाश पाविल्यारीयी बहिर्वर्तुळांतले आर्यांपासून भृगु वंशीयांक सतत वैरत्व भोगचें पडल्यार आश्चर्य ना. ताका लागून परशुरामान विचार केलो कीं नर्मदातीर आनी उत्तर भारताचो त्याग करनुं नवी वसणूक बसोवचांतु




**परशुराम कालीन भारत**

—— ब्रह्मावर्तांतल्यान सप्तकोंकणांतु आर्यकुळांलो वसणूकीचो मार्ग

(हॅच केलेले वर्तुळ) ब्रह्मावर्त प्रदेश




■ परशुरामान गोमंतकांतु बसयल्यो वसणूक्यो.

जास्त श्रेय आसा. पुराणकाराले कवि कल्पनेक योग्य तो मान दीवनुं आमी निस्कर्श काडयेत कीं परशुरामान आर्यवर्ताचो त्याग करनुं उपरांत एक नवीन वसणूक बसोवचें निश्चय केलें. आनी ताजे फल म्हळ्यार कोंकणांतु परशुरामान केलिली वसणूक.

स्कंद पुराणांतले सह्याद्रिखंडांतु परशुरामाले ह्या दिग्विजय आनी ताजे उपरांत जालिले वसणूकीविशय विस्तृत वृत्तांत आसा. भारताचे इतिहासांतु परशुरामाले व्यक्तित्व इतलें महान् आनी प्रतिभावान आसा कीं कोंकणांतुले प्रत्येक मनुश्यान त्याविशय अभिमान धरका. कारण तागेले कर्तुत्वांतल्यान आमगेले सर्व जीण आनी अस्मिताय साकार जाल्या. अग्निप्रमाणें प्रखर ब्रह्मतेजान दैदीप्त हो ऋशी देवांश म्हण्णुं रामायण-महाभारतांतु मानचांतु आयलो. आनी हें तागेले कर्तुत्वाक लागून साहजिक अशें आसा. परशुरामाले व्यक्तित्वाचें वर्णन करताना रामायणांतु वाल्मिकी म्हणता :

"ददर्श भीमसंकाशं जटामण्डलधारिणम् ।
भार्गवं जामदग्नेयं राजा राजविमर्दनम् ।
कैलासमिव दुर्धर्षं कालाग्निमिव दुःसहम् ।।
ज्वलंतमिव तेजोभिर्दुर्निरीक्ष्यं पृथग्जनैः ।
स्कन्धे चासज्ज्य परशुं धनुर्विद्युद्गणोपमम् ।
प्रगृह्य शरमुग्रं च त्रिपुरघ्नं यथा शिवम् ।।"

—जटामंडलान भव्य दिसचे परशुरामाक पोळोवनुं दशरथराजाक भास जालो कीं पंचमहाभूतांपैकी तेज तत्वची मूर्तिमंत जशें जावनुं मुखार आयल्यांकीं कांय! राजाक ताजें दर्शन कैलासपर्वताप्रमाणें दुर्धर्श आनी काळाग्निप्रमाणें दुःसह जालें. ताजे खांद्यारी परशु आनी विजेचे जीभेप्रमाणें धनुश्य आशिले. हातांतु तीक्ष्ण बाण आसून तो साक्षात त्रिपुरांतक शिव जसो शोभतालो.

पौराणिक कथेंचो इत्यर्थ होची आसका कीं परशुरामान अपरांताचे आनी गोमंतकाचें आर्यीकरण केलें. हो प्रदेश ताणें समुद्रापासून घेतलो म्हण्णुं मानल्या. ताजो अर्थ म्हळ्यार कदाचित् परशुरामान समुद्रवाटेन हो प्रदेश वसाहत केलिलो उरत. भरुकच्छ आनी सोपारा हे समुद्र किनारी आशिले बंदर आसाची. भृगु वंशीयांचो प्राचीन काळापासून इराणचे आर्यांबरोबर संबंध आशिल्यान समुद्र पर्यटन करचें तांका साहजिक आशिलें. आनी समुद्रकिनाऱ्यावयर निवास करचें वास्तविकतेक लागून आशिलें. महाभारतांतुले शांतीपर्वांतु म्हळ्यां:

"गच्छ तीरं समुद्रस्य दक्षिणस्य महामुने
न ते मद्विशये राम वास्तव्यमिह कर्हिचित् ।
ततः शूर्पारक देशं सागरस्तस्य निर्ममे
सहसा जामदग्न्यस्य सोऽपरान्तमहीतलीम् ।।"

कोंकण प्रदेश आनी परशुराम हांगेले मध्यें इतलो लागींचो संबंध आसा कीं एकाक सोडनुं दुसरयालो विचार जायना. आतांपर्यंते आर्यांली जे वसणूक्यो भारतांतु पसरल्यो ते सर्व सर्वसाधारण क्षत्रिय कुळांनी प्रेरित केलिली आशिली. परशुरामान वसणूक बसयली ती आर्यावर्तांचे ब्राह्मण कुळांची. सह्याद्रिखंडांतु म्हळयां :

> पश्चात् परशुरामेण ह्यानिता मुनयो दश ।
> त्रिहोत्रवासिनश्चैव पंचगौंडांतरे स्थिताः ।।
> गोमांचले स्थापितास्ते पंचकोश्यां कुशस्थले ।
> भारद्वाजः कौशिकश्च वत्सकौण्डिन्यकश्यपाः ।।
> वसिष्ठो जमदग्निश्च विश्वामित्रश्च गौतमः ।
> अत्रि दशर्षयश्चेते स्थापितास्तत्रैचैव हि ।।
> श्राद्धार्थं यज्ञार्थं भोजनार्थंच कारणात् ।।

ह्या प्रकारचे आर्यीकरणाचे प्रक्रियेंतु सर्वसाधारण रुशीकुलीन ब्राह्मणां-बरोबर क्षत्रिय कुळांचो सुद्धां वांटो आसतालो, तरी कोंकण प्रदेशाचे वसणूकींतु ब्राह्मणकुळांचो भाग जास्त प्राधान्यतेन दिसून येता. ताका लागून कोंकणी लोकांली कोंकणी भाशा भाशादिश्टीन अंतरकुळांतले शौरसेनीपासून साहजिक परिवर्तन जावचें तशें आसा.

कोंकणी भाशिक सारस्वत ब्राह्मणांलो संबंध सुद्धां ब्रह्मावर्तांचे आर्यांबरोबर काडचांतु आनी एक पुरावो मेळता. कोंकणातुले सारस्वत ब्राह्मण त्रिहोत्र निवासी म्हळचार तिरहूत प्रदेशांचे म्हण्णुं मानचांतु येता. जाल्यार ही समझूत चूकीची हे विचार केल्यार दिसून येत. कारण तिरहूताचे मूळ नांव संस्कृतांतु "त्रिहोत्र" म्हण्णुं नासताना "तिरभुक्ति" वा "तैरभुक्ति" म्हण्णुं आशिलें. बृहद् विष्णुपुराणां-तर्गत म्हण्णुं प्रसिद्ध जालिलें मिथिला खंडांतु "तैरभुक्ति" हे मिथिला देशाचे बारा नांवापैकी एक नांव आशिलें म्हण्णुं प्रियोळकर म्हणताची. मुखारसरनुं आपण्याले "सारस्वत ब्राह्मण आणि त्यांचे सारस्वत" ह्या लेखांत म्हणताची, "श्याम नारायण सिंग या तिरहूतच्या इतिहासाच्या संशोधकांना तिरहूतबद्दल त्रिहोत्र, असा निर्देश कोठेंही सांपडला नाहीं, हें लक्षांत ठेवण्यासारखें आहे. सह्याद्रि-खंडामध्यें "त्रिहोत्र", "त्रिहोत्रक", "त्रिहोत्रपूर" असे निर्देश आढळतात. "त्रिहोत्र" हा तीरभुक्तिबद्दल अपपाठ असेल, असेंही वाटत नाहीं. कारण जर्सन द कन्ह यानें "सह्याद्रिखंडा"ची जी प्रत प्रसिद्ध केली, ती गोमंतक, कोचीन, कर्नाटक, काशी अशा ठिकठिकाणीच्या जमविलेल्या चवदा हस्तलिखितांवरून होय. त्यापैकी कोणत्याही हस्तलिखितांत तिरहूतबद्दल "तिरभुक्ति" असा पाठ नाहीं."—श्री शांतादुर्गा: चतुःशताब्दी महोत्सव ग्रंथ. पृ. ७.

ह्या प्रकार त्रिहोत्र हें तिरहूत अशें पारंपरेन जें मानचांतु येता, तें चूकीचें अशें दिसून येता. ताजे उलट ऋग्वेद, ब्राह्मण ग्रंथ, श्रोतसूत्रांचो अभ्यास केल्यार एकची निश्कर्श काडचो तशें आसा, आनी तो म्हळयार त्रिहोत्र हो मूळांत दुसरो खंचोयी प्रदेश नासताना सरस्वती न्हंयेचे किनाऱ्यावयर आशिलो ब्रह्मावर्त प्रदेश. ह्या निश्कर्शाक अनुकूल असले विधानं खंची, हें आतां पोळोवयां. "त्रिहोत्र" हो शब्द "त्रिस्रोतस्" हाजेवयल्यान आयला. श्री म्हळयार तीन आनी स्रोतस् म्हळयार प्रवाह. आतां हे तीन प्रवाह खंचे आसू शकताची हाजो अभ्यास करयां.

सरस्वती न्हंयी ही आर्य लोकांतु एक पुण्यतम न्हंयी म्हण्णुं मानिलें आसा. ती केवल न्हंय मात्र नासताना पुण्यदायी देवी म्हण्णुं मानचांतु येतालें. जाल्यार सरस्वती ही कांय एक विशिश्ट न्हंय मात्र नासताना जंय जंय देवी सरस्वतीचो साक्षात्कार आर्यांक जालो थंय थंय तांका सरस्वती देवीलें अस्तित्व दिसलें. जेन्नां वैदिक विचार एकत्रित जावनुं ग्रंथित जाताले तेन्नां पंजाबचे प्रदेशांतु आशिले सरस्वती आनी दृशद्वती न्हंयेचे मध्यभागी आशिले प्रदेशांक देवनिर्मित "ब्रह्मावर्त" प्रदेश म्हण्णुं मानचांतु येतालो. ह्या ब्रह्मावर्तानंतरचे मुखेल प्रदेश म्हळयार कुरु-क्षेत्र, मत्स्य, पांचाल आनी शूरसेन, जे ब्रह्मर्षीप्रदेश म्हण्णुं ओळखुवचांतु येताले.[14] परंपरेन ब्रह्मावर्त आनी ब्रह्मर्षी प्रदेश हो सारस्वत समाजाचो मूळ प्रदेश म्हण्णुं मानिलें आसा. शूरसेन प्रदेशाची भाशा शौरसेनी आनी आताची कोंकणी भाशा हांतु भाशिक साम्य भाशातज्ञांक दिसून आयल्यां, ज्याविशय आमि सविस्तर अभ्यास मुखारचे प्रकरणांतु करचे आसाची.

वास्तविक सरस्वती न्हंयेविशय अनेक व्याख्या आसाची. ऋग्वेदांतु (ऋ. ६, ६१, १०) सरस्वतीक "सप्तस्वसा" म्हळयार सात प्रवाहान व्हांवची न्हंयी म्हण्णु उल्लेख केला. इतर प्रवाहांचीं नांवं म्हळयार, सुप्रभा, कांचनाक्षी, विशाल मनो-रमा, ओघवती, सुरेणु आनी विमलावती. "सुप्रभा कांचनाक्षी च विशाला च मनोरमा । सरस्वती चोघवती सुरेणुर्विमलोदका"—महाभारत. ह्या प्रमाणें सप्त प्रवाहांनीं व्हांवचे प्रदेशाक सप्तसारस्वत म्हळयां. जशें नंतरचे पुराण काळांतु "गंगा" हो शब्द नदीवाचक म्हण्णुं वेगवेगळे न्हंयेंक उद्देशून वापरताले तशींची वैदिक काळांतु सरस्वती हो शब्द पुण्यतम न्हंय म्हण्णुं आशिलो.

पौराणिक भूगोलानुसार सरस्वती न्हंय विनशन गांवालागीं अदृश्य जावचें पयलें ती अपायू नांवाचे आनी एक नदीबरोबर मेळिली उरता. त्या दिश्टीन पळेल्यार ब्रह्मावर्त प्रदेशांतु एक बाजून सरस्वती दुसरे बाजून दृशद्वती आनी ह्या दोग्गांचे मध्यें अपायू न्हंयेचे प्रवाह आशिले. तेन्नां ब्रह्मावर्त प्रदेशांतु तीन न्हंयेचे—सरस्वतीचे—प्रवाह व्हांवत आसात म्हणयेत. हे तीन प्रवाह किंवा त्रिस्रोतस् म्हळयार सरस्वती, अपायू आनी दृशद्वती म्हणचाक जाय. आनी ब्रह्मावर्त निवासी हेची त्रिस्रोत किंवा त्रिहोत्रनिवासी जावनुं आसाची.

ह्राजे वयल्यान निःसंदेह् निश्कर्श काडयेत कीं परशुरामान जे आपण्राले आप्त धा ब्राह्मण रुशी दक्षिणेंतु गोमंतकांतु हाडले ते ह्या त्रिहोत्र म्हळचार ब्रह्मावर्त प्रदेशांतुल्यान हाडले. आनी तांचे पासून कोंकणाचे आर्यीकरणाक सुरवात जाली.

ह्या प्रकार परशुरामान ब्राह्मण कुळं हाडिले नंतर साहजिक तांचेबरोबर कालांतरान थोडीं क्षत्रिय कुळं, जे भृगुवंशाबरोबर सहनिवासी आशिले, आयल्यार आश्चर्य ना. आमि पळयलें आसा कीं भृगु वंशाचे परशुरामाले आनी ययातीले कुळाचे यदु-तुर्वश, पुरु, अणु आनी द्रह्युबरोबर लागीचो संबंध आशिलो. पुराणांतु सांगिले आसा कीं ययातीन आपण्राले साम्राज्य आपण्याले पूतांतु वांटून दिलिलें. पुरुक स्वतः मध्यप्रदेश म्हळचार गंगा-यमुनेचो प्रदेश दीवनुं बाकीचे पूतांक दूरचे प्रदेश दिले. यदुक दक्षिणरथांतलो प्रदेश मेळिलो आसका. कारण यदुवंश आमकां नंतर भारताचे पश्चिम किनान्यावयर दिसताची. यदुवंशीयांनी सौराष्ट्रांतु कुशस्थळींतु, म्हळचार आताचे द्वारकेंतु, आपण्यालें राज्य स्थापन केलिलें. तांगेले वंशज दक्षिणेंतु दूर गोमंतकांतु आनी आजूबाजूचे प्रदेशांतु पसरिले आसून थंचे लोकांबरोबर संबंध दवरताले.

हरिवंशाचे विष्णुपर्वांतु सांगल्यां कीं प्राचीन काळांतु म्हळचार श्रीकृष्णालो जन्म जावचे पयलें—पद्मवर्ण सारस आनी हरित— ह्या यदुले तीन पूतांनी दक्षिणरथांतु तीन वेगवेगळे राज्य बसविलीं. त्या राज्यांचो विस्तार पळेल्यार दिसून येता कीं ते सर्व गोमंतक आनी कोंकण प्रदेशाचे आसपास आशिले. अुदारण पद्मवर्णान आपण्राले राज्य सह्य पर्वताचे वेणा नदीतीरावयर बसयिलें आसून ताजो विस्तार सान आशिलो. नांव पद्मावत आसून ताची राजधानी करवीर आताचें कोल्हापूर. सारसान वनवासी नांवाचे व्होड राज्य बसयिलें. राजधानीचें नांव क्रौंचपूर आसून थंय चांफे, अशोक आनी सर्व रुतुंतली झाडी आशिली. हरितान समुद्राचे तीरावयर आपण्याले राज्य स्थापन केलें. थंय अनेक रत्नं आनी सुंदर स्त्री आशिले. थंय मद्गुर नांवाचे लोक शंख एकटे करताले.[15]

हरिवंशांतु मुखारसनुं म्हळयां की यज्ञगिरीचे लागीं खाट् वांगा नांवाची एक न्हंय आसा. तांतु व्होड फातर आसून लागींची एक धबधबो आसा. तो पोंवन गेल्यार मुखार क्रौंचपुर नांवाचे शहर येता. बनवासी देशाचो राजा महाकपीली ती राजधानी जावनुं आशिली.[16] यदुवंशाचे श्री कृष्णालो आनी गोमंत देशाचो संबंध खास आसा. मथुरेचो राजा कंसालो वध कृष्णान केलेनंतर कंसालो मांव मगधाचो बळिश्ट राजा जरासंधान अनेक पटें मथुरेवयर धुरी घाली आनी मथुरेचे लोकांक त्रास दिलो. आपण्याले खातीर लोकांक दुःखी जावचें पडता हें पळोवनुं कृष्ण आपण्यालो भाव बलरामासयत दक्षिणेंतु येता. तो सह्य पर्वतावयर पावले कीं वेणा न्हंयेचे लागीं आशिले पद्मावत राज्याचे आवाठांतु शूर्पारकाचान आयिलो परशुराम तांका भेटता. खबर आयकुनु सुसंगिायेखातीर तांका परशुराम सह्याचे पायाखाली

आशिले गोमंत पर्वतावयर व्हरता. ह्या संदर्भाचो उल्लेख स्कंद पुराणांतबी येता. "गोमंतकगिरिं प्राप्तस्तत्रस्थान्मुक्तिहेतवे । तत्र विष्णुः स्वयं तस्थौ जरासंध-भयार्दितः ॥" स्कंदपुराणांतर्गत सह्याद्रिखंड, अध्याय ३.

ह्या संदर्भावयल्यान एकचि निश्कर्श काडयेत. आनी तो म्हळचार, कोंकणांतु वसणूक करचे आर्य म्हळचार ब्रह्मावर्तचि ब्राह्मण आनी अंतरवर्तुळांतले चंद्रवंशीय क्षत्रिय जावनुं आशिले. ताका लागून तांगेली तोंडी भाशा अंतरवर्तुळांती आर्य भाशा म्हळचार शौरसेनी जावनुं आशिली. तितलेंची न्हंय तर शौरसेनी भाशेचो पद्यमय प्रकार जावनुं आशिले महाराष्ट्रीप्राकृत आनी कोंकणी भाशेंतु आशिलो संबंध ह्याची कारणान इतलो घनिश्ट आसा हांतु दोन मत नांची.

परशुरामान कोंकणांतु वसाहत बसोवचें पयलें थंय कोणांली वस्ती आशिली हें आतां पोळोवयां. आमीं पयलेंची पळयल्यां कीं आर्यांनी भारतांतु न केवल उत्तरेचान वसाहत बसयिले तर समुद्रवाटेन बीं ताणीं येवनुं नर्मदेचे तीरावयर आनी पश्चिम करा-वळीवयर वसाहत बसयिले आशिले. तांचे पयले जे द्राविड आनी ऑस्ट्रेलाईड वंशाचे लोक भारतांतु आयिलें तांणीबी होची मार्ग धरनुं भारताचो प्रवेश केलिलें आमि पळयल्यां. तशें पळयल्यार भारताचो आनी भूमध्य प्रदेशाचे राज्यांतलो संबंध समुद्र वाटेन घनिश्ट अशि अनेक शतकान शतक आशिलो अशि इतिहासाचे अभ्यासा वयल्यान आमकां आतां दिसून आयल्या.

थोडे वर्स मागशीं जेन्नां आर्किओलोजिकल सर्वे आफ इंडियान गोंयचे केपे आनी जांबावलीचे वाठारांतु उत्खनन केलें तेन्नां तांका गोयांतु पूर्व पाशाणयुगाचे मानवाले अस्तित्व दिसून आयलें.[17] ताजे उपरांत ऑस्ट्रेलाइड, सुमेरीयन आनी मिधून्हंयेचे संस्कृतीचे अनेक अवशेश कोंकणांतु दिसचाक मेळताची. ह्राजो एक निश्कर्श म्हळचार आस्टिक, सुमेरीयन आनी नाग वंशाचे जमातींनी कोंकणांतु वास्तव्य केलिलें आसचाक जाय. कारण ह्या जमातीचें न केवल आचार-विचार पुण भाशेंतले शब्दबी आयचे कोंकणी भाशेंतु दिसून येताची. ऑस्ट्रेलाईड वंशाचे मुंडा हांगेलो आनी सुमेरीयन जनांले भाशेंचो अवशेश कोंकणी भाशेंतु दिसून येता. उदारणः दोळो, परब, मुसुडु असले शब्द. गोंयचो "धालो" नांच हो मूळांतलो मुंडा जमातीचो आसून "धालो" ह्या शब्दाचो अर्थ मुंडारी भाशेंतु वारयाभोशेन हालचें म्हण्णुं जाता.

आमी ह्राजें पयलेंची सांगिल्लें आसा कीं ऑस्ट्रेलाईड जमातीन भारतभर आपण्शालो व्याप पसरायिलो. कर्नल विलफोर्डांली मतान आर्यांनी भारतांतु येवचें पयलें हो भूंयप्रदेश कोलार म्हण्णुं ओळखुवचांतु येतालो.[18] ग्रीक देशाचो भूगोल शास्त्रज्ञ प्लूटार्क भारताचो उल्लेख करताना ह्या प्रदेशाक कोलरिया म्हण्णुं उल्लेख करता. गुस्ताव आपर्ट ह्या तज्ञान भाशाशास्त्र, धर्मशास्त्र आनी वंशशास्त्रांचे आधारावयर भारतांतले आर्यपूर्वीचे जमातींचे विभाजन गौड आनी द्राविड ह्या गटांतु केलिलें आसा. ह्या विभाजनेक भाशिक आधार घेतले आसून को किंवा कु हो मूळ धातु ज्या जमातींले

नांवांतु आसा ती जमात गौड आसून माला हो धातु ज्या जमातींले नांवांतु आसा ती जमात द्राविड म्हण्णुं मानिलें आसा[19].

को किंवा माला हे धातु दोंगराचे वाचक आसून हे आदिवासी जमाती वास्तविक दोंगराचे प्रदेशांतु वास्तव्य करताले. को शब्दाचो वर्णविपर्यय जालिल्यान खो वा गो जाता आनी ताका लागून को, खो वा गो हो धातु ज्या जमातींचे नांवांतु आसा असले कोल, कोळी, कोरम, खोंड, कोडग, गावडा, गोंड, कोंग ह्या नांवाचें जमाती गौड वर्गीय जमाती म्हणयेत. एक समयी गौड आनी द्राविड वंशाचे सर्व उत्तर भारतांतु पसरिले. जाल्यार काळानुसार गौड लोक उत्तरेंतु सामान्यत: स्थायिक जाले आनी द्राविड दक्षिणेंतु उतरले. ताका लागून उत्तर हो गौड देश आनी दक्षिण हो द्राविड देश म्हण्णुं संबोधन जावचाक लागलो. हे संदर्भान स्कंद पुराणांतलो एक उल्लेख दीवयेत "कर्नाटश्चैव द्राविडा गुर्जरा राष्ट्रवासिन: आंध्रश्च द्राविड: पंच विंध्यदक्षिणवासिन: । सारस्वत:कान्यकुब्जा गौड मैथिलकोत्कल:पंचगौड इतिख्याता विंध्यस्योत्तरवासिन:।।"

पयलें हे कोल दोंगराचे प्रदेशांतु आसताले तरी काळांतरान जेन्नां ते समुद्राचे करावळीवयर आयले तेन्नां ताणीं नुस्तें धरचें काम हातांतु धरिलें आसका. हरिवंशांतु ह्या वंशाचे लोकांविशय उल्लेख केलिलो आसून तांका मद्गुर म्हण्णुं संबोधिलां. "तस्य दाशा मद्गुरा नाम विश्रुता: । ये हरंति सदा शंखान् समुद्रो दरचारिण:।" मूळांतु हे दोंगरावयर निवास करताले आसल्यारीयी उपरांत समुद्र किनार्यावयर ताणीं नुस्तें धरचो धंदो केल्यार तांतु आश्चर्य ना. हे कोळी वंशांचे लोक उत्तरेचान गुजरात प्रदेशाचे कोळवण म्हण्णुं आपोवचे प्रदेशांतुल्यान कोंकणपट्टीचे समुद्र किनार्यावयल्यान आयिले आसका. कारण हांगेलो वसणूक्यो ह्या प्रदेशांतु दिसून येताची. हे मताक सर जॉर्ज कॅंपबेल पुरस्कार दिताची. ह्या कोळींक महादेव कोळी म्हण्णुं आपोवची प्रथा आसा. हाजें कारण कदाचित् ते शिवपूजक आसूयेत. गोकर्ण-महाबळेश्वराचे मंदिराबरोबर कोळ्यांलो संबंध आसा. डा. जर्सन द कुन्हाले मतान[20] मुंबयचे वाळुकेश्वर लिंगा-बरोबर कोळ्यांलो संबंध आसा. कदाचित् गोंयांतु जी लिंगपूजा प्रचारांतु आसा ती ह्या कोळी जमातीक लागून आसूयेत कीं म्हण्णुं शंका येता.

कोंकणांतुले सांस्कृतिक जीवनांतु नाग जमातीचोवी मुखेल भाग आसा. मानिलें आसा कीं नाग लोक हे पूर्वीले काळांतु कास्पियन समुद्राचे आसपास निवास करत आसून तेवी भूमध्य प्रदेशाचान समुद्र मार्गान भारतांतु प्राधान्यतेन नर्मदेचे भूंय प्रदेशांतु निवास करताले. जाल्यार नाग हे आस्टिक कीं द्राविड वंशाचे म्हण्णुं प्रश्नो पडला. हे नाग नर्मदेचे सकयल उतरत इतर अनार्यप्रमाणें दक्षिणेंतु पश्चिम किनार्यान कोंकण, मलबार, केरळ मेरेन पसरले. वेदांतु हांका आर्यांले शत्रु म्हण्णुं मानिलें आसा. पुराणांतुले आर्य-अनार्य संघर्षांतु थोडे नाग जाती अनंत, वासुकी, शेश आर्यांबरोबर सालोख्य दाखय-ल्यार तक्षक, कार्कोटक, कालीय, जातींनी वैमनस्क दाखयलें. श्री कृष्णान कालिया राजाक मथुरेचान पाताळांतु धांवडायलो वृत्तांत आमकां हरिवंशांतु मेळता. बलराम

जेन्नां तीर्थयात्रेक वता तेन्नां नागवर्त्म ह्या क्षेत्राक दिलिले भेटी विशय विस्तृत वृत्तांत आमकां महाभारताचे शल्य पर्वांतु मेळता. नागवर्त्म शहरांतु नागराजा वासुकीले देउळ आसून थंय दरदिवस चौदा हजार रुशी आनी देवगण येवनुं अराधना करताले म्हण्णुं सांगल्यां.[21] नर्मदातीरारि आशिली महिश्मती शहर पयलें नागलोकांली राजधानी आसून उपरांत ती हैहय राजान जिकली.

महाभारताचे ग्रंथांतु आनी हरिवंशांतु नागांचे मूळ स्थान अपरांत म्हण्णु दिलिलें आसा. हाजे कारण नागांनी आपण्याली पयली वसणूक कदाचित समुद्रमार्गान येवनुं ह्या प्रदेशांतु केलिली उरत. नागलोकांले तल, अतल, पाताल, रसातल हे सर्व विभाग म्हळयार आताचे कोंकण प्रदेश म्हण्णुं राजवाडेनी निश्कर्श काडिलो आसा.[22] गोंयचे दक्षिणेक आशिले आनी आताचे कारवार जिल्ह्याक पूर्विकाळांतु हैव वा हैग म्हण्णुं संबोधन करताले. हैग हे संस्कृत शब्द अहिक्षेत्राचे कानडी रूपांतर आसा.

ह्या सर्वांचो सांस्कृतिक परिणाम म्हळयार कोंकणांतु अजून नागसंप्रदायेचे चिन्नं दिसून येताची. हस्तिनापुराचे एक नांव नागाव्हय म्हण्णुं आशिलें. गोंयांतु नागवे हो गांव आसून ताका स्कंद पुराणांतु नागाव्हय म्हण्णुं दिल्यां. गोंयांतुले कित्येक न्हंयेक नागझरी म्हण्णुं आपयताची. मंगेश आदि देवांचे मागशी नागाची प्रतिमा दिसून येता. थोडे लोकांले मतान मंगेश हों महाशेश आनी शिवाले संयुक्त प्रतीक जावनुं आसा. त्याची तरेन अग्निदेवतेली प्रतिनिधी जावनुं आशिले अश्वत्थाचे सकयल नागप्रतिमा स्थापन करची प्रथा आसा. त्याची प्रमाणें अश्वत्थ आनी नागदेवाचे पूजासमय तांका ब्राह्मण म्हण्णुं लेखून तांका जानवें घालचें, सर्प मेलिलो दिसल्यार तो ब्राह्मण म्हण्णु तागेलो शास्त्रोक्त अंत्यसंस्कार करचें—हे सर्व नाग संप्रदायेचे कोंकणी समाजांतु जालिले परिणाम म्हणयेत.

ह्या तरेन जेन्नां परशुरामान आपण्याली आर्य वसाहत कोंकणांतु बसयली तेन्नां हांगा समृद्ध असली नाग, कोळी, मुंडा जमातींची वसाहत समाजांतु सर्व तरेन भाग घेवनुं वावुरताली.

प्रागिटराले कालगणनेप्रमाणें परशुरामालो काळ सुमार इ.स.पू. १७००–१६०० उरचाक जाय. महाभारत युद्धाचो काळ ताणें सुमार इ.स.पू. ९५० निश्चित केल्यार रायचौधरीन तो काळ सुमार इ.स.पू. १४१२ आनी जयस्वालान सुमार इ.स.पू. १४२४ मानिलो आसा. ताजे उलट विल्सन, कोलब्रुकाले मतान तें युद्ध इ.स.पू १४००–१३०० सुमाराक जालिले आसा. ह्या तर्कांचो सारासार विचार करनुं आमि मानयेत कीं इ.स.पू. १५०० पासून वैदिक परंपरा आर्यसमाजांतु समयानुसार कमी जात गेली. भाशेचें शुद्ध स्वरूपांतु बदल दिसले आनी देशकालजनांगांचे संपर्कान भाशिक परिवर्तन जावचाक लागलें. पश्चिमेचे उदीच्य आनी पूर्वेचे प्राच्य देशांतुले भाशेंतु आनी आचार विचारांतु फरक दिसून येवचाक लागलो. वैदिक संस्कृतीची ह्या प्रकार जावची भ्रश्टता आनी परिवर्तन राबोवचाक आनी आपण्याली वैदिक भाशा

शुद्ध स्वरूपांत टिकोवचाक आर्यांनी आपण्याले आतांपर्यंत केवल वाणिरूपांतु आशिले मंत्र सर्वप्रथम संग्रहित करचें कार्य हातांतु घेतलें. सुनीतीकुमार चटर्जीले मतान ही घटना इ स.पू. १२ वे शतकांतु सुरवात जाली. त्या कारणान वेदांतुली ग्रांथिक छंदसी भाशा जरी ह्या रीतीन शुद्ध दवरचांतु आयली तरी तोंडी स्वरूपांतुली भाशा मात्र नियंत्रणांतु दवरचें शक्य जालें ना. आनी जेन्नां उदीच्य देशांतुले पाणिनीन (साधारण इ.स.पू. पांचवे शतक) भाशा शुद्ध दवरचाक व्याकरण रचयलें तेन्नां प्राच्य देशांतु भगवान बुद्धदेवान (इ.स.पू. ५५७–४४७) बहुजनसमाजाची भाशा जावनुं आशिले प्राकृत भाशेक आपण्याले धर्मप्रसारक भाशावाहन केलें. जेन्नां भाशेक व्याकरणाची चौकट बसली त्याची समयाक प्राकृताक धर्मतत्व-प्रतिपादनेची प्रतिश्ठा मेळ्ळी. निसर्गाचे नियमांक लागून प्रत्येक घटकांचो विकास प्राकृतिक-विकृतिक-सास्कृतिक ह्या अवस्थांतरांतुल्यान जाता. ह्या नियमाक भाशा अपवाद ना. भाशाची प्राकृत-विकृत-संस्कृत हे तरेन विकास पाविली शक्यता आसा. तेन्ना संस्कृतापासून प्राकृत-भाशांचो जल्म जालो कीं प्राकृतांपासून शिश्ट "संस्कृत" भाशा जल्माक आयली, हो एक विचार करचो प्रश्नो आसा. पाणिनीले काळापयलें भाशेचे एक शास्त्र आशिले म्हण्णुं मानचे वस्तुस्थितीक लागून ना. तागेले काळापयले भाशा प्राकृतीक लागून बदलताली आनी भाशा ज्या स्वरूपांतु आमका नदरेक येता तीची प्राकृत भाशा आसून, त्या प्राकृत भाशांक शिश्ट करचांतु व्याकरणाचे नियमांक संबंधित करचांतु जी अवस्था प्राप्त जाली तीची "संस्कृत" भाशा आसूयेत. आसू.

कोंकणांतुलो नंतरचो इतिहास आमकां मौर्यकाळांतु मेळता. चन्द्रगुप्त मौर्यालो नातू अशोक मौर्य हागेलें राज्य दक्षिणेंतु मैसूरपर्यंत पसरिलें. तागेले ५ व्या पाशाणबरपांतु रस्तिक, पेतेनिक, वनवासी आनी अपरांत ह्या देशांतु धर्ममंत्रि धाडनुं दिलिले उल्लेख आसाची. त्याची प्रमाणें बौद्धधर्म प्रसाराखातीर ताणें आपण्यालो पूत महेंद्राक सिलोन धाडिलें. दीपवंस ह्या बौद्ध ग्रंथांतु ताणें सोपारा शहरांतु राबिलें आनी थंचे लोकांनी तागेलो सत्कार केलिलो उल्लेख आसा. भाशा-तज्ञांले मतान सिंहली आनी मागधी भाशेंतु लागीचो संबंध आसा. महावंस ह्या पाली ग्रंथांतु इ.स.पू. ३ रे शतकांतु म्हळचार अशोकाले कारकिर्दीतु मोग्गलि-पुत्त तिस्स हाणें आपण्याले धर्मोपदेशकांक जे निरनिराळे प्रदेशांतु धाडिले तांतु अपरांत हो एक प्रदेश आशिलो.

बौद्ध धर्माबरोबर धर्मग्रंथाची भाशा प्राकृताचो सुद्धां प्रचार जावचें साह-जिक जावनुं आसा. बौद्ध धर्माचो वाढचो प्रभाव कोंकणांतु दिसून येवची पाशाण बरपां, लेणीं, विहारं हांतुल्यान दिसचाक लागलो. धर्म प्रसाराखातीर येवची भिक्षूंची संख्या जशें जशें वाढचाक लागलीं तशें तशें रावचाक विहारं आनी धर्मोपदेशाखातीर चैत्यघरं, आनी पूजेखातीर स्तूपं कोत्रावचांतु आयली. उत्तरेक कार्ला आनी कन्हेरी ते दक्षिणेंतु गोमंतकपर्यंत हांची दृश्य चिन्हं आसाची.

गोंयचे रिवोणा गांवांतुले पांडवसडो नांवाचे डोंगरांतु बौद्ध धर्मियांची विहारं आसाची. ऋषिवन ह्या संस्कृत नांवावयल्यान रिवण नांव आयल्यां. बौद्ध भिख्खु हेची त्या काळाचे ऋशी आसूंयेत.

बौद्ध धर्म साधारणतः बहुजनसमाजांतु वावुरत आशिल्यान धर्मग्रंथांबरोबर तांची भाशावी प्रचारांतु येवका हे साहजिक आसा. नंतरचे राजे महाराजांनी बौद्धधर्माबरोबर वैदिकधर्म आपणयल्यारीयी तो सुद्धां आर्यधर्मूंची आशिलो आनी भाशा आर्य भाशाची आशिली. ह्या सर्व कारणांक लागून कोंकणांतु आर्यीकरण आनी तन्मूलक आर्य भाशेंचे अवतरण जालें.

भाशा भाशांचो विकास सर्वत्र एकची तरेन जाय ना. त्या कारणान बौद्ध धर्मा-बरोबर धर्मग्रंथाची पाली भाशा जरी वाचचांतु येवचाक आयली तरी त्या संसर्गाचो प्रभाव भाशेवयर स्थानिक भेद लक्षांतु धरनुं वेगवेगळे रीतीन जावचाक लागलो. त्या अवस्थांतराचो विस्तृत विचार आमि नंतरचे अध्यायांतु करचेची आसाची. आतां इतलेची सांगचे जरूर आसा आनी तें म्हळयार संस्कृत भाशेंतुल्यान परि-वर्तन जालिले मागधींतु आनी बौद्ध-अशोककालीन भाशेंतु जे भाशा भेद दिसले तेची किंवा त्या नियमांक अनुसरून भेद कोंकणींतु दिसून येताची. कोंकणींतले अनेक शब्दप्रयोगांचे मूळ पालींत दिसून येता, तें हेंची कारणान. भिन्न भिन्न भाशा उलोवचे लोक जेन्नां निकट येताची तेन्नां भाशिक लक्षणं दिवचे-घेवचें हें साह-जिक आसता. आनी त्या नियमांक अनुसरून कोंकणी भाशेची मातृतुल्य भाशा शौरसेनी आनी महाराष्ट्रींतु फरक जावचाक लागलो.

कोंकणांतु अनेक राजवटी राज्य करून गेले. आनी ताणीं बौद्ध आनी त्याची रीतीन वैदिक धर्मांक वी आश्रय दिलें. ताका लागून संस्कृत आनी भारतांतु मूळ जल्माक आयिले प्राकृत भाशेंक सारखेंच ह्यत्व मेळ्ळे. बनवासीचे कदंब, बादामीचे चालुक्य, राश्ट्रकूट, देवगिरीचे यादव, गोंयाचे शीलाहार, विजयनगराचे राजे, पोर्तुगीस ह्या सर्वांनी कोंकणांतु आपणाले अवशेश आनी प्रभाव पसरायले. ताका लागून कोंकण समाजांतु ज्या तरेन अनेक संस्कृतींचो अणभव मेळिल्यान कोंकणी मनीस सुसंस्कृत आनी कोंकण हें विद्येचें, गिन्यानाचे, कलाकौशळांचे कुळार जावनुं शोभलें, त्याची तरेन कोंकणी लोक स्वाभिमानाक, आपलेपणाक, स्वधर्मांक पोरके जाले म्हणका. वैदिक आनी भारतीय अस्मितायेक स्वरूप दिवचो हो समाज स्वतःचो आत्मो विसरलो. महात्मा गांधीजी म्हणताले कीं हांव मेगेले घराचे खिडकी-दरवाजे सदा उघडून दवरतां. कारण चारी दिशाचे वारे मेगेले घरांतु येवू आनी मेगेले घरांतु चैतन्य हाडूं. जाल्यार ते वारे असले आसू ना फावों जाका लागून मेगेले पाय मेगेले घरांतु अस्थिर जायत आनी मेगेले घर नाश पावत. कोंकणी मनुश्यान चारी दिशाचे वारे आपण्याले घरांतु येवचाक दिले, अनेक सुगंध, अनेक रसांचो माधुर्य आस्वादन केलें. आनी त्या धूंदीन उन्मत्त

जालिलो कोंकणी मनीस आपणालो आत्मो मात्र विसरलो आनी दूरचे दोंगराचो गुलाम जालो. जेन्नां भगवान बुद्धालो एक प्रिय शिश्य म्हण्णुं पुण्णालें नांव घेताना, इ.स. १००० तुले शिलाहार राजालो मंत्रि सेणावई नागमैयलो उगडास काडताना, इ.स. १००० तुले यादव महासामंत दुसरी भिल्लमाकडचान जमीन बक्षिस घेवचे महलपैय, वच्छपै, तिक्कपै ली तोखणाय करताना, इ.स. ११२६ तु गोमंतकांतुलो दुसरो जयकेशीलो प्रधान गोवीपैलो याद करताना, इ.स. १०३६ तु गोंयचे चांदरचो कदंब रायो गुहल्लदेवालो मंत्री देवपै, दामपै, मावपै, मल्लपै आनी सोळावें शतकांतुलो भट्टोजी दीक्षीतालो, महादेवशास्त्री सुखटणकरांलो आनी १८ वे शतकांतुलो आबे फारीयाली याद काडताना आमका त्या सर्वांत कोंकणी मनीस दिसलो नां ते ह्या गुलामी वृत्तीक लागून आसा. हें कोंकण देशाचें दुर्भाग्य म्हणका.

तरी सुद्धां राजाश्रयाशिवाय, सुसंस्कृत बुद्धिशाळी बांधवांले हातभार मेळिले शिवाय जर कोंकणी भाशा जनसामान्यांले जीभेवयर अजून घोळता, दूधाचे उंडया-प्रमाणें मनाक समाधान दीत आसा तर तें त्या भाशेंतु मूळत: आशिले शक्तिक लागून. कोंकणी भाशा आयज आपणाले आंतरिक घडणीवयर, चैतन्यावयर अवलंबून कोंकण समाजांतुलीं मूल्यं एकठावनुं सर्जन पावयता. ताका आमी कोंकणी मनीस अर्ह आसात की नांची हे आमींच ठरोवका.

---

टीप:

1 "Mankind, it seems, has to find a symbol in order to express itself. Indeed, expression itself is symbolism. Symbolism is no mere idle fancy or corrupt degeneration. It is inherent in the very texture of human life. Language is itself symbolism."—*Symbolism*—by Dr. A. Whitehead, p. 23.

2 "It is now becoming more and more clear that the non-Aryan contributed by far the greater portion in the fabric of Indian civilisation, and a great deal of Indian religions and cultural traditions, of ancient legend and history, is just non-Aryan translated in terms of the Aryan speech—as it was the Aryan's Speech that became the dominant factor, although non-Aryan elements made very large inroads into its purity. To give a brief resume: the idea of *karma* and Transmigration, the practice of *yoga,* the religious and philosophical ideas centering round the conception of the divinity as Siva and

Devi and as Vishnu, the Hindu ritual of *puja* as opposed to the Vedic ritual of *homa*—all these and much more in Hindu religion and thought would appear to be non-Aryan in origin." —Dr. S. K. Chattergee—*Indo-Aryan and Hindi*, p. 31.

3 "Nigritos were not in a position to influence the languages which came to India subsequently. At least two other linguistic strata covered up Nigrito speech—The Austric and the Dravidian, before the Aryans arrived, so nothing from Nigrito speech had much chance of coming into Aryan."—Dr. S. K. Chatterjee—*The History and Culture of Indian People*, Vol. I, p. 141.

4 "When the Indo-Aryans had conquered and colonised the basin of the Indus and its tributaries and that of the Ganges as far as Benaras, the Asuras surrounded them on all sides. They were certainly in possession of Magadha or South Bihar and modern Rajputana at the time of the tribal war between the Pandavas and the Kurus. These Asuras were great builders, and their building operations were regarded with awe and reverance by the Aryans. In Vedic literature mention is made of the castles of the Dasas built of stones. Cities belonging to the Asuras are called Patala, Sambha, Pragjyotissa, Hiranyapura, Taksasila. In the eastern countries Girivraja, the Capital of the Asura Chief, Jarasandha and its defences excited the admiration of the Pandav Chief, Bhima. When Yudhishtira, the eldest of the Pandavas, performed the Rajasuya ceremony, the Asura Architect Maya was called to design and build the buildings required for the sacrifice."—R. D. Banerji.

5 & 6 "The chief opponents of Aryan progress were the Dravidian Races, who had covered the country with a network of strongly centralised and well-established governments.....There is ample evidence to show that it was not the Aryans who made India a great exporting country....The Kolerian and Dravidian settlers had founded and maintained a flourishing inland and foreign trade long before the advent of the Aryans, and this trade could only have been begun and kept up by a people who had made great advances in civilisation."

7 "The Vedic religion absorbed, embodied and preserved the types and rituals of other cults. Instead of destroying them,

it adapted them to its own requirements. It took so much from the social life of the Dravidians and other native inhabitants of India that it is very difficult to disentangle the original Aryan elements from the others."—Dr. S. Radhakrishnan—*Eastern Religion & Western Thought*, p. 308.

8 A. H. F. Hoernle—*A Grammar of Eastern Hindi*—प्रस्तावना.

9 चिं. वि. वैद्य—*JBBRAS*, Vol. XXIV, p. 16.

10 ययातेःपंच दायादास्तान्प्रवक्ष्यामि नामतः। देवयानी यदुं पुत्रं तुर्वसुं चाप्यजीजनत् । ५३ । तथा द्रह्यंुमणुं पुरु शर्मिष्ठा जनयत्सुतान् ॥ ५४ ॥ मत्स्य पुराण. २४.५३-५४.

11 "The circumstances seem to disclose the fact that sometime in the remote past Magadhi must have reached upto the extreme western frontiers and been the only language of North India; but that in course of Time it gradually reached more and more towards the South and East before the advance of the Saurseni tongue, bearing, however, traces of its former presence."—होर्न्ले : प्रस्तावना—*A Grammar of the Eastern Hindi*, p. 31-32.

12 "His (Hoernle's) contention seems to me to be entirely justified, and so far back as we can trace the linguistic history of Northern India, we find a "Māgadhī Prākṛit Tongue" occupying the north-west, south and east, with a wedge of Shaurseni in the Midland, which it embraces on three sides."—ग्रीयर्सन—*B S O S*, Vol. I. No 3, p. 54.

13 ". . . . The Ṛigvedic hymns sometime speak of these people with abhorance, as people who should be killed or suppressed and sometimes they speak of them with respect and affection. The Vedic Ṛishis sometimes invoke the blessings of their Gods on them and implore them to give them power and prosperity, but they often ask their Gods to destroy or defeat them. This clearly indicates that these people came later and were for sometime intruders and therefore hated as enemies by the first settlers. They, however, eventually settled in certain lands and were then invoked blessings upon being Aryans and possessors of the same religion as the first settlers with certain differences."— चि. वि. वैद्य— *JBBRAS*, Vol. XXIV, p. 47.

14 सरस्वतीदृशद्वयो देवनद्योर्यदन्तरम् । तं देवनिर्मितं देशं ब्रह्मावर्तं प्रचक्षते । तस्मिन् देशे य आचारः पारम्पर्यक्रमागतः। वर्णानां सान्तरालानां स सदाचार उच्यते ।। कुरुक्षेत्रं च मत्स्याश्च पंचालाः शूरसेनकाः। एष ब्रह्मर्षि देशो वा ब्रह्मावर्तादनन्तरः । एतद्देशप्रसूतस्य सकाशाद् अग्रजन्मनः । स्वं स्वं चरित्रं शिक्षेरन् पृथिव्यां सर्वमानवाः ।। मनुस्मृति ।।

15 पद्मवर्णोऽपि राजर्षिः सह्यपृष्ठे पुरोत्तमम् । चकार नद्या वेणायास्तीरे तरुलताकुले । २४ । विषयस्याल्पतां ज्ञात्वा संपूर्ण राष्ट्रमेव च । निवेशयामास नृपः सवप्रप्रायमुत्तमम् । २५ । पद्मावतं जनपदं करवीरं च तत्पुरम् । निर्मितं पद्मवर्णेन प्राजापत्येन कर्मणा । २६ ।सारसेनाऽपि विहितं रम्यं क्रौंचपुरं महत् । चंपकाशोकबहुलं विपुलं ताम्रमृत्तिकम् । २७ । बनवासीति विख्यातः स्फीतो जनपदो महान् । पुरस्य तस्य तु श्रीमान्द्रुमैः सार्वर्तुकैर्वृत्तः । २८ । हरितोऽपि समुद्रस्य द्वीपं समभिपालयत् । रत्नसंचयसंपूर्णं नारीजनमनोहरम् । २९ । तस्य दाशा जले मग्ना मद्गुरा नाम विश्रुताः। ये हरंति सदा शंखान् समुद्रोदरचारिणः।। हरिवंश, विष्णुपर्व, अ. ३८.

16 प्रोष्ये तत्र निशामेकां खट्वांगां नाम निम्नगाम् । ५८ । भद्रं ते संतरिष्यामो निकषोपलभूषणाम् । गंगाप्रपातप्रतिमां भ्रष्टां च महतो गिरेः । ५९ । तस्याः प्रपातं द्रक्ष्यामस्तापसारण्यभूषणम् । ६० । तां तीर्त्वा निम्नगां तत्र तांश्च दृष्ट्वा तपोधनान् । रम्यं क्रौंचपुरं नाम गमिष्यामः पुरोत्तमम् । ६१ । वंशजस्तत्र ते राजा कृष्णधर्मरतः सदा । महाकपिरिति ख्यातो बनवास्यजनाधिपः । ६२ । हरिवंश, विष्णुपर्व, अध्याय ३९.

17 *Indian Archaeology*, 1964-65, A Review, P. 8.

18 "The oldest name of India that we know of, is, Colar, which prevailed till the arrival of the followers of Brahma, and is still preserved by the numerous tribes of aborigines, living among woods and mountains." Colonel Wilford, *"A Comparative Essay on the Ancient Geography in India"* in Asiatic Journal of Bengal, pp. 227-8.

19 "The foemen whom the Aryans first encountered were generally brave mountaineers who offered a stout resistance in their numerous castles. Indeed most tribal names of the inhabitants of India will be shown to refer to mountains.

"The two special Gauda-Dravidian terms of mountain are mala . . . and ko . . . Both kinds of expressions are widely

used and prevail throughout India. Hence are derived the names of the Mallas, Malas, Matavas, Malayas . . . and of the Kolis, Kodulus, Kendas, Gondas, Gandas, kuruvas . . . I shall in future call those tribes whose names are derived from mala, Dravidians and those whose names are derived from ko, Gaudians."

Gustar Opperl—*The Original Inhabitants of India,* p. 121.

20 "The Kolis, as will be shown hereafter, were the original inhabitants of Bombay, pay special devotion to this linga." Gerson da Cunha—*Indian Antiquary,* Vol. III, pp. 247-248.

21 ततः प्रायाद बलो राजान् दक्षिणेन सरस्वतीम् । गत्वा चैवं महाबहुर्नातिदूरे महायशाः ।। धर्मात्मा नागवत्मामां तीर्थंभागमदच्युतः । यत्र पन्नगराजस्य वासुकेत्सानिवेशनम् ।। महाद्युतेर्महाराज बहुभिः पन्नगैर्वृतम् । ऋषिणां च सहस्राणिस्तत्र नित्यं चतुर्दश यत्र देवाः समागम्य वासुकीं पन्नगोत्तमम् । सर्वे पन्नगराजानमभ्यासिचन् यथा विधिः ।।—महाभारत, शल्यपर्व. अध्याय २८.

22 राजवाडे लेखसंग्रह, भाग २, पृ. २३३.

# २ आर्य भाशेचें अवस्थांतर आनी नामांतर

आर्य लोक जेन्नां भारतांतु आयले तेन्नां तांका आपूण एक नवे देशांतु येत आसाची आशें भास जालो ना. किंवा आपूण एक नवो देश आक्रमण करयां म्हण्णु ताणीं सुरवातेपासून निश्चय केलिलें नाशिलें. त्या जनांगाचे स्थळांतर हें मावजातीन आपण्याले सुरवातेचे क्षणांतु निसर्गाचे प्रवृत्तीक लागून केलिलो जागेचो बदल. ह्या बदलांतु तांगेलो सुरवातेपासून निर्धार केलिलें धोरण नाशिलें. जेन्नां ते आयले तेन्नां आपण्यालोचो असलो सुवास घेवनुं बारयावरी तरंगत आयले, उदकावरी व्हांवत आयले. आनी येत येत त्या त्या प्रदेशाचो सुगंध, भोंवतणाचो रंग घेवनुं आयले. आनी जेन्नां ते भारतांतु आयले तेन्नां तांका दिसून आयले कीं हांगा बी आपण्याली तशी, आपण्याले पेक्षां वेगळी प्रतिभावान् संस्कृती नांदत आसा ह्या पुण्य भूमींतु आपण्याप्रमाणें अनेक जनांग आपण्यापयलें आपण्यालें पौरुशत्व कर्तुत्व साकार करचाक आयिलें आसा. तशें पळेल्यार निग्रिटो, आस्ट्रिक किंवा द्राविड ह्या सर्वांनी आपआपण्याले कर्तुत्वानुसार ह्या भूयेंतु सुकाळ हाडिलो.

मनुश्याक जीवनांतलो बदल मानवना. बदल जावचें आसल्यार तो प्रतिकार करता. आपण्याले मूल्यांक शाश्वताय दिवचाक तो धडपडता, संघर्श करता, झगडता. आर्यांक ह्या प्रकार भारतांतु येताना संघर्श करचे पडलें, कित्याक तर त्या वेळार भारतांतु आशिले संस्कृतीक आर्यांलि विचार अमान्य आशिले, भाशा अमान्य आशिली, आचारविचार अमान्य आशिले. जाल्यार ह्या संघर्शांतु मानवाले आचारांचो, विचारांचो विकास जाता. कित्याक तर संघर्शांतु संपर्क येता, सहवास येता, संबंध येता, अजून न विचारलेले प्रश्ने मनुश्यामुखार येताची. सामाजिक मिश्रणान वांशिक मिश्रण जाता आनी काळानुसार आचारविचारांचे मिश्रण जाता, संस्कार बदलता, मूल्यं बदलताची. भारतांत हो संपर्क-संकराचो काळ इ.स.पू. ३०००-२००० वर्सांपयलेचान जावचाक लागलो आनी तो शतकान शतक चलत उरलो.

ह्या संपर्काचो परिणाम म्हळचार भारतांतु जे अनेक वंश आयले—अुदारण आर्य, अनार्य, दस्यु, द्रविड, किरात, म्लेंच्छ, शक, यवन, पारसिक, इस्लामी, ऐरोपी इत्यादि—त्या सर्वांनी आप-आपण्याले संस्कार भारतीय जीवनांवयर, भाशेवयर, संस्कृतीवयर सोडून गेले.

जेन्नां आमीं भाशा परिवर्तनेचो वा भाशा विकासाचो विचार करताची तेन्नां तो विचार ह्या पार्श्वभूमीवयल्यान करचें जरूर आसता. संस्कृत आनी

प्राकृत, प्राकृतावयल्यान आयचे भारतीय भाशांचो जो जल्म जाला तो जल्म काळाचे स्थित्यंतरान कीं भिन्नं भिन्नं वंशाचे, भिन्नं भिन्नं धर्माचे, भिन्नं भिन्नं संस्कृतीचे आनी भिन्नं भिन्नं भाशांचे परस्पर संबंधान, संपर्कान जाला हाजो अभ्यास करचें अगत्य आसा.

आमी पळयल्यां कीं भारतांतु निग्रिटो, आस्ट्रिक आनी द्राविड वंशाचे जन आर्यांनी येवचे पयलें हांगा स्थायिक आशिले. ताणीं हांगाचे जीवनांतु, धर्मांतु, संस्कृतींतु आनी आचार-विचारांतु लाक्षणिक रीतीन हातभार दिलिलो. नारीकेल, तांबूल, हरिद्रा, शृंगवेर असले शब्द आत्मा, शिव, शक्ति, लिंग, नागपूजा, योग असले धार्मिक विचार आर्येतरांले जीवनांतल्यान आर्य विचार धारेंतु सरळ व्हांवत आयल्याची, इतलेंची न्हंय तर समरस आनी एकजीव जाल्याची. ह्या सर्व संपर्कसंकरांचो यथायोग्य विचार केले उपरांत पी. टी. श्रीनिवास अय्यंगारांनी उद्गार काडलें कीं आर्य आनी आर्येतर हे भिन्न वंशाचे आशिले शिवाय भिन्न संप्रदायाचे न्हंय.

हाजे वयल्यान निश्कर्श काडयेत कीं जे अनेक मानववंश भारतांतु आयले त्या मानववंशाचे संस्कृतीचे पारस्परिक संपर्कान आर्योत्तर संस्कृती, जी भारतीय संस्कृती म्हण्णुं ओळखुवचांतु आयली, जल्माक आयली; आर्यांले वैदिक तोंडी भाशेंतु स्थित्यंतर जालीं आनी तांतुतल्यान क्रमशः संस्कृत, प्राकृत-अपभ्रंश आनी आताचे प्रांतिक भाशा जल्माक आयल्यो. हाजें कारण भाशेंतु वेगळे वंशाचे, वेगळे संस्कृतीचे, वेगळे भाशा उलोवचे लोकांले एकमेकांतु जावचे संपर्क म्हण्णुं भाशा तज्ञ म्हणताची. हे भाशाभेद वेदांचे संकलन जावचे पयलेपासून दिसून येताले. होर्न्लेले मतान पुरातन कालापासून संस्कृत ही शिश्ट वर्गाचे ब्राह्मणांली, रुशी-मुनींली भाशा जावनुं आशिली. मागधी आनी शौरसेनी हे जनांली तोंडी भाशा जावनुं वेव्हारांतु आशिले. संस्कृत ही ग्रांथिक भाशा जावनुं आसल्यार मागधी आनी शौरसेनी प्राकृत भाशा तोंडी वेव्हारांतु आशिले. तांगेले मतान महाराष्ट्री ही एक विशिश्ट भाशा जावनुं नासताना ती शौरसेनीचीच एक काव्यमय प्रवृत्ती जावनुं आसा. पैशाची ही ह्या दोन मुखेल भाशांतुली मध्यावस्था आसून ती एक विशिश्ठ जमातीची भाशा जावनुं आसा. तशें पळयल्यार पैशाची हो तुच्छतेन वापरचांतु येवचो शब्द आसा. प्राचीन वैयाकरणीन ती आर्यवर्ताचे बाह्यप्रदेशाचे आर्येतरांनी उलोवची भाशा म्हण्णुं म्हळयां: "पिशाचदेशनियतं पशाचीद्वितयं विदुः। पिशाच देशास्तु वृद्धैरुक्ताः। पांड्यकेकयवाल्हीकसह्यनेपालकुन्तलाः। सुधेषभोजगान्धार-हैवकनोजनास्तथा। एते पैशाचदेशाः स्युस्तद्देश्यस्तद्गुणो भवेत्।"

होर्न्लेले मतान प्राग्-इतिहासकाळापासून मागधी ही बहिर्वर्तुळांतले आर्यांली तोंडी वा वेव्हाराची भाशा जावनुं आशिली. आनी एक समय मागधीचो वापर सर्व उत्तर भारतांतु पसरिलो. जाल्यार उपरांत जेन्नां अंतरवर्तुळांतले आर्यांनी

तांका ब्रह्मावर्तातुल्यान हाकलायलें तेन्नां मागधी भाशेचो वापर पूर्व आनी दक्षिण दिकान पसरलो. त्या पूर्वी आनी दक्षिणी भाशाभेदांचो अभ्यास केले नंतर तो म्हणता कीं पश्चिमेंतु मागधी प्राकृताचे खुणा जरी क्वचित् मेळताची तरी जशें जशें आमीं पूर्वेक सरकताची तशें तशें तांची संख्या वाढत वता. आनी जेन्नां शौरसेनीचो प्रभाव आर्यावर्तातु आशिलो तेन्नां त्या शौरसेनी भाशा भेद मध्यदेश वा अंतरवर्तुळांतले देशांतु दिसून आयले.[1]

ह्या विशयाचेर सुनीतीकुमार चटर्जी आपण्याले विचार व्यक्त करताची. तांगेले मतान जेन्नां आर्य वंश भारतांतु आयले तेन्नां तांगेले तोंडी भाशेंतु तांगतांगेले बांशिक फरक दिसून येताले. साधारणत: ऋ आनी ऌ ह्या स्वरांचे उच्छांरांतु जावचो फरक तोंडी भाशे भाशेंतु फरक हाडता. अभ्यास केले उपरांत दिसून येता कीं पश्चिमेंतुले तोंडी भाशेंतु ऋ स्वराचो उपयोग जाल्यार ऌ स्वर भाशेंतु ना. मध्यदेशांतुले भाशेंतु, जे संस्कृताचे लागीं आसात, तांतुत दोनीं ऋ आनी ऌ स्वरांचो उच्छार जाता. ताजे उलट अति पूर्वेक म्हळयार प्राच्य देशांतुले तोंडी भाशेंतु ऋ स्वराचो संपूर्ण नाश जाता आनी केवल ऌ स्वराचो उच्चार जाता.[2]

सारांश म्हळयार वैदिक काळांतु उत्तर भारत, आर्य वंशाचेच पणून दोन विशिश्ट गटांतुले दोन भाशिक बसणूकींतु विभाजन पाविलो. अति पश्चिमेंतु म्हळयार ज्या प्रदेशाक उदीच्य देश म्हणताची थंय वेद संकलित-संपादित ब्राह्मणांली भाशा म्हळयार छंदसी भाशा वापरचांतु येताली. ही भाशा सर्व भारतांतु संस्कृत भाशा म्हण्णुं मानचांतु आयली. जे लोक छंदसी समजनांची किंवा कोणांली भाशा दुसरीची आशिली तांका "मृध्रवाच:" म्हण्णुं वेदांतु संबोधित करताले. देखीक: "दनो विश् इन्द्र मृध्रवाच: सप्त यत् पुर: शर्मशारदीर्दर्त्त । ऋ. ५.१.१७४. "त्वं चिद् अर्णं मधुपं शयानमसिन्वं बव्रं महि आदद् उग्र: । अपादमत्र महता वधेन नि दुर्योणे आवृण आवृणङ मृध्रवाचम् ।।" ऋ. ५.३२.८. जेन्नां इन्द्रान आमगेले हितांखातीर ते सात शरद्पुरं नश्ट केलीं तेन्नांची ताणें मृध्रवाच वा अशुद्ध उलोवचे ते जनांक वश केलें.

होर्न्ले आनी चटर्जीले मतानुसार आर्य लोकांली ग्रांथिक भाशा संस्कृत भाशा जावनुं आसल्यारीयी तांगेली तोंडी भाशा प्रत्येक पंगडानुसार दुसरी-दुसरी आशिली. ह्या सिद्धांताक निरुक्त आनी पाणिनीले व्याकरणांतु पुरावो मेळता. यास्क निगमांतली भाशा आनी लौकिक भाशेंतलो फरक अनेक संदर्भांतु दिता. देखिक: "तेषामेते चत्वार उपमार्थे भवन्तीति । इव इति भाषायांच अन्वध्यायंच अग्निरिवेन्द्र इवेति ।"—तांतु हे चार उपमाचेखातीर आसताची. "इव" हाजो अर्थ भाशेंतु आनी त्याची प्रमाणें वेदांतु "अग्निप्रमाणें, इन्द्रप्रमाणें" म्हण्णुं जाता. तशेंची "अथापि भाषिकेभ्यो धातुभ्यो नैगमा: कृतो भाष्यन्ते दमूना: क्षेत्रसाधा इति । अथापि नैगमेभ्यो भाषिका उष्णं

घृतमिति। अथापि प्रकृतय एवैकेषु भाष्यन्ते विकृतय एकेषु। शवतिर्गतिकर्मा कम्बोजेष्येव भाष्यते विकारमस्य आर्येषु भाषन्ते शव इति। दातिर्लवनार्थे प्राच्येषु दात्रमुदीच्येषु।"—थोडे धातु—दमूनाः, क्षेत्रसाधा—निगमांतु आसाची जे भाशेंतले धातूपासून निर्माण जाल्याची. त्याची प्रमाणें भाशेंतु उष्णं, घृतं हे शब्द वैदिक भाशेंतल्यान आयल्याची. शवति हो शब्द-वच्चें ह्या अर्थान कंबोजचे जनांनी वापरल्यार ताजें मूळ शव हो शब्द आर्य भाशेंतु वेगळे रीतीन वापरचांतु येता. दाति हो शब्द कापचें ह्या अर्थान प्राच्य लोकांनी वापरल्यार तो शब्द उदीच्य देशांतले लोक दात्रम्—कोयती—म्हण्णुं वापरताची. ह्या प्रकार शब्दाचे वेगवेगळे अर्थ पोळोवनुं महाभाष्यांतु पाणिनी म्हणता, "भूयांसोऽपशब्दाः। अल्पीयांसश्शब्दाः। एकैकस्य हि शब्दस्य बहवोऽपभ्रंशाः।तद् यथा गौरीत्यस्य शब्दस्य गावी गोणी गोता गोपोतलिकेत्येवमादयो बहवोऽपभ्रंशाः।"—अशुद्ध शब्द अनेक आसताची. शुद्ध शब्द थोडेची कारण प्रत्येक शब्दाक अनेक अपभ्रंश आसाची. देखीक: गौ ह्या शब्दाक अनेक अपभ्रंश आसाची—गावी, गोणी, गोता, गोपोतलिका इत्यादि.

हाजे बयल्यान स्पस्ट जाता कीं ही वेदांतली—छंदसी— भाशा संस्कृत म्हण्णुं वावुरल्यार ताचे नैसर्गिक रूपं, जीं प्राकृत म्हण्णुं नामांतर जालीं, जनसामान्यांतु वावुरतालीं. वेगवेगळे वंशाचे, वेगवेगळे संस्कृतायेचे आनी भाशेचे लोकांतु ह्या प्रकार संसर्ग जावचाक लागिल्यान आर्य भाशेंतु जाग्यान जाग्यार फरक दिसचाक लागलो. वैदिक भाशेची ह्या प्रकार सुरवात जालिली भ्रस्टता किंवा परिवर्तनाक बंधन घालचाक आर्यांनी भाशेक व्याकरणाची चौकट बसोवचे ठरयलें. पाणिनीन इ.स.पू. ५वे शतकांतु आपण्याले व्याकरणाची सुरवात केली. आनी भाशेक नियमांची, शिस्टतेची संस्कृतीची मर्यादा प्राप्त जाली.

ह्या तरेन ग्रांथिक भाशेक जरी बंधन आनी नियमांची मर्यादा घातली तरी तोंडी वेव्हारांतले भाशेक परिवर्तनेपासून पर्याय नाशिलो. गौतम बुद्धाले जालिले उदया उपरांत प्राच्य देशांतु जनसामान्याली भाशा जावनुं आशिले पालीक ताणें आपण्याले धर्मप्रचाराची भाशा केली. तागेलीं प्रवचनं प्राकृत वा पाली भाशेंतु जालिल्यान पाली हीच बौद्ध धर्माची भाशा जाली. महावंसो ह्या बौद्धधर्मग्रंथांतु म्हळचां: "पितकत्तयपालिंच तस्मा अट्ठकथंच तं। मुखपाठेन आनेसुं पुब्बे भिक्खु महामति। हानिं दिस्वान सत्तानं तदा भिक्खू समागता। चिरट्ठितत्थं धम्मस्स पोत्थकेसु लिखापयुं।।"—पूर्विकाळाचे जाणते भिक्खूनी त्रिपिटिका आनी तांचे अट्ठकथा तोंडी वेव्हारांतु दवरिली. जाल्यार उपरांत ताका लागून जनांक जावची हानी पोळोवनुं ते भिक्खू एकटे जमले आनी धर्माची शाश्वताय दवरचाक तांचे लेखनांतु परिवर्तन केलें. आनी जेन्नां साम्राट अशोकान धर्मप्रसाराखातीर आपण्यालीं पाशाण बरपां भारतभर पसरायलीं तेन्नां समजू येत कीं पाली भाशेचो प्रसार बौद्ध धर्माक लागून भारताचे सर्व बाजून वेव्हारांतु आशिलो.

आयज भारतांतु जे आर्य भारतीय म्हण्णुं भाशा आसाची तांचो तुलनात्मक अभ्यास जर केल्यार दिसून येत कीं ते सर्व भाशा सर्व साधारण मूळ आर्य भाशेचेची वेगवेगळे अवस्थांतरांतल्यान उत्क्रांत जालिले शाखोपशाखा आसाची. जाल्यार ह्या सर्व शाखा-विभेदांतु मूळ संस्कृताचो गुणधर्म उतरला हें जरी खरें आसा तरी देशकालपरिस्थितीनुसार त्या भाशेंतु दुसरे अनेक गुणधर्म बी उतरल्याची. अर्थात् हे सर्व गुणधर्म एक तरेचे किंवा प्रमाणांचे नांची. तशें पळेल्यार खंचेयी भाशेचें परिवर्तन आनी विकास एक निश्चित वा नियमित आसले गणीत पद्धतीन जाय ना. दोन भाशा एकमेकांक लागींचे अशें दिसल्यारीयी ते दुसरे दुसरे मार्गाचान आयिले आसू शकताची. अुदारण, कोंकणी आनी मराठी भाशा. तरीसुद्धां ह्या सर्व आर्य भाशेंतु एक अनिर्विवाद असले सूत आसा.

तशें पळयल्यार हो विचार आचार्य वररुचीक इ.स.पू. पयले शतमानांतुची आयलो जेन्नां त्या काळाचे प्राकृत भाशांचो अभ्यास ताणीं हातांतु घेतलो. ह्या ग्रंथांतु वररुचीन चार प्राकृत विभेदांचो अभ्यास केलो आनी ताका लागून ताणीं चार भाशा विभेद मुखार दवरले. प्रधान प्राकृत किंवा महाराष्ट्री, शौरसेनी, मागधी आनी पैशाची. ताजे उपरांत जे अनेक वैयाकरणी भारतांतु आयले त्या सर्वांनी हे भाशाविभेदांक मान्यता दिली. मानिलें आसा कीं साधारण वररुचीले काळापर्यंत उत्तर भारतांतु आर्य भाशांचो वेव्हाराचो प्रदेश निश्चित आशिलो. ताका लागून मागधी ही आताचे बिहार प्रदेशाची, शौरसेनी ही मथुरेचे आसपासची आनी पैशाची ही आर्यावर्ताचे भायर वा भितर आर्येतरांनी उलोवची भाशा म्हण्णुं मानचांतु आयलें. महाराष्ट्री ही महाराष्ट्र प्रदेशाची भाशा म्हण्णुं वररुचीले एक वाक्याचो विपरीत अर्थ करून लोकांनी मान्य केलें.

"महाराष्ट्री" हो शब्द वररुचीन आपण्याले ग्रंथांतु अखेरीक अनपेक्षित तरेन वापरिलो आसा, "शेषं महाराष्ट्रीवत्" म्हण्णुं. ह्या महाराष्ट्री विशय अनेक तर्क भाशाशास्त्रींनी काडिले आसाची. ह्या विशय पयलो प्रतिकार होर्न्लेकडचान आयलो. होर्न्लेले मतान भारतांतु संस्कृता शिवाय दोनची प्राकृत भाशा प्राधान्यतेन वावुरताले. आनी ते म्हळ्यार शौरसेनी आनी मागधी. महाराष्ट्री प्राकृत म्हण्णुं जी ओळखुवचांत येता ती एक स्वतंत्र भाशा नासताना शौरसेनीचोची एक काव्यमय प्रकार म्हण्णुं तो मानता. होर्न्ले महाराष्ट्रीचो अंतर्भाव शौरसेनींतु काडता. खरें पळयल्यार महाराष्ट्री ही सर्वंच आर्यवर्तांतु काव्याची भाशा म्हण्णुं म्हत्व पाविली आनी उपयोजनेंतु आशिली भाशा. भारतीय नाट्यशास्त्रांतु मानिलें आसा कीं प्रत्येक पात्राक शोभका तशें त्या त्या पात्रान भाशा उलोवका. "पुरुषाणामनीचानां संस्कृतं संस्कृतात्मनाम्। शौरसेनी प्रयोक्तव्या तादृशीनां च योषिताम्। आसामेव तु गाथासु महाराष्टीं प्रयोजयेत्। अत्रोक्ता मागधी भाषा राजान्तःपुरचारिणाम्। चेटानां राजपुत्राणां श्रेष्ठिणां चार्द्धमागधी........।"

हाजे बयल्यान एक निश्कर्श साहजिक काडयेत कीं हे सर्व प्राकृत विभेद जरी प्रत्येक जाग्याक लागून थोडे जास्त प्रमाणान विशिश्ट आसले तरी काळा-नुसार तेची वेगवेगळे प्रकार म्हण्णुं वांग्मयांतु वापरचांतु येताले. संस्कृत ही शिश्ट वा वरिश्ट वर्गाचे लोकांली भाशा म्हण्णुं मानचांतु आयली. आनी ह्या प्रक्रि-येंतु महाराष्ट्रीन काव्य हे आपण्यालें खास प्रांत केलें. मागधी आनी शौरसेनी लौकिक भाशा म्हण्णुं वावुरले.

होर्न्लेले मतान शौरसेनी आनी मागधी हे मूळांतु आर्य जमातीचे तोंडी भाशा आशिले आनी तेची नंतर ग्रांथिक भाशा म्हण्णुं वापरचांतु आयले. जेन्नां ते ग्रांथिक भाशा जाले तेन्नां ताका अनुसरून मागधी-अपभ्रंश आनी शौरसेनी-अपभ्रंश वास्तव्यांतु आयले. त्या दृश्टीन महाराष्ट्री प्राकृत केन्नांयी महाराष्ट्री-अपभ्रंश ह्या नांवान वावुरली ना. ती काव्याची भाशाची जावनुं उरली. आपण्याले अभिप्रायाक पुरावो म्हण्णुं होर्न्ले त्या काळाचे वैयाकरणीन दिलिली अपभ्रंशाची यादी दीता. अुदारणेक: अभिरी, अवंती, गुर्जरी, बाह्लिका, शौरसेनी, मागधी वा प्राच्य, ओद्रि, गौडी, दाक्षिणात्य वा वैदर्भिक आनी शैपाली. ह्या सर्वांत महाराष्ट्रीचो समावेश ना. होर्न्ले हाजो एकची निश्कर्श काडता. आनी तो म्हळ्यार महाराष्ट्री प्राकृत ही केन्नांयी एक समाजाची तोंडी भाशा म्हण्णुं वावुरली ना. किंवा तें नांव आताचे महाराष्ट्र देशाचे भूप्रदेशावयल्यान आयिलें ना. महाराष्ट्र देशाचे लोकांली भाशा ती नाशिली. किंवा आतांची मराठी भाशा ही महाराष्ट्री प्राकृतपासून जल्माक आयिली ना. होर्न्लेले मतान वररुचीन महाराष्ट्री हो शब्द जो वापरलो तो आताचे महाराष्ट्र देशाची भाशा म्हण्णुं न्हंय तर गंगायमुनेचे दोआब आनी राजपुताना ह्या सर्व महान् वा व्होड प्रदेशाची, राष्ट्राची भाशा आशीं गौरवपूर्ण उल्लेख करचे उद्देशान.[3]

होर्न्लेले ह्या मताक बीम्सान आपणाली सम्मति दिलिली.[4] तागेले मतान महाराष्ट्री आनी मराठी हांतु नांव एक सोडल्यार आनी कांयीच साम्य ना. वररुचीन हो शब्द वापरिले पासून भाशा परिवर्तनेंतु जो गोंधळ माजला ताका लागून मराठी ही महाराष्ट्रीची नंतरची अवस्था म्हणवें धाडस सहसा करचें योग्य न्हंय.

होर्न्लेन प्राकृत भाशांचे दोन गट केलिले आसाची. मागधी गट आनी महाराष्ट्री-शौरसेनी गट. मागधी गट हो बहिर्वर्तुळांतलो गट आसून तागेले मतान तिगेलेपासून जल्माक आयिले आयजचे भाशा म्हळ्यार पूर्व हिंदी मराठी, ओरिया, बिहारी, बंगाली आनी आसामी. महाराष्ट्री-शौरसेनी गटांतुले भाशाविचार सामान्यत: एकदिश्टीन केलिलें आसा. कित्याक तर प्रत्यक्ष वेव्हरांतु महाराष्ट्री आनी शौरसेनीहे दोन्हीं विभेद काव्य आनी गद्याचे भाशा म्हण्णुं वापरचांतु आयिले आसाची. ह्या गटांतु मुख्यत: पश्चिम हिंदी भाशा आसून ताका लागून आशिले सिंधी, गुजराती,

पंजाबी, राजस्थानी भाशा आसाची. मानिलें आसाकीं गुजराती आनी राजस्थानी भाशेवयर शौरसेनीचो प्रभाव जो जास्त प्रमाणान आसा तो मूळतः शौरसेनी भाशिकांनी सौराष्ट्रांतुले द्वारकेंतु वास्तव्य केलिले कारणान.

ह्या सर्व भाशा बिभेदांतु कोंकणी भाशेचें स्थान खंय आसा वा कोंकणी भाशा ही खंचे प्राकृत गटांपासून उत्क्रांत जाली म्हणयेत? तशें पळेल्यार भाशा-शास्त्रांतु आनी समाजशास्त्रांतु एक लागीचो असलो संबंध आसता, हें निर्विवाद आसा. समाज संस्थेचेंची एक मुखेल अंग म्हळयार भाशासंस्था. इतिहासाचो अभ्यास केल्यार, समाजाचो अभ्यास केलिले भाशेन आसा. कोंकणी भाशिकांले मूळ शोधिल्यान कोंकणी भाशेचें मूळ मेळता, हें ताका लागून साहजिक आसा.

आमीं जाणताची कीं कोंकणांतुली आर्य वसणूक ही भृगुवंशाचे परशुरामान हाडिले त्रिहोत्रनिवासी ब्राह्मणांपासून जाली. आमीं जाणताची कीं त्रिहोत्रनिवासी हे वास्तविक सरस्वती न्हंयेचे आसपास आशिले ब्रह्मावर्तांतुले ब्राह्मण आशिले. आमीं हें बी जाणताची कीं सरस्वती न्हंयेचे तीरारि अंतरवर्तुळांतले आर्य आसून तांगेलो निकट संबंध भृगुवंशाचे लोकांबरोबर आशिलो. तांगेली तोंडी भाशा शौरसेनी आशिली. आनी जर कोंकणीचे मूळ भाशा शास्त्रज्ञ शौरसेनी-महाराष्ट्रींतु शोधून काडताची तर तें ह्या तरेचें भाशा बांधवाले सहवासाकारणान. म्हण्णूंची जेन्नां शब्दसाम्य आशिले मराठी बरोबर कोंकणी भाशेचो संबंध बांदताची तेन्नां शौरसेनीचान प्रभावित जालिले गुजराती भाशे बरोबरबी साम्य तशांक दिसून येता.

वररुचीन जेन्नां प्राकृत भाशेचो अभ्यास केलो तेन्नां ताणें प्रत्येक प्राकृत बिभेदांचे मूळ दाखयलें. अुदारणः "पैशाची। प्रकृतिः शौरसेनी"; "मागधी। प्रकृतिः शौरसेनी"; "शौरसेनी। प्रकृतिः संस्कृतम्". प्राकृत भाशेचे वा प्रधान प्राकृत भाशेचे जाका वररुची महाराष्ट्री म्हण्णुं संबोधिता, मूळ वररुची दाखयना. जाल्यार तें मूळ संस्कृतांतु आसा म्हणूयेत. कित्याक तर हेमचंद्रसूरीन म्हळयां, "प्रकृतिः संस्कृतम्। तत्रभवं तत आगतं वा प्राकृतम्" त्या तरेन शौरसेनी आनी महा-राष्ट्रीचे मूळ संस्कृतांतु आनी मागधीचे मूळ शौरसेनींतु मेळता. ह्राका लागून शौरसेनी-महाराष्ट्रीचो आपआपसांतलो संबंध मागधीपेक्षां जास्त निकट आसा.

ह्राजे वयल्यान एक अनुमान काडयेत कीं शौरसेनी-महाराष्ट्रीचो प्रदेश उदीच्य देशाचे लागी आशिल्यान आनी वेद आनी आर्य धर्मसंस्थेचे संकलन सरस्वती नदीचे आसपास जालिल्यान तांचेर मूळ आर्यांले संस्कृतीचो आनी भाशेचो प्रभाव जास्त स्पश्ट जातालो. ताजे उलट मागधी भाशा अलयतल्यांलो प्रदेश मूळ आर्य वसाहतींपासून दूर आशिल्यान त्या भाशिकांवयर संस्कृत भाशेचो प्रभाव कमीं आनी आर्येतर भाशांचो प्रभाव त्या मानान जास्त जालो. ताका लागून मागधी आनी त्या भाशेंतल्यान उत्क्रांत जालिले पूर्व हिंदी, बिहारी, बंगाली,

मराठी आनी ओरिया भाशेंतु संस्कृतजन्य शब्दांपेक्षां इतर शब्द जास्त मिसळले. ह्याजो एक मुखेल परिणाम म्हळयार ह्या भाशेंतु स्वाभाविक परिवर्तन जालिले संस्कृत तद्भव शब्दांचो अभाव. जेन्नां हे भाशा ब्राह्मणधर्म पुनरुद्धारानंतर संस्कृत भाशेचे लागीं परत आयले तेन्नां संस्कृतपासून स्वाभाविक असले तद्भव शब्द तांगेले भाशेंतु नाशिल्यान तांका संस्कृत तत्सम शब्दांचो वापर अनिवार्य करचो पडलो.

ह्याजे उलट शौरसेनी-महाराष्ट्री गटांतुले भाशेंचो अभ्यास केल्यार चित्र वेगळें दिसता. शौरसेनी-महाराष्ट्री भाशेंतु आनी तांचे पासून उत्क्रांत जालिले पश्चिम हिंदी, राजस्थानी, सिंधी, गुजराती, कोंकणी भाशेंतु तद्भव उतरांचो अपार भाण्डार आसा. ताजे कारण कोंकणी भाशा मराठी पेक्षां वेगळी आसून शौरसेनी-महाराष्ट्री भाशांचे लागीं आसा. कोंकणी भाशेचें परिवर्तन हें भाशा-विकासाचे नैसर्गिक नियमांक लागून जालिले आसा. खंचेयी भाशेचें स्वरूप तिगे-ल्यांतुले शब्दसंग्रहांवयल्यान कळता. कोंकणीचे शब्दसंग्रहाची मीमांसा केल्यार दिसून येता कीं त्या भाशेंतु तत्सम शब्दांपेक्षां तद्भव शब्द जास्त प्रमाणान जनवेव्हारांतु घोळतात.

सर्वसाधारण मानिलें आसा कीं एक भाशेचें स्कंध जरी एक विशिश्ट मूळ भाशेपासून जल्माक येता तरी ताजे वयर प्रभाव अनेक तोंडी भाशेंचो आसू शकता, हें इतलेंची खरें. तशें पळयल्यार होर्न्लेले द्विरागमन सिद्धांत किंवा तोंडी भाशेंचे मागधी-शौरसेनी ह्या गटांतुले विभाजन सुनीतीकुमार चटर्जी पूर्णपणान मान्य कर-नांची. तांगेले मतान खरे भाशेन जेन्नां आर्य भारतांतु आयले तेन्नां केवल दोन न्हंय तर अनेक गटांतु ते आयले. प्रत्येक पंगडाची तोंडी भाशा ही वेगळी अशीं आशिली. जाल्यार थोडे काळ उपरांत जेन्नां ऋग्वेदांचे ग्रांथिक रूपांतु संकलन जालें तेन्नां ह्या सर्व तोंडी भाशेंतुली एक भाशा प्रमाण ग्रांथिक भाशा म्हण्णुं मानचांतु आयली. आनी ती आमकां ऋग्वेदांतुली संस्कृत भाशा ह्या रूपान दिसता. अशें मानन्हंय कीं ऋग्वैदिक भाशेंतु एक वैशिश्ट आशिलें. खरे पळयल्यार तांतु सर्व तोंडी भाशेंतुले खुणो दिसताची. आनी जरी पंजाबचे प्रदेशांतुले म्हळयार उदीच्य देशांतुले आर्यांली भाशांची वेदांची ग्रांथिक भाशा म्हण्णुं मानचांत आयली तरी त्या भाशेवयर त्या काळाचे अनेक तोंडी भाशांचे अवशेश दिसताले. इतलें कीं त्या सर्व भाशेंतु फरकापेक्षां साम्यची जास्त दिसतालें. त्या नियमानुसार कोंकणी भाशेचे मूळ दिसून येवचे शौरसेनींतु मागधी भाशा भेदांचे अवशेश बी दिसून येताची. आनी त्या खातीर जेन्नां आर्य भाशेंचे विभाजन भाशा तज्ञ करताची तेन्नां हें मूळ तत्त्व विसरनांची.

शौरसेनी-महाराष्ट्री प्राकृतापासून जेन्नां कोंकणी भाशेचे मूळ सांगताची तेन्नां त्या भाशाविकासांतु मागधी, पाली आनी दुसरे भाशा विभेदांचो प्रभाव लक्षांतु

घेवचें जरूर आसता. तशें पळयल्यार कोंकणी भाशेंतु कितले तरी शब्द असले आसाची जे संस्कृत किंवा द्राविड भाशागटांतुले नासताना, तांचे मूळ मुंडारी किंवा प्रोटो-ऑस्ट्र लॉईड आनी सुमेरियन भाशेंतुल्यान आयल्याची. अुदारण: परब, बाटारो, धालो, मुसुड, दोळो, इत्यादि.

तशें पळयल्यार भाशा मुख्यत: उलोवचांतु येता. जी उलोवचांतु येता तिकाची भाशा हें नांव. ताका लागून जर भाशेचें मूळ शोधचें आसा तर तें मनुश्याले तोंडी भाशेंतु शोधका, हें साहजिक. तोंडी भाशेंतु सतत जीवंतपण आसता, ग्रांथिक भाशेंतु न्हंय. खरें पळयल्यार तोंड हें एक यंत्राभाशेन आसा. ह्या यंत्रांतुल्यान व्यक्त जावची ध्वनीरूप भाशा जेन्नां अक्षरांतु प्रतिरूप पावता तेन्नां भाशेचे जीवंतपणाक मर्यादित रूप प्राप्त जाता. गतिरूप आसचे भाशेक स्थितीरूप अवस्था मेळता. कोंकणी भाशेक लिखित साहित्य विस्तारान नाशिल्यान ग्रांथिक भाशेची स्थिरता तिका प्राप्त जाली ना, कृत्रिम संकुचित भाशा संपदा प्राप्त जाली ना. स्थान, जाती आनी काळ हांका लागून फरक तांतु दिसून आयले. समाजाचे, समाजशास्त्राचे गुणधर्म कोंकणींतु रुतून बसल्याची. ह्या नैसर्गिक बदलांचे व्यतिरिक्त अजून मूळ स्कंधाचे चिन्हं कोंकणींतु आसाची हें त्या भाशेचे वैशिश्ठ म्हण्णुं मानका.

इतिहास, समाजशास्त्र आनी भाशाशास्त्र ह्या त्रिवेणी संगमाचे रूपसंपदेंतु कोंकणीचे भवितव्य आसा. ताजें आत्मसात करचें वा ना करचें हें कोंकणी लोकांले हातांतु आसा, इतरांले न्हंय.

---

**टीप:**

1 "This circumstance, then, points to a still more remote period in the glottic history of India, when there were only two great varieties of speech current in North India which divided that country diagonally between them; the one occupying the north-western, the other the south-eastern half. These two greater glottic divisions I shall designate, for reasons to be explained presently, the Saurseni Prakrit tongue and the Magadhi Prakrit tongue respectively.....There are in reality only two varieties of Prakrit. One includes the Saurseni and the (so-called) Maharashtri. These are said to be the prose and poetic phases of same variety and even this distribution is, probably artificial. The other is the Magadhi."—A. F. R. Hoernle—*A Grammar of the Eastern Hindi*, प्रस्तावना, 17-18.

2 S. K. Chatterjee—*The Origin and Development of the Bengali Language*.

3 "It will be noticed that (in the above list) the same Saurseni and Magadhi Prakrits are enumerated by the Prakrit grammarians as Apabhramsas or vernaculars, which they elsewhere treat of as literary or High-Prakrits. On the otherhand, it will be noted that the (so-called) Maharashtri Prakrit does not occur in this list at all; nor indeed, is it found in any list of Apabhramsas or vernaculars. This shows plainly that the Maharashtri Prakrit was not looked upon as the vernacular of any people, and that it did not take its name from the Maharashtra (or Maratha) country. Indeed, it is doubtful, by what right that the name is given to the particular form of Prakrit, which commonly bears it. In the oldest Prakrit grammar of Vararuchi it is never so called, except once incidentally at the end of the chapter on Saurseni . . . The probability is that they (later Prakrit grammarians) misunderstood his meaning. For he seems to use the term not as a *proper name*, but as a laudatory or descriptive expression, meaning "the Prakrit of the great kingdom" (i.e. of the famed country of the Doab and Rajputana) and therefore the *Principal* Prakrit"—A. F. R. Hoernle—*A Grammar of Eastern Hindi*, प्रस्तावना.

4 "It is rather hasty to assume that modern Marathi is the lineal descendant of the Maharashtri Prakrit. There is quite as much of the Magadhi and Saurseni type in Modern Marathi as there is of Maharashtri; and in the long period which intervenes between Vararuci and the rise of modern languages, so much confusion has taken place and such a jumbling together and general displacement of dialects that it is absurd....to attempt to affiliate any modern Indian language as a whole to any Prakrit. Maharashtri and Marathi have little in common except the name."—J. Beames—*Comparative Grammar of Modern Indo-Aryan Languages*, I, p. 34.

is, probably artificial. The other is the Magadhi."—A. F. R. Hoernle—*A Grammar of the Eastern Hindi*, प्रस्तावना, 17-18.

# ३ कोंकणी भाशेचें स्वरूप दर्शन

सामान्यत: आर्य भाशेचे इतिहासाचे समालोचनेंतु आताचें भाशेचें उगम मूळ संस्कृत आनी ताजे उपरांत प्राकृत भाशेंतल्यान जाल्या म्हण्णु मानचें आसता. जाल्यार ही प्रक्रिया खंचे पद्धतीन जाली? भाशेचे नामांतर जावचें पयलें जें अवस्थांतर जाता ताजें स्वरूप कशीं आसता? भाशा साधारण खंचे नियमांक अनुसरून बदलता? हांचो आतां विचार करयां.

संस्कृतांतल्यान प्राकृत भाशा जल्माक आयल्या, ह्या निश्कर्शा विशय अनेक शास्त्रज्ञांनी प्रतिकूल विचार प्रगट केलिले आसाची. संस्कृत आनी प्राकृत भाशेंचो सूक्ष्म अभ्यास केल्यार दिसून येत कीं जो मूळ भेद दिसता तो उच्छाराचो आसा. उदारण: संस्कृतांतु जंय "श" आसा थंय प्राकृतांतु "स" आसता. जंय "स" आसा थंय "ह" आनी जंय "य" आसता थंय "ज" आसता. ताका लागून ते मानताची कीं ह्या दोन भाशेंचें मूळ एकची आसून वेगळेपण दिसचें केवल स्थळ, काळ आनी उच्छाराक लागून.

तशें पळयल्यार प्राकृत आनी संस्कृताचे अनेक शब्दांचे मूळ धातु एकची आसाची. प्राकृत ही जनसामान्यांली भाशा आशिल्यान तिका सरळ संवेदनाची संजीवनी प्राप्त जात आसता. आनी ताका लागून देश काळाक लागून ती जंय जंय पसरली थंय थंय ती आपण्यालें वैशिश्ठ घेवनु वावुरली. जेन्नां रुशी मुनींनी ही भाशा यज्ञाखातिर आनी ताजे उपरांत वेदांचे संकलन करचें उद्देशान वापरली तेन्नां त्या भाशेक ग्रांथिक रूप दिवचें जरूर पडलें. तिका नियम आनी संस्कारांचे बंधन घालचें पडलें. सर्व बाजून अनिर्बंध वावुरचे प्राकृत भाशेक–जी मूळ प्राकृतिक रूप दाखयताली–संस्कार दीवनु तिगेलें संस्कृतीकरण केलें. वास्तविक "संस्कृत" हे नांवची प्राकृत भाशेक संस्कार दिलिले संबोधन करता. तशें पळयल्यार सामान्य लोकांले भाशेंतु आनी उच्च लोकांले उलोवचे आनी बरोवचे भाशेंतु जो फरक दिसता तोची फरक प्राकृत आनी संस्कृत भाशेंतु दिसता. वास्तविक मानिलें आसा कीं शिश्ट भाशेंचें उगम स्थान केन्नांयी लोकांले सामान्य तोंडी भाशेंतु आसता. ताका लागून आमीं निश्कर्श काडयेत कीं आर्यांनी भारतांतु आयिले अनेक शतमानांपर्यंत अनेक प्राकृत भाशा वावुरताले आनी संस्कृत हें ताजें पूर्णत्वाचे रूप आशिलें.

अनेक प्राकृत भाशेंतल्यान एक प्रमाण भाशा जी नियमांक अनुकूल आसत, आसचाक जाय हें आर्यांक अति पूर्विकाळापासून दिसतालें. बौद्ध मताचे भिख्खुले मतान प्राकृत भाशा ही अति प्राचीन आसून ती भाशा देव, ब्राह्मण पूर्विकाळांतु उलयताले. ती आनी

असले प्राकृत भाशा देशकालाक लागून अनेक जालिल्यान एक स्पश्ट, सुवाच्य भाशेची गरज आर्यांक वेदकाळांतुची लागली हे विशय वेदांतु हे तरेन उल्लेख आसा. वाक् हे तरेन अस्पश्ट आनी असंबद्ध जालिल्यान देव इंद्राक प्रार्थना करताची कीं ताणें वाक् ही शुद्ध आनी सरळ करचाक जाय. ती प्रार्थना आयकून इंद्र वाणी शुद्ध करता. त्याची प्रमाणें रूशी मुनींवी वाणी यज्ञा खातिर भाशा शुद्ध करताची. "यज्ञेन वाचः पदवीयमायन् तावन्वविन्दनृषिषु प्रविष्टाम्। तामभृत्या व्यदधुः पुरुत्रा तां सप्त रेभा अभि सं नवन्ते ।।" ऋ. १७-७१-३.—यज्ञान वाणी प्रतिष्ठा दिली. रूशींतु प्रविस्ट जालिले तिका सात ऋचाकारांनी नवीन रूप दिलें.

ऋग्वेद हेची सर्वांचे पयले आमकां वारस मेळिले ग्रांथिक साहित्य आशिल्यान आनी प्राकृत भाशा साहित्याची भाशा म्हण्णुं अनेक शतमानांउपरांत बौद्धकाळांतु वापरचांतु आयिल्यान संस्कृत भाशेक एक स्थैर्य आनी शिश्टमान्यता मेळळी आनी प्राकृत भाशेक गौणत्व आयलें. संस्कृताक वेदभाषा, देव भाशा, गीर्वाण भाशा म्हण्णु नांवलौकिक मेळळें आनी काळसमयाउपरांत संस्कृतची मूळ भाशा म्हण्णुं मानचांतु आयली. प्राकृत भाशेक साहित्याची किंवा ग्रांथिक भाशा म्हण्णुं बौद्धकाळांतुची मान्यता मेळिल्यान काळसमयाक लागून ती संस्कृतानंतरची भाशा म्हण्णुं मानचांतु आयली. संस्कृत ही वेदाची, देवाची भाशा आनी प्राकृत ही लौकिक भाशा म्हण्णुं वैय्याकरणींनी प्रतिपादिली. म्हण्णुं पूर्व परंपरेक अनुसरून कोंकणी भाशेचो अभ्यास आमीं प्राकृत भाशेपासून न्हंय तर संस्कृत हें मूळ म्हणचे मतान सुरवात करयां.

संस्कृत ही प्रत्ययी भाशा जावनुं आसा. ह्या भाशेंतु नामविभक्ति आनी आख्यात विभक्तिची विपुलता आसा.संस्कृत भाशेचे वाक्यांतु शब्दांचे स्थान म्हत्वाचें ना. वाक्यांतु शब्द खंयीयी दवरल्यारीयी त्या शब्दाचे प्रत्ययी रूपाक लागून त्या शब्दाचो अर्थ स्पश्ट जाता. ताजे अुलट अप्रत्ययी भाशेंतु वाक्यांचे रचनेक म्हत्व आसता. ताका लागून संस्कृत भाशेक एक स्थैर्य प्राप्त जालिलें आसा.

संस्कृतांतु जी स्थैर्यता जल्मतः आसा ती दोन कारणान सढळ जाली. साधारणतः भाशा उलयतल्यांली स्वाभाविक प्रवृत्ती म्हळयार भाशा सुलभ वा अस्पश्टरीतीन उलोवचांतु येता. दूसरें कारण म्हळयार आर्येतर आनी तांगेले भाशेबरोबर आयिलो आर्यांलो संबंध. सामान्य जनांतु शब्दोच्छार करताना येवचो आळस वा थोडे जास्त तरेची विशिश्ट शारीरिक असमर्थता आशिली. तशींची भाशेंतुले मूळ शब्द किंवा धातु आनी तांका लागचे प्रत्ययी संबंधीचें अज्ञान. आर्यांलो संबंध जशें आर्येतरांबरोबर रोजचो आनी लागीचो अशि जालो तशें जे अनेक परिणाम समाजावयर जाले तांतु भाशापरिवर्तन हें एक म्हत्वाचे परिवर्तन म्हणयेत. आर्यांली संस्कृत भाशा सावकाश पदभ्रश्ट जावची प्रक्रिया सुरवात जाली.

अुदारणः धर्म ह्या शब्दाचो धम्म म्हण्णुं आनी भक्त ह्या शब्दाचो भत्त म्हण्णुं जावचो उच्चार. धर्म आनी भक्त ह्या शब्दांतु मूळ शब्द "धर्" आनी "भक्" आसून

म आनी त हे ताका लागचे प्रत्यय आसाची. ह्याजे जाण लोकांक कदाचित् नाशिल्यान मूळ शब्दांतुले "र्" आनी "क्" हांचे उच्छार अस्पश्ट जाले आनी काळसमयाउपरांत ते नाश जाले. आनी परिणामत: म आनी त हे प्रत्यय आघातयुक्त म्हळ्यार द्वित्व जाले.

अुदारण: धर्म = धम्म — धर् + म = ध + र्म — ध-र्म = धम्म.
भक्त = भत्त — भक् + त = भ + क्त — भ-क्त = भत्त.

वेगवेगळे संस्कृती आनी वेगवेगळे मानववंशाचे मिश्रणाचो हो वयरवयरचो परिणाम. जाल्यार हीं कारणं जेन्नां भाशेंतु मिसळताची तेन्नां भाशेची प्रकृती बिघडोवचाक जास्त समय लागचो ना. त्या कारणान जशें जशें आर्य आपण्याले बसणूक्यो पूर्व दिशेन पसरावचाक लागले तशें नवे नवे आर्येतर पंगडांचे प्रभाव संस्कृत भाशेवयर पडचाक लागले. भाशिक दिश्टीन हो फरक उदीच्य, मध्य आनी प्राच्य देशांतुले भाशेंतु दिसून आयलो.

अुदारण: कृत (उदीच्य) कित, कत (मध्यदेशीय) कट (प्राच्य)
अथ (उदीच्य) अत्थ (मध्यदेशीय) अट्ठ (प्राच्य)

हो फरक विशेषत: ऋ आनी ऌ हांचे उच्छारांतु आनी तोसुद्धा आर्येतरांले भाशासंसर्गान जालो हांतु संशय ना.

संस्कृत भाशेंतुली वर्णमाला समृद्ध आसा. जाल्यार प्राकृत भाशेन तांतुतले ऋ, ॠ, ऌ, ॡ, ऐ, औ, ङ, ञ, श, ष, विसर्ग, प्लुत आनी व्यंजनांत शब्दांक काडले. विसर्ग आनी व्यंजनांत शब्द गेलिले कारणान विभक्तिरूपांची संख्या कमी जाली. संयुक्त व्यंजनाचे उच्छारांतुले एक व्यंजन गळनु दुसऱ्याचें द्वित्व जावची प्रवृत्ती धृढ जाली. र्, ऋ हांचेनंतर येवचे दन्त्य व्यंजनं सर्वसाधारण मूर्धन्य जावचाक लागलीं. हो वयर वयर जालिलो उच्छाराचो बदल. जाल्यार ताजेपेक्षां जास्त सखोल म्हळ्यार विभक्तिप्रत्यय आनी आख्यात प्रत्यय हांचे वयर बी प्राकृतान घातिलो आपण्यालो प्रभाव.

विभक्तिची संख्या संबोधन धरनु संस्कृतांतु आठ आसाची. आनी वचनं तीन आसाची. प्राकृत भाशेंतु प्रथम द्विवचन गळलें आनी एकवचन आनी बहुवचन अशीं दोन वचनं अुरलीं. विभक्तिचे संख्येंतु उणें केलें. चतुर्थी कमीं करनु ताजें कार्य षष्ठी विभक्तिन केलें. सारांश म्हळ्यार रूपांची विविधता कमीं जाली. आनी प्राकृत भाशेक एकरूपतेकडेन फिरचें पडलें.

आख्यात-विभक्तिचे बाबतींतुबी ह्याची तरेची सुलभीकरणपद्धत दिश्टीक आयली. संस्कृतांतु एक वर्तमान, तीन भूतकाळ आनी दोन भविश्य अशें सहा काल आशिले. एक आज्ञार्थ, एक विध्यर्थ आनी दोन संकेतार्थ अशें चार अर्थ आशिले. ताका

लागून क्रियापदरूपं एकंदर धा प्रकारान तयार जातालीं. ह्या धा प्रकारांतु परत तीन वचनं आनी तीन पुरुश हांची भर पडताली. हाजे शिवाय आत्मनेपद, परस्मैपद आनी धा गण हांचे वेगवेगळे विकार मूळ धातूवयर जातालीं. संस्कृतांतु आख्यातरूपांची विविधता जी दिसता ती ह्याची कारणान.

प्राकृत भाशेंतु हे सर्व बदललें. भूतकाळाचे तीन प्रकार आनी भविश्यकाळाचे दोन प्रकार वचून तांचे जाग्यारी प्रत्येक एकएक प्रकार उरलो. भूतकाळांतु आख्यातरूप वापरचे बदलाक कर्मणि भूतकाळवाचक धातुसाधितांचो वापर करची प्रवृत्ती वाढली. संकेतार्थाचे जे दोन प्रकार आशिले, तांतुतलो एकची उरलो. म्हळयार संस्कृतांतुले एकूण धा लकारांपैकी फक्त तीन काळ आनी तीन अर्थ अशें सहा लकार उरले. आख्यात-रूपसिद्धीचे बाबतींतु संस्कृतांतु धातूंचे धा गण, परस्मैपद, आत्मनेपद इत्यादींचो जो विचार करचो पडतालो तो प्राकृत भाशेंतु बर्ज्य जालो. इतलेंची न्हंय तर वर्तमान-काळरूपान संचोयी काळ आनी विध्यर्थी रूपान संचोयी अर्थ व्यक्त जावचाक लागलो. सारांश म्हळयार, जी आख्यातरूपांची समृद्धी संस्कृत भाशेक भूषण जशी आशिली तीच मूळासकट बदलली. ध्वनी परिवर्तनेन जर तिगेलें भायरचे उच्चार रूप बदलल्यार विभक्ति आनी आख्यातांतु जालिले फरकान भाशेंतु भितर-भायरचो आनी मूलभूत असलो बदल जालो. हो बदल संस्कृतापासून जालिलो तरी तो इतलो मूळभूत आनी प्राकृतिक आशिलो कि त्या फरकान दिसचें तिगेलें रूपाक संस्कृत ह्या नांवान आपोवचें साध्य जालें ना. म्हण्णुं भाशेंचें अवस्तांतराबरोबर नामांतरवी जालें, आनी "प्राकृत" हें नांव त्या भाशेक पडलें.

दिलिले दोन भाशेंतुलो पारस्परिक संबंध समजचो आसल्यार त्या दोन भाशेंतुले नामपदाचे विभक्तिरूपं आनी क्रियापदाची कालार्थक रूपं मुख्य प्रमाणं आसाची, शिवाय त्या त्या भाशेंतुले शब्दभांडार न्हंय. कित्याक तर एकची वर्गाचे वेगवेगळे भाशेचे शब्द भांडारांतुले अधिकांश शब्द एकची मूळ शब्दाचे रूपांतर जावनुं आशिल्यान ते एकची किंवा समान आसताची. जाल्यारी त्या शब्दांची विभक्तिरूपं आनी आख्यातरूपं मात्र वेगळी आसताची. ग्रियर्सन बिहारी आनी पश्चिम हिंदी भाशेंचे विश्लेषण करताना म्हणता कि दोन भाशेंतुले उतारे सारखीं आसल्यार ते भाशा एक म्हणचे योग्य न्हंय. तांची व्याकरणाची बांदावळ एक आसल्यारीयी ते एक आसाची, ना जाल्यार वेगळे म्हणचाक जाय. भाशेचे वेगळेपणाचें लक्षण, ते उलयतल्यांक एकमेकांक ना समजचें वयर आधारनुं ना. तर, शास्त्रीक नदरेन तांचे वेगळेपण ठरोवचाक दुसरीवी बळिश्ट कारणां ध्यानांतु घेवचाक जायत. आनी तांतु व्याकरणाची बांदावळ हें पयलें आनी मुखेल कारणं जावनुं आसा.[1] तशें पळेल्यार ह्या प्रकार विभक्ति रूपांतु आनी आख्यात रूपांतु बदल जालिल्यानची मूळ भाशेक फांदी पडनुं नवो भेद वा नवी भाशा जल्माक येता.

मानिलें आसा कीं संस्कृत भाशेचें नामांतर करचें पयलें जावचें स्थित्यंतर

साधारण इ. स. पू. ६०० चे सुमाराक जालें. गौतम बुद्धान (इ. स. पू. ५५७-४४७) प्राकृत भाशेक आपण्याले धर्मप्रसाराची भाशा केलिल्यान तिका "भाशेची" प्रतिश्ठा मेळ्ळी. आनी कालान्तरान प्राकृत भाशेक स्थैर्य प्राप्त जालें. बुद्धदेवाले काळानंतर आचार्य पाणिनीलो काळ (साधारण इ. स. पू. ५ वे शतक) आयलो. जेन्नां बौध-मताचे प्रवचनांक लागून संस्कृत भाशेचे जाग्यार प्राकृत भाशा जनसामान्यांतु वावुरचाक लागिल्यान आनी ताका लागून संस्कृत भाशा अशुद्ध जावचाक लागिल्यान पाणिनीक संस्कृताचे व्याकरण रचोवचें पडलें.

आयज जरी आमकां बुद्धदेवाली प्रवचनाची भाशा मेळ ना तरी साम्राट अशोकाले राज्यांतु खंचे तरेची भाशा प्रचारांतु आशिली म्हण्णुं तांगेले पाशाण-बरपांवयल्यान दिसून येता. त्या काळाची जन-भाशेचें जाण जावचाक आमीं ह्या पाशाणबरपांचे दोन उतारे दींवया. पयलें बरप पश्चिमेंतु गुजरातप्रदेशाचे गिरिनार दोंगरार आसा. दुसरें बरप पूर्वेक मेरठ गांवांतुले आसून आतां तें दिल्हींतु आसा. ह्या दोन बरपांतुले भाशाभेद काळजीपूर्वक लक्षांतु घेवचे तसले आसाची.

१. "इयं धम्मलिपि देवानं पियेन पियदसिना रायां लेक्षापिता; इधन किंची जीवं आरभित्वा प्रजूहितव्यं. न च समाजो कतव्यो. बहुकं दोसं समाजम्ही पसति देवानं पियो पियदसि राजा. अस्तिपितु एकचा साधुमता देवानं पियस पियदसिनो रांयो; पुरा महानसम्ही देवानं पियस पिसदसिनो रांयो अनुदिवसं बहूनी प्राणसतसहस्रानी आरभिसु सूपाथाय. से अज यदा अयं धम्मलिपि लिखिता ती एव प्राणा आरभिरे सूपाथाय; द्वो मोरा; एको मगो; सोपि मगो न धुवो; एते पि पाणा पच्छा न आरभिरे."

२. "देवानं पिये पियदसी लाजा हेवं अहाधम्मे साधू कियं चु धम्मे ति? अपासिनवे, बहुकसाने, द्रयादाने, सचे, सोचये; चखुदाने पि बहुविधे दिने दुपद-चतुपदेसु; पखिवालीचलेषु; विविधे मे अनुगेहे कटे; अपानदखिनाये अंनानी पि च मे बहूनी कयानानी कटानी; एताये मे अठाये इयं धम्मलिसि लिखापिता; हेवं अनुपटि पजंतु चिलथितिका च होतु ति. ये च हेवं संपटि पजीसति से सुकटं कछतिति."

आमी एक विशय लक्षांतु धरका. आनी तो म्हळ्यार ह्या पाशाणबरपांचो अभ्यास आमी करचें कारण म्हळ्यार कोंकणी भाशा खंचे तरेन विकास पावली. आमी सांगिलें आसा कीं ह्या दोन बरपांतु पयलें बरप पश्चिमेंतुले गुजरात देशांतु मेळिलें आनी दुसरें बरप पूर्वदिकान मेरठींतु मेळिलें. त्या दिश्टीन पळयले तेन्नां ह्या दोन बरपांतुले भाशा विभेद स्पश्ट दिसून येताले. पयले बरपांतु संस्कृतांतु अकारांत आशिले धर्म, प्रिय वगैरे शब्द धम्मो, पियो जाताची. आनी तेची शब्द दुसरे बरपांतु धम्मे, पिये वगैरे जाताची. त्याची प्रमाणें राजा, वा रायां हे पयले

बरपांतुले शब्दांतुले र-कार ल-कार जाताची आनी ते लाजा, वालिचल जाताची. मुखारसरनं भूतकालिक कृदंतांतुले "त"कार "ट"कार जाताची. अुदारण: 'अनुगह्रो कतो' आशिलें 'अनुगह्रे कटे' जाता आनी 'सुकतं' आशिलें 'सुकटं' जाता.

त्याची प्रकार पयले बरपांतु संस्कृतांतुले अ-कारांत पुल्लिंग नामपदं आनी ताका लागून आशिले विशेषणं ओ-कारान्तांतु रूपांतर जाल्याची. अुदारण: समाजो कतव्यो, एकोमगो सो पि न धुवो इत्यादि. तशेंची, नपुंसक लिंगाचे "तत्" हो शब्द "से" म्हण्णुं रूपांतर जाला. हो शब्द उपरांत कोंकणींतु "तें" म्हण्णुं परिवर्तन पावला. कोंकणी भाशेचें जालिले अवस्तांतराचो अभ्यास जर केल्यार आमकां दिसून येत कीं संस्कृतांतुले अ-कारांत नामपदं ओ-कारांत रूपान कोंकणींतु सामान्यतः परिवर्तन पावल्याची. आनी ह्या परिवर्तनेची पूर्वावस्था शौरसेनी प्राकृत विभेदांतु आमकां मेळता शिवाय मागधी प्राकृत विभेदांतु न्हंय. आमीं जर आतां होन्लेंलो भाशाविभागांचो सिद्धांत जर लक्षांतु धरलो तर दिसून येत की तांगेले अभिप्रायाक लागून पश्चिमेंतुले आनी नैऋत्य प्रदेशांतुले भाशा हे शौरसेनी-महाराष्ट्री भाशेपासून उत्क्रांत जालिले भाशा आसाची आनी प्राच्य भाशा हे मागधीपासून संबंधित भाशा आसाची. हीं दोन पाशाणबरपं ताका लागून त्या त्या प्रदेशांचे मूळ भाशेचि लक्षणं घेवनुं दिश्टीक पडताची, हें स्पश्ट जाता.

प्रस्तुत लेखकाले मतान कोंकणी भाशा ही शौरसेनी गटांतुली भाशा आसून तिगेले विकासांतु महाराष्ट्री प्राकृत—जी भाशा शौरसेनीची काव्यमय प्रकार जावनुं आसा—सहभागी आसा. त्या विचाराचो आतां अभ्यास करयां. आनी तो करताना जर आमी संस्कृतापासून प्राकृतांतु रूपांतर जावचांतु किंवा शौरसेनी-महाराष्ट्रींतु रूपांतर जावचांतु जीं मुखेल सूत्रं आचरणेंतु येताची, तांचो जर विचार केलो तर जास्त सहाय्य मेळत.

संस्कृत शब्दांक प्राकृत रूप दिवचे मुखेल नियम ह्या तरेचे आसाची:

१. संस्कृतांतुले अ-कारांत नामपदं प्रथमा विभक्तिचे एकवचनांतु विसर्गान मेळत आशिल्यान किंवा अ-कारांत शब्दाचे उपरांत विसर्ग आयल्यार तो मागशेचे अ-काराबरोबर मेळनुं ओ-काररूप घेता;

अुदारण: घोटक: घोटको—घोडो (कों), वंशः—वंसो—वांसो (कों), पुरुषः—पुरिसो, ततः—ततो, अतः—अतो, इत्यादि.

२. ओ-कारांत जालिले पुल्लिंग नामपदाचे प्रथमा विभक्तिचे एकवचन शब्द बहुवचनांतु आ-कारांत वा ए-कारांतांतु परिवर्तन जाताची,
अुदारण: घोटका—घोटके—घोडे (कों), वंसा—वंसे—वांसे, (कों)

३. शब्दांतुले श आनी ष हे "स" जाताची;
अुदारण: पुरुष:—पुरिसो. वंश:—वंसो. कश्यप:—कस्सपो.

४. प्रथमा आनी द्वितीया विभक्तिचे बहुवचनांतु सर्व स्त्री लिंगाचे नामपदां उपरांत "ओ" येवन मेळता; अुदारण: माला—मालाओ. नद्य:—नज्जो.

५. त्य आशिले च्च: आनी द्य आशिलें ज्ज जाता.
अुदारण: सत्यं—सच्चं. नद्य:—नज्जो. गद्यं—गज्जं.

६. संयुक्ताक्षराचें पयलें दीर्घ स्वर आसल्यार तें ऱ्हस्व जाता.
अुदारण: पांडित्यम्—पंडिच्चं, आत्मा—अत्मा.

७. संयुक्ताक्षरांतु वेगळे वर्गाचि व्यंजनं आसल्यार तांतुतले खंचे तरी एक व्यंजन लोप जावनुं उरिल्याक द्वित्व प्राप्त जाता.
धर्म:—धम्मो, आत्मा—अत्मा, रात्रि—रत्ति, शुष्कम्—सुक्खं.

संस्कृतांअुपरांत पयलावयलें अवस्थांतर जालिले मागधी प्राकृत भाशेचे नियमांचो थोडें ध्यान धरनुं आतां त्या नियमांचे परिणाम जालिले शौरसेनी-महाराष्ट्री प्राकृत भेदांचो अभ्यास करचें जरूर आसा. थोडे विशिश्ट रूपांतरांचो अभ्यास केल्यार हे प्रकार नदरेक येताले. आमीं ध्यानांतु पयलेंची घेतल्यां कीं जशें मागधी भाशा प्राच्य देशांतु म्हळयार आताचे बिहार प्रदेशांतु वापरचांतु येताली त्याची प्रमाणें शौरसेनी-महाराष्ट्री प्राकृताचो उपयोग मध्य देश आनी उदीच्य देशांतु जातालो. शौरसेनी प्राकृताचे अवशेश गिरिनारचे प्रदेशांतुले अशोक राजाले पाशाण बरपांतु आसाची हे आमीं ध्यानांतु घेतिलें आसा, आनी थंय बौद्धावताराचे पयलेपासून अंतरवर्तुळाचे आर्यांली बस्ती आनी ताका लागून तांगेली शौरसेनी-महाराष्ट्री भाशा प्रचारांतु आशिली.

१. शब्दाचे सुरवातीक आशिलें पणून भिन्न वर्गाचि व्यंजनासयत मेळत नासताना वेगळे जाग्यार आशिले "त" कार, "द" कार जावनुं रूपांतर जाताची. "ट" आनी "ठ" हे ड आनी ढ म्हण्णुं बदलताची;
अुदारण: गच्छति—गच्छदि, पठति—पढदि, घोटक:—घोडओ.

२. "र्य" आशिलें य्य वा ज्ज जाता;
अुदारण: आर्य—अज्जो, कार्यम्—कज्जं, आर्यपुत्र—अय्यपुत्तो.

३. अधिकांश शब्दांतुले क, ग, च, ज, द, प, य हीं व्यंजनं लोप पावनुं तांतुतले स्वर मात्र उरताची. हे महाराष्ट्रीचे मुखेल लक्षण जावनुं आसा;
अुदारण: गत:—गदो—गओ वा गयो, सागर:—साअरो, वचनम्—वअणं.

४. "न" आशिलें "ण" जाता; उदारण: नयनम्—णअणं. नट:—णडो.

५. "थ" आशिले "ह्" वा "ध" जाता; उदारण: नाथ:—णाधो, कथम्—कधं वा कहं.

६. एकएकपटें भ आशिले ह जाता; उदारण: भवति—होदि वा भोदि.

७. ख, घ, थ, ध, भ हांचे बदलीक "ह्" येता; अुदारण: नख—णह, मेघ—मेह् बधिर:—बहिरो, नभ—णह.

८. क्रियेक "ता" "दूण" किंवा "इय" लावनु शौरसेनींतुले पूर्वकालिक कृदंत सिद्ध जाता;
अुदारण: भू—भविय—भोत्ता—भोदूण. पठ हाजे कृदंत पढिय—पढिदूण—पढित्ता.

९. महाराष्ट्रींतु पूर्वकालिक कृदंत क्रियेक "ऊण" लावनु सिद्ध जाता;
अुदारण: घेऊण, काऊण, भेत्तूण.

१०. शब्दांतुले "द"कार एकएकपटें "ल"कार म्हण्णु रूपांतर जाताची;
अुदारण: दोहद:—दोह्लो, आर्द्रम्— ओद्दं—ओल्लं.

ह्या नियमांचो बयल-बयल्यान जरी अभ्यास केलो तरी आमकां दिसून येत कीं कोंकणी भाशेचे परिवर्तनेंतु ह्या नियमांचो प्रभाव किल्लले मेरेन पडला. ह्या निश्कर्शाचो जास्त प्रभाव तेन्नां स्पश्ट जायत जेन्नां आमीं त्या भाशेचे थोडे उतारे पळयताची. साम्राट अशोकाले पाशाण बरपांतुले उतारे आमीं पळयल्याची. आतां बुद्धदेवालीं थोडीं बचनं जीं धम्मपद ग्रंथांतु आमकां मेळताची, तीं पोळोबयां.

न हि वेरेन वेरानि सम्मन्तीध कुदाचनं ।
अवेरेन च सम्मन्ति एस धम्मो सनातनो ॥ 1.5 ॥
इध मोदति पेच्च मोदति कतपुंजो उभयत्थ मोदति ।
सो मोदति सो पमोदति दिस्वा कम्मविसुद्धिमत्तनो ॥ 1.16 ॥
अप्पमादो अमतपदं पमादो मच्चुनो पदं ।
अप्पमत्ता न मीयन्ति ये पमत्ता यथा मता ॥ 2.1 ॥

अर्थ: ह्या जगांतु वैरान वैर केन्नांयी शांत जायना. अवैरान तें शांत जाता. होची तो सनातन धर्म जावनु आसा. कोणे पुण्य केल्यां तो ह्या जगांतु आनंद पावता, परलोकांतु आनंद पावता; दोन्नीं लोकांतु आनंद पावता. आपण्याले शुद्ध कर्म पोळोवनु तो प्रफुल्लित जाता. अप्रमाद म्हळ्यार सावधान आसचें; हें अमृतत्वाचे स्थान. प्रमाद म्हळ्यार बेसावध आसचें; हें मरणाचें स्थान. जो कोण अप्रमत्त आसता ताका केन्नांयी मरण ना; जो प्रमत्त आसता तो जीवंत आसून मेलिले समान.

वयर दिलेले उदारणेंतु ओकारान्त शब्द एकारान्त, र-कार आशिले ल-कार, आनी त-कार आशिले ट-कार जाल्याची. हे सर्व मागधींतु जावचे परिवर्तनेंचे नियमांक अनुसरून आसाची. त्याची प्रमाणें धम्मो, पमादो, सो हे शब्द प्रथमा विभक्तिचे एकवचन आसून ओ-कारांतांतु रूपांतर जालिले आसून ते पयलें संस्कृतांतु अ-कारांत आशिले. ह्या नियमांक अनुसरून कोंकणी भाशेंतुवी अ-कारांत आशिले शब्द ओकारान्त जाताची हें लक्षांतु घेवका. "सो"—या वचनांतुलो हो शब्द कोंकणींतु "तो" म्हण्णुं रूपांतर जाला.

प्राचीन संस्कृत कवी आपण्याले नाटकांतु तेन्नांचे सर्व प्राकृत भाशा वापरताले. तांचे थोडे उदारणे आतां पोळोवयां.

भासकवी आपण्याले स्वप्नवासवदत्ता नाटकांतु विदूशकाले तोंडांतु विचारायता, "कहीं वासवदत्ता?" हाज्जें कोंकणी रूपांतर म्हळ्यार "खंयी, वासवदत्ता?" वासवदत्ता म्हणता, "गदा एसा; अहो अच्चाहिदं; अय्यअुत्तो परकेरओ संवुत्तो."—गेली ही. अयो, अप्रिय असली घटना घडली. आर्यपुत्र परको जाला. ह्या उल्लेखांतुले अय्यउत्तो, परकेरओ, संवुत्तो हे प्रथमा विभक्तिचे एकवचन प्रयोग जावनुं आसून ते संस्कृतांतु आर्यपुत्र, परकीयः, संवृत्तः म्हण्णुं आसाची. शौरसेनींतु ते सर्व ओ-कारांतांतु परिवर्तन पावल्याची.

क्रि.श. ४१० ते ४४५ चे काळांतु वाकाटक वंशाचो राजा दामोदरसेनान प्राकृत भाशेंतु "दसमुहवहो" नांवाचे एक उत्कृश्ट काव्य रचयल्यां. थोडे जण ताका "सेतुबंध" ह्या नांवान उल्लेख करताची. महाकवी दंडीन तांतुतली भाशा महाराष्ट्री प्राकृत म्हण्णुं म्हळयां. तांतुतले थोडे उतारे आतां दीवंया. कारण आमीं पळयल्यां कीं महाराष्ट्री ही शौरसेनी गटांतुलीची पणून काव्याची भाशा म्हण्णुं मानचांतु आयिली आसा.

> वच्चइ अ चडुलकेसरसडुज्जलालोअवाणर परिक्खितो ।
> सर्वदिसा आअड्ढीअपलअपलित्तगिरिसंकुलो व्व समुद्दो ।।
> भेत्तूण तुरियमुक्के अणुलोमपहाविए सिला संघाए ।
> पढमं साहेंति परं विहडिह् वाणरमणोरहा रामसरा ।।

वयर दिलिले पद्यांतले वच्चइ, भेत्तूण, दिसाओ हीं क्रियापदं आनी विभक्तिरूपं कोंकणी भाशेंतु आसाची शिवाय कोंकणी भाशेली भयण म्हण्णुं मानचे मराठींतु ना. सेतुबंधाचे भाशेंतु संस्कृतांतुले भूतकालिक कृदंत तांतुतले सर्व "त"कार लोप जावनुं पुल्लिग रूपांतु ओ-कारांत जावनुं परिवर्तन जाल्यांची. आनी सर्व अ-कारांत पुल्लिग नामपदं प्रथमा विभक्तिचे एकवचनांतु ओ-कारांत जाताची. अुदारणः गतः—गओ. चलितः—चलिओ. प्रज्वलितः—पज्जलिओ. हाजे वयल्यान एक स्पश्ट जाता कीं संस्कृतांतुल्यान परिवर्तन पाविले अ-कारांत पुल्लिग नामपदं अजून कोंकणींतु

ओ-कारांतांतु वापरचांतु येताची. त्याची तरेन संस्कृतांतुलो "गतः" हो भूतकालिक कृदंत प्राकृतांतु "गतो" जावनुं शौरसेनींतु "गदो" जालो. तोची नंतर कोंकणींतु "गेलो" जालो. त्याची प्रमाणें संस्कृतांतुले भूतकालिक कृदंताचे "त" प्रत्यय शौरसेनींतु "द" जाता. आनी तेंची नंतर कोंकणींतु "ल" जाता. उदारणः

| संस्कृत | शौरसेनी | कोंकणी |
|---|---|---|
| कृतम् | किदं | केलें |
| मृतम् | मिदं | मेलें |
| पुत्रः | पुतो | पूतु |
| गतः | गदो | गेलो |
| भार्या | भारिया | बायिल |
| अगतः | आअदो | आयलो |
| घोटकः अगतः | घोडओ आअदो | घोडो आयलो |

जल्माक येवचें ह्या अर्थान संस्कृतांतुलो "जन्" हो धातु कोंकणींतु "जा" म्हण्णुं रूपांतराच्यान सर्व काळाचे आख्यात प्रत्ययं कृत् प्रत्यय धारण करताची. उदारणः वर्तमानकाल—जाय, जाता. भूतकाळ—जालें. पूर्णभूतकाळ—जाल्लें. पूर्णवर्तमान—जालां. भूतकालिक कृदंत—जालेलें. अभ्यासार्थक आनी तातकालिभूत—जातालें. भविश्यत् काल—जातलें. संभाव्य भविश्य—जायीत. इत्यादि. त्याची प्रमाणें संस्कृतातुलो "आस" धातु कोंकणींतु आसा ह्या रूपान वापरचांतु येता. संस्कृतातुले कालसूचक क्रियाविशेषण जावनुं आशिले "इदानीं" "तदानीं" "कदा" हे कोंकणींतु एदना, तेदना, केदना किंवा एन्नां, तेन्नां वा केन्नां म्हण्णु परिवर्तन जाल्याची.

श्री बस्ति पुंडलिक शेणाइ ह्या विशय आपण्यालो अभिप्राय दिताना म्हणताची, "भाशेंतलो संबंध आनी साम्य निर्धार करताना तांतुलीं आख्यातरूपं आनी विभक्तिरूपं मुख्य साधनं जावनुं आसताची......खंचेयी एक वर्गीतु आशिले अनेक भाशेंतु मूल किंवा प्राचीन भाशा खंची आनी एक भाशेक अत्यंत लागीची दुसरी भाशा खंची म्हण्णुं शोधनुं काडचांतु शब्दांतलीं शुद्धरूपं, सर्वनामं, संख्या-वाचक, संबंधिकालीं नांवं, अवयवांची नांवं, रोजचे वेव्हारांतु वापरचांतु येवचे वस्तूंची नांवं, आख्यात रूपं आनी विभक्तिरूपं मुखेल प्रमाण वा साधन ठरताची. आनी ते वापरचांतु येवचे शब्द कितले मट्टाक संस्कृत भाशेलागीं आसाची त्या मट्टाक ते भाशा प्राचीन आसाची म्हण्णुं सिद्ध जाता. साधारणतः नामपद इत्यादि शब्द एक भाशेंतल्यान दुसरे भाशेंतु मेळत आसल्यारीयी आख्यात रूपं आनी विभक्तिरूपं त्या प्रमाणें मेळनांची. त्या कारणान जर दोन भाशेंतु आख्यात रूपं आनी विभक्तिरूपांतु सादृश्य आसल्यार, पयले ते भाशा जरी एक आशिले तरी एक दूसरे पासून नंतर फांदी पडनुं वेगळी जाली म्हणका."[2]

मानिलें आसा कीं प्राकृत भाशेचो काळ साधारणतः इ. स. पू. ६०० ते इ. स. ६०० पर्यंत पसरिलो. त्या काळांतु ती स्थिर जाली, प्रतिश्ठित पावली. धर्माचि तत्त्वज्ञान आनी साहित्याचे कौतुक सांगचाक लागली. जाल्यार हे सर्व जात आसताना ती भाशादिश्टीन भ्रश्ट जात वताली. किद्याक तर, इ. स. ६०० सुमाराक परके भाशेबरोबर परत भारतीयांक संघर्श करचें पडलें. पल्लव, शक, अहिरादि अन्य धर्माचि, अन्य भाशेचे मानववंश भारतांतु पंजाबचे रस्त्यांन येवचाक लागले, तान्नीं थोडे काळ राज्य बी केलें. ह्या सर्वांचो परिणाम प्राकृत भाशेवयर पडनुं भाशेचे परत अवस्तांतर जावचाक लागलें. ह्या संसर्गान जी भाशा जल्माक आयली त्या भाशेक अपभ्रश्ट, अपभ्रंश असलें रूप आयलें. शिश्ठ प्राकृत भाशिकांनी ह्या भाशेक अपभ्रंश नांव दिलें. अपभ्रंश भाशेचो काळ सुमारे इ. स. ६०० ते इ. स. १००० पर्यंत मानिलो आसा. ह्या कालावधींतु प्रचारांतु आयिले ह्या अपभ्रंश भाशेंतु स्थानाक लागून स्थित्यंतर जातालें आनी कालवश आयचे भाशा म्हळ्यार मराठी, गुजराती, कोंकणी, बंगाली, हिंदी वगैरे देशी भाशा जल्माक आयले.

तशें पळेल्यार खंचेयी भाशेचें पंडिती व्याकरण रचोवचांतु आयलें की त्या भाशेचें मुखावळें परिवर्तन बंद जाता म्हणयेत. संस्कृताचें व्याकरण पाणिनीन रचयलें कीं त्या भाशेची वाड बंद जाली आनी लोकांले तोंडारि प्राकृत भाशा फिरचाक लागली. नंतर जेन्नां वररुचीलें "प्राकृत प्रकाश" तयार जालें तेन्नां प्राकृत भाशेची वाढ कमि जाली आनी अपभ्रंश भाशेचो जल्म जालो. प्राकृत भाशेंनी जेन्नां अपभ्रंश भाशेंक जल्म दिलें तेन्नां स्थानपरत्वे अपभ्रंश भाशा वेगवेगळे आशिले.

आचार्य सिद्ध हेमचन्द्रसूरी हो जैन विद्वांस इ. स. १०११ ते १०९४ पर्यंत गुजरातचे चालुक्य राज्यांतु निवास करतालो. तांगेले शब्दानुशासन ग्रंथांतु प्राकृत व्याकरण आसा. प्राकृताचे विभेद जे ताणें दिल्याची तांतु अपभ्रंश हो विभेद बी दिलिलो आसा. हेमचन्द्रान ह्या प्राकृत व्याकरणाची रचना करताना भारतांतु हिंदी, गुजराती, मराठी, बंगाली वगैरे भाशा, प्रचारांतु आशिले हांतु संदेह ना. त्या कारणान तांगेले अपभ्रंश विभेदांतु भारतांतु तेन्नां प्रचारांतु आशिले जास्तन जास्त भाशेचे शब्द दिलिले आसाची. अपभ्रंश विभेदांतु थोडे जास्त प्रमाणान कोंकणी रूपं आसल्यारीयी तांतुतले अधिकांश शब्द आनी प्रयोग हिंदी आनी गुजराती मूळाचे आसाची.

हेमचन्द्रान देशीनाममाला ह्या ग्रंथांतुबी त्या कालाचे अनेक भाशेचे शब्द दिल्याची. ध्वनिविचार आनी रूपविचार जरी भाशेचे अभ्यासांतुले प्रमुख अंग जावनुं आसा तरीयी भाशेंचे दोन अवस्तांतुले शब्दांचे साम्यबी तितलेंची प्राधान्य

आसा. त्या कारणान देशीनाममालेंतु दिलिले अपभ्रंशाचे थोडे शब्दांचो अभ्यास योग्य ठरत. आनी कित्येक शब्द आयचे कितले तरी कोंकणी शब्दांबरोबर साम्य दाखयत.

| संस्कृत | अपभ्रंश | कोंकणी |
|---|---|---|
| अंगार | इंगाल | इंगाळो |
| आर्द्र | ओल | ओलें |
| उद्यापन | उज्जवण | उजवण |
| निर्वाति | णीवइ | निवइ |
| स्नात | ण्हाणिअ | न्हाणय |
| तृण | तण | तण |
| स्तन | थण | थाण |
| दर्शय् | दक्खव | दाखय |
| देवकुल | देउल | देवुळ |
| दुहितृ | धूय | धूव |
| पति | पइ | पै–(उपनाम) |
| भगिनि | बहिणि | भयणी |
| भाषा | भास | भास |
| मृदु | मउ | मोउ |
| रुक्ष | रुक्ख | रुखु |
| श्वान | सुण | सुणें |
| | डोलो | डोळो |
| | दोग्गं | दोग्गं |

अपभ्रंश भाशेंचें मुख्य विशेष म्हळ्यार, पुल्लिंग-नपुंसक म्हळ्ळे भेद नासताना सर्व अ-कारांत नामपदं आनी विशेषणं प्रथमा विभक्तिचे एकवचनांतु उ-कारांत जाताची. जाल्यार कोंकणींतु संस्कृतांतुले केवल अ-कारांत पुल्लिंग शब्द उ-कारांत रूपांतु परिवर्तन जाताची तशें पळेल्यार संस्कृतांतुले सर्व अ-कारान्त नामपदं आनी विशेषणं शौरसेनी-महाराष्ट्री प्राकृतांतु ओ-कारान्त जावनुं अपभ्रंशांतु उ-कारान्तांतु परिवर्तन जाताची. ही परिवर्तनाची रीत स्वाभाविक सर्व शौरसेनीप्राकृतोत्पन्न भाशांतु दिसून येता. सिंधी भाशेंतु उदारणान संस्कृतांतले अ-कारान्त उ-कारान्तांतु परिवर्तन जाताची–रामु, गोविंदु, घरु, चोरु, शींहु, छोकरु, नाचु, सुणु[4] वगैरे वगैरे. हाज्यावयल्यान निश्कर्श काडयेत कीं जे नियम शौरसेनी प्राकृतोत्पन्न भाशेक लागताची तेची नियम

कोंकणी भाशेचे परिवर्तनेंतु दिसून येताची. हेमचन्द्राले अपभ्रंश विभागांतु नियमाचे उदाहरण म्हण्णुं हे पद्याचो उल्लेख केलिलो आसा.

"भल्ला हुआ जु मारिआ बहिणि महारा कंतु ।
लज्जेज्जंतु वयंसीअहु जइ भग्गाघरु एंतु ।।

जइ पुच्छह घरंवड्डाइं तो वड्डा घरंओइ ।
विहलिअ-जण- अब्भुद्धरणु कंतु कुडीरइ जोइ ।।

ए सहोदरी, बरें जालें की मेगेलो कांत युद्धांतु मरण पावलो. तो जर हरनुं परत आयिलो तर सखी कडचान अवमर्याद जाताली. व्होड घरांतले लोकांविशय जर विचारता तर व्होड घर थंय आसा. कस्टांतु आशिल्यांक उद्धार करतालो मेगेलो कांत तर हांगा कुडींतु आसा.

ह्या दोन पद्यांतुले शब्दांचो विचार केल्यार दिसून येत कीं हुआ, मारिआ भग्गा हे तीन भूतकालिक क्रियापद आयल्यांची. ते अनुक्रमान भूतः मारितः आनी भग्नः ह्या संस्कृत कृदंताची रूपांतर आसाची. त्याची प्रमाणें मेगेलें ह्या अर्थान "महारा" हे रूप आसा. कोंकणींतु हे शब्द जालें, मारिलो, भंगलो आनी मेगेलो म्हण्णुं रूपांतर जाल्याची. तशें पळेल्यार अपभ्रंशातु सो, एहो, सा, एह हीं सर्व नामं आसाची. कोंकणींतु हे शब्द तो, हो, ती, ही म्हण्णुं परिवर्तन जाल्यांची. अपभ्रंशांतु वड्डा आनी जोइ शब्द आसाची; ते कोंकणींतु व्होड आनी चोइ (पळय) म्हण्णुं आसा.

भाशाशास्त्रांतु एक नियम आसा आनी तो म्हळ्यार "ल"काराचें मूळ "द" वा "त" जावनुं आसा. त्या दिश्टीन एक भाशेचे क्रियापदाचे अंताक "त" वा "द" आसल्यार आनी दुसरे भाशेचे अंताक "ल" आसल्यार ती नंतरची भाशा "त" वा "द" अंताक आशिले भाशेपासून जल्माक आयल्या म्हण्णुं सिद्ध जाता. आमीं पयलेंची पळयल्यां कीं संस्कृतांतुले भूतकालिक कृदंतांतुले "त" प्रत्यय नंतर शौरसेनींतु "द" जालें. म्हळ्यार "गतः" आशिलें "गदो" जालें, आगतः आशिलें आगदो जालें. हे "दो" नंतर कोंकणींतु "लो" जालें. "दोहदो" आशिलें दोहलो आर्द्र आशिलें "आल्लें" जालें.

उदारणः

| संस्कृत | शौरसेनी | कोंकणी |
|---|---|---|
| रामः आगतः | रामो आगदो | राम आयलो |
| रामेण कृतम् | रामेण किदं | रामान केलें |
| सः मृतः | सो मिदो | तो मेलो |

ह्या सर्व विचारांचे अखेरीक आमीं आतां सारांशरूपान निश्कर्श काडयेत. होर्न्लेन केलिले विभाजनेक अनुसरून कोंकणी भाशा दिश्टीन शौरसेनी, महाराष्ट्री गटांतुली आसून तिगेलो विकास अंतरकुळांतुले आर्यांपासून जालिलो आसा. भाशा गटांतु तिगेले सहोदर म्हळ्यार गुजराती, सिंधी आनी पश्चिम हिंदी. ह्या निश्कर्शाक आधार म्हळ्यार:

१. कोंकणी भाशा ही आर्य कुळांतुली भाशा आसून तिगेले कोंकणांतु येवचें हें अंतरकुळांतुले आर्यांक लागून.

२. सरस्वती नदीचे तीरावयर आशिले ब्रह्मावर्तांतु अंतरकुळांतुले आर्य निवास करत आसून त्या आर्य समाजांतु विश्वामित्र, जमदग्नि, परशुराम, सारस्वत तसले ब्राह्मण आशिले. चंद्रवंशी यदुकुळाचे आर्य ह्याची अंतर-वर्तुळांतु वसाहत करनुं आशिले.

३. जमदग्नी-परशुराम हे भृगुवंशाचे आसून हांगेलो लागीचो संबंध पश्चिम समुद्राचे कराचळीबरोबर शतकान शतक आशिलो. भृगुवंशाचे ब्राह्मण चंद्रवंशी ययाती कुळाचे क्षत्रियांले पौरोहित्य करताले.

४. परशुरामान हैह्यांलो निर्मूलन केले नंतर उत्तर भारताचो त्याग केलो आनी नवी वसाहत कोंकणांतु वसयली. ताकालागून ताणें अनेक ब्राह्मण कुळं ब्रह्मवर्तांतुल्यान हाडनुं गोयांतु बसयलीं. मुखारसरनुं चंद्रवंशाचे यदुले पूतानी—हरित, पद्मवर्ण आनी सारसान—आपण्याले राज्य बनवासी कोल्हापूर, गोमंतकाचे प्रदेशांतु बसयिली.

५. ह्या वसाहतींक लागून अंतरकुळांतुली तोंडी भाशा जी शौरसेनी आशिली ती भाशा कोंकणांतु वेव्हारांतु आयली. आनी ताकालागून कोंकणाची भाशा शौरसेनीप्राकृतोत्पन्न भाशा म्हण्णं निश्कर्श काडयेत.

---

**टीप :**

1 "The differentiation of a language does not necessarily depend on non-intercommunicability with another form of speech. There are also other powerful factors to be considered, if we are to look at the subject from a scientific point of view. First and foremost, there is what I have already referred to,—grammatical structure—. . . . The vocabulary of the two forms of speech may be very similar, but the whole grammatical structure of the one (Bihari) is radically different from that of the other. (Western Hindi)"—Grierson—*Linguistic Survey of India,* Vol. I, pt. 1, pp. 23-24.

2 बस्ति पुंडलिक शेणाई—कोंकणी आनी मराठी हांची तुलणात्मक विमर्श.

# ४ कोंकणी साहित्याची रूपसंपदा-१

जेन्नां एक भाशेंतल्यान विंगड एक भाशा जल्माक आयली म्हण्णु म्हणताची तेन्नां ताजो अर्थ हो न्हंय कीं एक भाशा मरता आनी ते जाग्यार विंगड एक भाशा जल्माक येता. खरें पळयल्यार तशें जायना. काळ, देश आनी जनांगांक लागून जेन्नां नवी भाशा जल्माक येता तेन्नां पूर्विली भाशावी थोडेवेळमेरेन ग्रांथिक रूपान वावुरत आसता. आनी जेन्नां काळसमयाउपरांत नवीन भाशा लोकांले जीभेवयर घोळनु रूप आनी आकार घेता, संघटित जाता, स्थैर्य पावता तेन्नां तिका शिश्टत्व प्राप्त जाता.

संस्कृत भाशेचें प्राकृत भाशेंतु आनी प्राकृताचे अपभ्रंशांतु परिवर्तन जालें उपरांत साधारणतः धाव्वे शतमानांतु कोंकणी भाशेचे रूप आमकां दिसून येताची. वास्तविक हेची सुमाराक आताचे सर्व भारतीय भाशांचो जल्म जालिलो दिसून येता. पणून जेन्नां भारतांतले इतर सर्व भाशा साहित्य आनी रूपसंपदेन परिपूर्ण जाले तेन्नां कोंकणी मात्र त्या शिश्ट रूपान परिपूर्ण जाली ना. हाका कारणं कसलीं उरत? हाजो अभ्यास केल्यार दिसून येत कीं तीं कारणं भाशा विकासाचीं नासतानः ऐतिहासिक राजकीय रूपाचीं आसाची.

खंचेयी एक भाशेचो विकासपर्व जर नियाळून पळयलो तर दिसून येत कीं ताजे उदरगतीक साधारणतः दोन मुखेल हातधरपी साधनं मदत करताची. भाशा धर्मप्रसाराची माध्यम म्हण्णु वापरचांतु येवची आनी राज्यांतु राजदरबारची भाशा म्हण्णु ती वापरचांतु येवची. आर्य लोकांनी भारतांतु आयिले तेन्नां हांगा अनेक भाशा वावुरताले. पणून त्या सर्वांतली एक भाशा वेदांची भाशा जावनु प्रचारांतु आयिल्यान त्या भाशेक सुसंकृत रूप प्राप्त जालें आनी ती "संस्कृत" वा शिश्ट भाशा म्हण्णु मान्यतेक अर्ह जाली. ताजे उपरांत जेन्नां बुद्धदेवान आपण्याले धर्मप्रसाराची भाशा म्हण्णु प्राकृत भाशा आपणायली तेन्नां प्राकृत भाशेक मान्यता मेळी आनी तांतूत साहित्य निर्माण जावचाक लागलें. जेन्नां सातवाहन, वाकाटक इत्यादी राजघराण्यांनी आपण्याले राज-दरबाराची भाशा म्हण्णु ही भाशा उपयोजनेंतु हाडली तेन्नां त्या भाशेक स्थैर्य प्राप्त जालें. जेन्नां कुमारिल भट्ट आनी शंकराचार्यांनी बौद्ध धर्माचो जागो हुमटावनु त्या जाग्यार हिंदू धर्म परत बसयलो तेन्नां संस्कृत भाशेक परत संजीवनी मेळी. रत्न-पंप-राष्ट्रकूटांक लागून कन्नड भाशेचो, ज्ञानेश्वर-नामदेव-यादवांक लागून मराठीचो, तुलसीदास-मीरा-सूरदासांक लागून हिंदी भाशेचो विकास जालो.

भाशा जल्माक येताना आपण्यालें प्राकृतिक रूप हे तरेन घेवनु येत आसल्यारियी

तिगेलो विकास मात्र जन आनी राजमान्यतेन स्फुरण पावता म्हणयेत. इतिहास नियाळून पळयल्यार दिसून येत कीं कोंकणी भाशेचे विकासापरस मराठी आनी कानडी भाशेचे विकासांतु कोंकणी लोकांनी जास्त तत्परता दाखयली आसा. इतिहासाचे कारणांक लागून ही स्थिती आयली आनी ते कारणांचो अभ्यास आतां आमकां करचें आसा.

कोंकणांतु आर्य वसणूक अडेच-तीन हजार वर्सांपयलेंपासून जाली. हे वसणूकीचीं दोन मुखेल केन्द्रस्थान म्हळ्यार उत्तर कोंकणांतले सोपारा आनी दक्षिण कोंकणांतलो गोमंतक प्रदेश. बुद्ध देवाले काळांतबी ही दोन स्थानं बौद्ध धर्मांचान प्रभावित जालिलीं. गोयांतु हाजीं दर्शनीय चिन्हं लोटली, रिवण, हरवळें, हरमल, रेडी इत्यादि प्रदेशांतु दिसताची. तशें पळयल्यार गोंयांतु बौद्ध, हिंदू आनी जैन धर्माचे राजवंश आनी ताका लागून ते ते धर्मांचो प्रसार चलतालो. कदंब, राष्ट्रकूटादि द्राविड राजघराणी आनी देवगिरी यादवकुळांकलागून हांगा, कानडी आनी मराठी भाशेचो प्रभाव जायते प्रमाणान प्रचारांतु आशिलो.

विग-विगड भाशा आनी संस्कृतीचान प्रभावित जावचे समाजांतु कोंकणी लोकांनी आपण्याले कर्तुत्वान हातभार लायलो. डा. भाण्डारकरांले मतान चौथे ते धाव्वे शेकड्यामेरेन यज्ञयागाचे संस्कार आनी श्रौत्रसूत्रांचेवयर भाश्य बरोवचे ब्रामणांक स्वामिन् ही प्रतिश्ठित संज्ञा दिववांतु येताली.[१] हे परंपरेक लागून गोयांतले सारस्वत ब्राह्मणांनी त्या काळांतु स्वामिन् ही पदवी लायताले. हे ब्राह्मणांनी यज्ञयाग केलेल्यान तांका भूदान केलिले उल्लेख शिलालेख आनी तांब्यापाटेंतु मेळताची. हांतु सारस्वत ब्राह्मणांलो आंकडो जायते प्रमाणान आसा. उदारण, वेदवेदांगविदूश सुमतीस्वामीलो पूत प्रियस्वामी, अग्निगोत्री कृष्णस्वामीलो पूत महेश्वर, वत्सगोत्री रेवास्वामी, भारद्वाज गोत्री देवस्वामी इत्यादि. शिलाहार, सातवाहन, कदंब आनी यादव कुळांतले राज-वटींतु हांगेलो उल्लेख मानान जाला.

उदारण, शके ९३२ (स. १०१०) चे तांब्यापाटेंतु दक्षिण कोंकणचो अखेरचो शिलाहार रट्टराजान सेणावई नागमैय ब्राह्मणालो पूत संकमैय हाका एक वाइंगण शेत आनी गोंयांतले चन्द्रवाडींतले अवडें गांवाचे संझैय नांवाचे ब्राह्मणांले नातीक एक कुळागर दान दिलिलो उल्लेख आसा.[२] शके ९३८ (स. १०१६) तु उत्तर कोंकणांतले शिळाहार राजा अरिकेसरीन च्छितपैय ज्योतिशीलो पूत जमदग्नि गोत्री राजागुरू तिक्कपैय हाका चाविनार गांव दान दिलिलो.[३]

शके ९६० (स. १०३८) तु गोयांतलो चन्द्रपुरचो राजा गुहल्लदेवान आपण्याले प्रधान देवगै, श्रीयमै, दामपै, मावरै, महल्ल, मल्लपै हांगेले सन्निधींतु भट्ट नारायणाक अंत्रूज म्हालांतले वेरे लागीं आशिले साहवे (आताचे सावे) गांव दान दिलो.[४] हेची तरेन यादव महासामंत दुसरे भिल्लमान आपण्याले स. १००० चे शासनांतु २१ ब्राह्मणांक नासिक लागीचो गांव दिलो. ते ब्राह्मणांली नांवं महलपैय, इंदपैय, देवपैय, अल्लपैय, वच्छपैय, विक्कपैय, दंदपैय इत्यादि आशिलीं.[५]

शके ११९४ (स. १२७२) तु देवगिरी रामदेव यादवाले उत्तर कोंकणांतलो प्रतिहस्त गौतमीपुत्र अच्युत नायकान (जो स्वत: सारस्वत ब्राह्मण आशिलो) मुंबयचे लागीं आशिले सास्टींतलो वौळे गांव जामदग्न्य वत्स गोत्री खेतलप्रभु, विष्णुप्रभूलो पूत नारणप्रभु आनी आउप्रभु वगैरे ब्राह्मणांक दान दिलीलो उल्लेख आसा.[६]

वैश्णव धर्माचो विकास महाराष्ट्रांतु पंढरपुरांतु जालो. देवगिरीचे यादव काळखंडांतु मराठी भाशेक राजमान्यता मेळिल्यान आनी तेची काळांतु ज्ञानेश्वर आनी नामदेवांनी आपण्याले ग्रंथांची भाशा म्हण्णुं मराठी आपणायिल्यान तिगेले उदरगतींतु भर पडली आनी ते भाशेक प्रतिश्ठा मेळी. बौद्ध धर्माचे काळाउपरांत जी विकसनशील प्रवृत्ती प्राकृत भाशेंक आयिली तीची प्रवृत्ती मराठी भाशेंतु दिसून येवचाक लागली. कोंकणी भाशेचे विकासाक मात्र असली उपयोगी किंवा सहाय्यक साधनं मेळीं नांचीः

ताजे उलट महाराष्ट्राचे सलग आशिले कोंकणांतु यादव राजांलो आनी ताका लागून मराठी भाशेचो वावर दिसून येतालो. पंढरपुरचे विठ्ठल संप्रदायेंतु गोंयचे आनी सलग कोंकणी प्रदेशांतले लोकांलो संयोग आशिलो. यादव राजदरबारांतु कोंकणी लोकांलो भौमानाचो जागो तर आशिलोची पणून पंढरपूरचे देवळाचे जीर्णोद्धाराचे कार्यांतु जी वर्गणी हेमाडपंतान एकठांय केली तांतूत कोंकणी लोकांली नावां जाय ते प्रमाणान दिसून येताची. उदारण, श्रीपति दण्णायक, कोंकण केसवदेवें, सेणवै लखमिदेवें, बामरसाचा सेणवै चांदेएं, दलवै कुमरूपुत्र, कोंकण मधुसूदन, लाड हरिदेवे, इत्यादि.[७] नामदेवाले गाथेंतु कोंकणी भाशा आनी कोंकणी लोकांलो उल्लेख आसून तो कोंकणी लोकांबरोबर संबंधित आशिलो अशें दिसून येता. ज्ञानेश्वरांले ग्रंथांतु जे अनेक कोंकणी शब्द आनी वाक्य प्रकार दिसून येताची ताजे कारणबी कोंकणी लोकांलो थोडे जास्त आशिलो प्रभाव म्हणयेत. जरी स्वत: ज्ञानेश्वर कोंकणी नासल्यारियी तांगेलेवयर ज्ञानेश्वरीचे लेखनकार्य करपी सच्चिदानंद बाबा (जो कोंकणी मनीस आसू शकता) हांगेलो प्रभाव पडिलो आसचें शक्य आसा. जशें धार्मिक परंपरा आनी संत साहित्याक लागून कोंकणी मनुश्याले मनावयर मराठीचो प्रभाव पडलो तशेंची राजदरबारांचे वेव्हाराक लागून कोंकणी मनुश्यान आपण्याली वेव्हाराची भाशा म्हण्णुं राजदरबारान आपणायिली भाशा (तो मराठी आसूं वा कानडी आसूं) स्वीकारली.

तशें पळयल्यार इतर भाशिक राजांनी कोंकण प्रदेश आक्रमण केलिल्यान ते ते राजांले दरबारांतु कोंकणी मनुश्यान पाटाप्रधान, मुखेल भांडारी, राजगुरु, ज्योतिशी म्हण्णुं लौकिकान, अभिमानान आनी वैशिश्टायतेन वर्चस्व गाजयलें. उदारण, महासामंताधिपति शिलाहार पयले अपराजितालो (स. ९९६) पाटाप्रधान संगलमैय आसून तागेलो पूत अन्नपैय तागेलो प्रतिहस्तक आशिलो. सीहप्पैय हो प्रधान म्हण्णुं शोभलो. स. १०६० तु च्छित्तराजालो पाटाप्रधान म्हण्णुं सिवपैय, स. १०८१ तु अनंतदेव वा अनंतपाल हागेलो पाटाप्रधान म्हण्णु रुद्रपैय, स. ११२८ तु अनंतदेवालो

पूत दुसरो अपराजितालो पाटाप्रधान म्हण्णु लक्ष्मणपैय प्रभु आसून ताजे उपरांत हरिपाल देवराजाले (स. ११५०) प्रधानमंडळांतु बेसू पडवळ, लक्ष्मणप्रभु, वासुगी नायक आशिले. मल्लिकार्जुन राजालो प्रधान म्हण्णु प्रभाकर नायक आनी अनंत पैंप्रभु नांव पावले.[८]

हाजे उलट दूर देवगिरीचे यादव राजवटींतु कोंकणी लोकांलो वर्चस्वबी लाक्षणिक रितीन आशिलो. गौतमीपुत्र अच्युत नायकान उत्तर कोंकणांतु कारभार सांभाळायल्यार हेमाद्रि वा हेमाडपंतान राजपाटणाचो कारभार पळयलो. ताणें राजकारभारांतु हाडिले सुधारणेक शेणवाई पद्धत म्हणताले. ही पद्धत न केवल महाराष्ट्रांतु तर गोयांतुबी प्रचारांतु आशिली.

खुद्द गोंयांतु कोंकणी लोकांलो वर्चस्व कदंबादि राज्यांतु प्राबल्यान आशिलो. स. १०३८ चे तांब्रापाटाचे वयल्यान दिसता कीं कदंबराजा दुसरो गुहल्लदेवाले प्रधानमंडळांतु शिरियापैय, दामपै, जावपै, महल्ल, खलपै इत्यादि आशिले. दुसरो जयकेशीले (स. ११०४-११४७) काळांतु गोंयचे राज्यांतु कोंकणी लोकांलो वर्चस्व वाढलो. तागेले प्रधानालें नांव "श्रीकरणद माळपय्य नायकन मगं गोविपय्य नायकन" म्हण्णु म्हळयां.[९] जयकेशीलो पूत शिवचित्त पेर्माडीले (स. ११४६-११८७) राजदरबारांतु बाभण नांवाचो दंडनाथ आशिलो.[१०] बाभण आनी दण्णायक ही सारस्वत नावां अजून प्रचारांतु आसाची.

कदंबाले उपरांत विजयानगर राजदरबारांतु माईशेणाई वागळे (स-१३५०-१३७९) हो कोंकणांतलो कारभारी आसून नंतरचे बसंतमाधवराय आनी तागेलो पूत वीर बाचण्णा आनी मल्लप्प ओडेयर हे स्वतःक गोवापुरवराधीश्वर म्हण्णु घेवचांतु अभिमान लेखताले.

जेन्नां शिवाजीन कोंकणावयर स्वारी काडली तेन्नां, ताजे पयले पासून मराठी संत साहित्यान प्रभावित जालिले आनी त्या काळांतले मुसलमान/क्रिस्ती राजवटीन त्रासिले, कोंकणी समाजान ताका आवकार दिलो. मराठा राज्यांतु कितले तरी वर्स तुका शणै, नारायण विठ्ठल शणै धुमे, पितांबर शणै, नरो राम मंत्रि, रामचन्द्र मल्हार सुखठणकर असले अनेक गोंयकारांनी सेवा केली.[११] आनी हे तरेन कोंकणी समाजाले वरिश्ट वर्गाचो संबंध मराठी समाज आनी भाशेबरोबर आयलो.

कर्नाटकांतले केळाडी राजदरबारांतु तर सारस्वतांनी अग्रगण्य स्थान सर्व विभागांतु मेळयलें. हे राजे स्वतः उच्च संस्कृती आनी ज्ञानोपसाधनेंतु साधक नाशिले तरी ताणी आपण्याले राज्यांतले ज्ञानी आनी कला कौशल्यान निपुण आशिले लोकांक उत्तेजन दिलिलें. हे उत्तेजनेंतु कोंकणी जन फावले. रंगय्या अमलाडी हो संगीत शिरोमणि आसल्यार सांतय्या, वेंकटय्या हे सारंगी वाद्य वाजोवचांतु निपुण आशिले. कागलचो नारणप्पा, मनिकेरे तिम्मय्या, लक्ष्मय्या धारेश्वर, चंदावर नाणय्या, नारायणप्पा नाडकर्णी, विठ्ठल शेणाय, रामा पै, गणेश मल्या, रामचंद्र मल्या, म्हलप्पा

नायक असलीं अनेक नांव आमकां कर्नाटकाचे ऐतिहासिक समाजांतु आनी राजकारणांतु वावुरचीं दिसताची.[१२]

हे तरेन कोंकणी समाज ऐतिहासिक, राजकीय आनी धार्मिक कारणांक लागून परभाशीय समाजाचे प्रभावासकयल जास्त काळमेरेन आयलो. कोंकणी समाज जाणतो, ज्ञानान भरिलो समाज आशिल्यान तो समाज आपण्यान आशिले वातावरणाचे सहाय्यान आपण्यालें कर्तुत्व गाजयतालो. आनी तांका आपण्याले विचार, कर्तुत्व निस्तारावचाक भाशेची गरज भासताली. राजमान्यता प्राप्त जालिली मराठी वा कन्नड भाशा ताणें उपयोजनेंतु हाडलीं; स्वतःची मायभाशा जावनुं आशिली कोंकणी न्हंय. कोंकणी भाशेक उत्तेजन दिवचो राजा मेळो ना. वास्तविक भाशा ही एक माध्यमरूपी साधन आसा. मनुश्याली सहज प्रवृत्ती आसता कीं जी भाशा राजा मान्य करता ती भाशा तो आपणायता. तेन्नां ती भाशा मराठी आसों, कन्नड आसों, पोर्तुगीस आसों वा इंग्लिश आसों. ताका भेद दिसून ये ना. तशें पळयल्यार इतिहासाचो हो प्रभाव कोंकणी समाजावयर अजून इतलो रुतून बसलो कीं कोंकणी मनीस अजून कोंकणींतु आपण्याली अस्मिताय व्यक्त करचो विचार कर ना; हाजे ताका दुःख ना. हो एक असलो समाज जो विचारांनी, आचारांनी, धार्मिक प्रवृत्तीन एक आसा, पणून जेन्नां आपण्याले विचार तो व्यक्त करता तेन्नां तो विंग-विंगड माध्यम वापरता, भाशा वापरता. ताका लागून नांवान जरी तो समाज आज एक म्हणताची तरी तो समाज आपण्याले व्यक्त स्वरूपांतु भिन्न जालो, आनी ताका लागून तो आप-आपसां पासून दूर वचत आसा. हो दुःखाचो विशय आसा.

विचार, मत, अनुभव व्यक्त करचीं साधनं विंग-विंगड जालिल्यान एक समाजांतु जी एकता येवका ती येत नासताना आयज कोंकणी समाज आपण्याले स्वतःचे भाव-भयण्यापासून अपरिचित जालो. केरळचे कोंकणी मनीस, मंगळूरचे कोंकणी मनीस गोंयातले, सावंतवाडींतले, आपण्याले भावांक ओळखना. तीची परिस्थिती गोयंकारां विशय जाल्या. ते इतलेची जाणताची कीं केरळांतु, मंगळूरांतु कोंकणी उलोवचे लोक आसाची; पणून जे कांय ते विचार करताची, जे काय ते आचरणेंतु हाडताचो तांचे विशय गोंयकार कांयवी जाणनांची.

महात्मा गांधींक एक पटें गुजराती साहित्य संम्मेलन उद्‌घाटन करचाक आपयलें. ते संम्मेलनाचो मुखेल उद्‌देश म्हळ्यार गुजराती भाशा जी प्रभावी ना ती खंचे तरेन प्रभावित करची. गांधीजी म्हणाले, भाशा हें एक केवल माध्यम. भाशा प्रभावित आसना. मनुश्य प्रभावी आसता. तो जर प्रभावी आसता, कर्तुत्ववान आसता, स्वाभिमानी आसता तर तांगेली भाशा प्रभावित जाता. हें आमि कोंकण्यांनी जाणचाक जाय. कोंकणी लोकांनी आत्मसात् करचाक जाय.

असों. जरी हे तरेन कोंकणी मनुश्यान राजकीय, धार्मिक आनी सामाजिक कारणांक लागून ते ते प्रदेशाची भाशा आपण्याली, वेव्हाराची भाशा म्हण्णुं वापरली

तरी पुण जेंन्नां तो भावनावश जाता तेन्नां तो मायभाशा वापरता. असले अस्पश्ट आनी विरळ क्षण शोधिल्यानची कदाचित कोंकणी भाशेचो उगमस्थान सोधचें साध्य जायत. तशें पळयल्यार रात्र काळोखाची आसा, आनी आभाळांतु आशिली नखेत्रं केवळ संकेताक आसाची. तांचो आधार घेवनूंची कोंकणी भाशेचो जल्मकाळ सोधयां.

नवे भाशेक जल्म दीवनु भूतकाळांतु विलीन जालिले प्राकृत अपभ्रंशांपरस विगड आनी स्वतंत्र हे रूपान कोंकणी भाशा पयलांवयलें धाव्वे शतमानांतु दिसून येता. ताका लागून कोंकणी भाशेचो काळ हजार वर्सांचो म्हणयेत. तशें पळयल्यार खंचेयी भाशेचो काळखंड विलग आनी सलग नासताना एकमेकांतु मिसळिलो आसता. पूर्वकाळाचे भाशेचे अवशेश आनी सलग प्रदेशांतले भाशेचे प्रभावी आनी सूचक शब्द-रूपं ते भाशेचे जल्मकाळांतु आनी विकासांतु दिसून येताची. ताका लागून एक भाशेचो जल्मकाळ, तिगेलें अस्तित्व वा स्वतंत्रताय निश्चय करताना विग-विगड भाशेचो शब्द वा वाक्प्रचार आशिल्यान ती भाशा स्वतंत्र ना म्हणचे उचित न्हंय. हे तरेचे प्रभाव दिसून आयिल्यान त्या भाशेचे विकसनशील प्रवृत्तीचें जाण आमकां मेळता.

कोंकणी भाशेचे वळगाचे शब्द आनी वाक्य प्रकार पयलावयलें आमकां श्रवण-बेळगोळचे गोमटेश्वराले पायासकयल दिसून येताची: "श्री चावुण्डराजें करवियलें". गोंयचे कदंबाले जैन धर्मी प्रचाराक लागून आतांचे गोंय, मंगळूर आनी कारवार जिल्ह्यांतु जैन धर्म प्रचारांतु आशिलो. जैन बस्त्यो, कार्कळातलें तरेचे जिन विग्रहं जाग्यान जाग्यार दिसतालीं. कदंब राज्यांतु आनी गंगराजाले गंगवाडींतु निकट वेव्हार आशिलो. आनी गोमटेश्वराले मूर्ती उभारायले उपरांत गोंय आनी ताजे सलग प्रदेशांतले भाविक लोकांली दर्शनेच्छेन श्रवणबेळगोळाक भेट जात आसताली. तशें पळयल्यार जीं नांव श्रवणबेळगोळांतलें आवारांतु दिसून येताची तांतूत कितली तरी नांवं कारवार/गोंयेचे यात्रिकांली आसाची.

तर्काक लागून मानयेत कीं असले यात्रिकांले खातिर हो शिलालेख कोत्रायिलो उरत. शिलालेखांतली भाशा कोंकणी म्हण्णु कोणांकयी संदेह आसचाक फाव ना. आयजवी कोंकणींतु-हे तरेची प्रयोजक वाक्यं रचोवचांतु येताची-उदारण, खावयलें, करयलें, पियवलें, हाडयलें इत्यादि. जाल्यार कोंकणी भाशा ही मराठीची प्रांतिक बोली म्हण्णु मानिल्यान हो शिलालेख मराठी भाशेचो समज आयजमेरेन जात आसा.

इतिहासाचे अंध:कारांतु दुसरे जे शिलालेख तत्कालीन भाशेचे अस्तित्वावयर प्रकाश घालताची तें पोळोवयां. शिलाहार पयलो अपराजित जाका केशिदेव हेंवी नांव आशिलें, हांगेले शके ९३४-स. १०१२ चे अक्षि तालुका अलिबागेंतु मेळिले शिलालेखांतु भईर्जु सेणवइन दिलिले आज्ञेविशय नमूद आसा. तो हे तरेन आसा!

१. गी सुष संतु। स्वस्ति ओं। पसिमसा

२. मुद्रधिपती। स्री कोंकणा चक्री

३. वर्ती । स्री केसीदेवराय । महाप्रधा–
४. न भइर्जु सेणुई तसिमीनी काले
५. प्रव्रतमने । सकु संवतु : ९३४ प्रधा–
६. वी संवत्सरे : अधिकु दिवेस्के बौ–
७. लु । भईजुवें तथ बोडणा तथ नड
८. कुवंली अधोर्यु प्रधालु । मसलषु–
९. मीची वअ्राण । लुनया कचली ज–

हे अपराजित वा केशिदेवाले राजदरबारांतु वासपै, बाधियपै असले सारस्वत ब्राह्मण प्रधान म्हण्णु आसून भईर्जु सेणवाइ–सेणुई हो अधिकारी आसूयेत. ह्या लेखांतले शब्द सेणुई, बोडणा–ओंडण, कुवली-कुंवळ, कालवण–, वआण-आण वगैरे शुद्ध कोंकणी रूपाचे आसाची. भैरव, बेताळ हे गोंयचे मूळ दैवत आसून अजून तांचो प्रभाव गोंयचे धार्मिक जीवनांतु आसा.

हाजे उपरांत कोंकणीचे रूपदर्शन आमकां शके ११०९ चो–स. ११८७– परळ, मुंबय चे शिळालेखांतु जाता. ह्या लेखाची भाशा पूर्णपणान संस्कृत आसून अखेरची दोन वाक्यं मात्र कोंकणींतु आसाची. "अथ तु जो कोणुह्वुवि ए सासन लोपी तेच्या वैद्य-नाथदेवाची भाल सकुटुंबी आपडे । तेहाची माय गाढवें झविजें ।।" हो शिलालेख उत्तर कोंकणांतु शिळाहार राजा दुसरो अपराजितालो मंत्रि अनंत पै-प्रभु कडचान कोत्रावचांतु आयलो. हे लेखाचे लेखांकन करताना "वैद्यनाथ देवाची भाल सकुटुंबिआ पडे" म्हण्णु थोडे इतिहासकार करताची. ती चूक आसा. योग्य "भाल सकुटुंबि आपडे" आसचाक जाय. कारण शापवचन सर्व कुटुंबाक आपुडता. आपुड हो शब्द कोंकणींतु विशिश्ट आसून तो कोंकणी ना जाणतल्यांक समज पडचो ना. हो सर्व लेख जरी संस्कृतांतु बरयलो तरी जेन्नां भावनावश जावनुं शापवाक्य उलोवचें आयलें तेन्नां मायभाशा तोंडांतु येवका, हें साहजिक. अनंत पैप्रभु हो कोंकणी भाशिक मनुश्य हें सांगचें आवश्यक ना.

ताजे उपरांत आमकां गोंयांतले फोंडा गांवातलो शके १२२१ चे तांब्यापाटेंतु कोंकणी भाशेचें दर्शन जाता:

१. स्वस्ती श्री साळिवान सक १२२१ वरुसां वरत्तमान सावरी संवदर श्रावण बहु
२. ळ ८मी सोमवारी तिम्मंतरी धर्माधमि मरिकु भौदुरु राज करीत आस.
३. तां अग्राहरं खाडेग्रामे वारातु श्री गणनाथा देवाचा देउळीं बइ
४. सिके नगर समस्त मळलेयाचा विवरु गोवें नगर पयिकीं सेटिया
५. नागसेटी जणु । तथा नगर पसिकीं गोमसेटी जणु । तथा भयिरसेटी जणु ।
६. तथा कायिसेटी जणु । तथा लखुसेटी जणु । यवं गोवेचे नगराचे निनमीं

७. जणं ५ नारवें नगर पसिकीं सेटिया विठल सेटी जणु । तथा नगर पयि
८. कीं सात सेटी जणु । तथा सोमसेटी जणु । तथा वजरसेटी जणु । यं
९. वं नारवे नगराचेनी निमिते जण ४ चवग यवं समस्त आमीं नगरानं
१०. वेरेकारासी अंत्रुजे भितरी अग्रारवेरें ग्रामे लकसेटी सिवा चांदसेटी
११. सिवा यिसर सेटिसी यवं जण ३ तीं वरगासी लघु नुडि थलादाने मान्य
१२. चावी नरुतं तुमी आमचे जाती समधाचा कारेयासि उपगा आलेत क
१३. वण कार्य म्हणाल तरी आमासी आणि सोनारासी सवादा होउलु
१४. हुणमारी जाले समधीं तुमी वेरेंकार आमचेया वाणियाचा समयाचे
१५. संमदी विदिसी तुमी वाणि समयासि यउनु भानु समेचा राकिला समंदी आ–
१६. मीं नगरा दोसी जानी तुमासी आमीदोंसी जा नगरात्तुजातीत्तु कार्यविहासीप्र
१७. सवो तुमासी आमीं दान मान लुगडीं विडा गंध आकेत दिधले सुमंधी
१८. धी भूसितां तथाहीं माने भूसितां यणें प्रमाणें प्रगु पायिले मानेण व
१९. नगर पयिकीं भोगावें दुसरें माने नारवें नगर पयिकीं भोगावें
२०. तिसरें मानें तुमीं आमा ओवरी भोगावें आमा दों वरगासिच्यां नगरासी
२१. सलु वेरेंतु कामानुपदें तितुका वेरेकरांसी भोगवावा तुमच्या जातप्रं
२२. जातान यणेचि पदेति भोगावे आमी वा आमच्या जातपरजातान यवचंद्र
२३. कं पाळावा लिहिलें प्रमाणें तुमीं वा तुमच्या जातपरजातान यावचंद्र
२४. पळावे लिहिले प्रमाणें तुमीं वा तुमच्या जातपरजातान यवचंद्र भोगावे
२५. वे म्हणउनु दिधला दानमानेचा सासनपटु होय भासेसाकी अग्राहारं कट
२६. –ळ ग्रामे नगर पयिकीं विठल सेटी जणु । तथा ग्रामें केतसेटी जणु । अग्राहा
२७. रं बंदवाडग्रामें बाळसेटी जणु । पारिकरु विठल सेटी जणु । तथा
२८. ग्रामे सांतसेटी जणु । यवं साकी जण ५ लिहित सेणवी कुळ–
तळी ग्रामे सारांतु आहे ता मांगसेणवी स्वस्ती दोप नगराचे दो प
२९. श्री गोमेनाथ देउ नारवे नगराचें दोस श्री सपत नाथा देउ साकी दो श्री क–
३०. पिलेस्वरु देउ श्री कपिलेसवरु देउ श्री नागनाथ देउ श्री गणनाथ देउ
३१. श्री नागनाथ देउ ............

हो लेख कोंकणाचे कुळागर—गोयांतलो आशिल्यान हांतु कोंकणीचे जायते शब्दरूपं दिसून येताची. स. १२९९ चे हे लेखावयर यादवाले राजदरबारांतु स्वीकृत मराठी भाशेचो प्रभाव थोडे जास्त दिसून येता. तरीपुण लेखाची भाशा कोंकणी हांतु संशय येना.

हे शिलालेखानंतर स्पश्ट रीतीन कोंकणी भाशेचो उल्लेख कोंकणाची भाशा म्हण्णुं पयलावयलें नामदेवालें गाथेंतु आमकां मेळता. नामदेव मुखारसरनुं कोंकणीं भाशेचो नमूनोबी दिताची. हे समयारि आमि लक्षांतु दवरका कीं ज्ञानेश्वर आनी नामदेव

समकालीन आसून तागेलो संबंध देवगिरीचे यादवाले काळांतु आशिलो. देवगिरीचे राज्यांतु कोंकणी उलोवचे लोक जायते प्रमाणान प्रभावित आसताले. तागेलो संबंध आयिल्यान नामदेवांक कोंकणी भाशेची तोंड ओळख आसचें शक्य आसा. नामदेव (इ. स. १२७०-१३५०) म्हणताची:

गोवळणी ठकविल्या । एक एक संगतीने
मराठी कानडिया । एक मुसलमानी
कोंकणी गुजराती ।
अशा पाच जणी गौळणी ठकविल्या ।

हाजे वयल्यान एक निश्चय जाता कीं ज्ञानेश्वर-नामदेवाले काळांतु मराठी आनी कानडी कशीं विंगड भाशा म्हण्णुं मानचांतु येताली तशींची कोंकणी आनी गुजरातीबी मराठी परस विंगड भाशा म्हण्णूं मानचांतु येताली. इतलेंची न्हंय तर ती भाशा कोंकणांतले कोंकणी लोकांली भाशा आशिली. मुखारसरनु नामदेव कोंकणी भाशेचो नमूनो दिता:

पावगा दातारा । पावगा दातारा ।
तूं नंदाचो झिलो । मांका फडको दी ।
मि हिंवान मेलो । घे माझो कोयतो ।
देवा पाया पडलो ।

हे लेखांतले कोंकणीचे विशिस्ट शब्दप्रकार लक्षांतु घेवचे तशें आसाची. उदारण: नंदाचो, माका, फडको, मेलो, माझो, कोयतो, इत्यादि.

हे तरेन कोंकणी भाशा एक विशिस्ट आनी स्वतंत्र भाशा म्हण्णुं ज्ञानेश्वर–नामदेवांले काळांतु आसताना ताजो विकास त्या वा मुखावयले काळांतु खंचे कारणांनी ना जालिलो उरत? सोळाचे शतमानांतु क्रिस्ती मिशनरींनी ती भाशा आपण्याले धर्म प्रसाराची भाशा म्हण्णूं वापरचे पयलें कोंकणी भाशिक हिंदू समाजान कित्याक ती वापरली ना ? तशें पळयल्यार ग्रंथरचना ही एक भाशेचे विकासाची पायरी दाखयता. आनी एक आदरणीय ग्रंथ भाशेंतु निर्माण जावचें पयलें त्या भाशेंतु थोडीं जास्त ग्रंथ जात उरता. भावनाप्रदान लोकवांग्मय आसूं शकता. वास्तविक त्या काळांतले अर्वाचीन भाशेंतु ग्रंथ निर्मिती विरळ आशिली. मराठी भाशेंतबी मुकंदराजान आपण्यालो "विवेकसिंधू" स. ११८९ तु बरयले उपरांत ज्ञानेश्वरी स. १२९० तु आयली. महानुभावांजले लीळाचरित्र स. ११९० तु आयल्यार नामदेवांली गाथा स. १२९७ आयली.

कोंकणीतलें विशिस्ट असले स्वरूप दर्शन आनी शब्दांची उपाययोजना आमकां स. १४१३ चे नागनाथ देउळ, बांदीवडें, गोंयचे शिलालेखांतु दिसून येता. गावाभितरी तांबिए, करुनु, घेउनु, तिळेल तेल, नारलेल तेल, मेजुनु, देउनु, वडे, घारीया, इत्यादि

शब्द दिसून येताची. त्या काळाचे भाशिक प्रभावाक लागून शिलालेखावयर संस्कृत आनी मराठी भाशेची छटा दिसून आयल्यार तांतूत आश्चर्य ना.

१. श्री गणाधिपतये नमः । नमस्तुंगशिरश्चुंबिचंद्रचामरचारवे ।। त्रैलोक्यं-नगरारंभमूलस्तंभाय संभवे ।।

२. स्वस्ति श्री सालवाहनसकु १३३५ वरिषं अद्य महाराजाधिराज-परमेश्वरश्रीवीरप्रतापदेवराय महाराय

३. विजयानगरी सुखसत्कथाक्रीडाविनोदे सकळराज्य प्रतिपालित असते काळीं त्याचा प्रतिहस्तु गो–

४. वे-सिंहसनी धर्माधर्मविचारपचु नंजणगोसांवी राज्य करिते काली विजयसंवत्छर पुष्य ब ३० र–

५. वौ अर्धोदयपुण्यकाली कुक्कळीग्रामे पुरुषसेणवयासुतु माइसेणैवैयासि बंदेवाडग्रामे

६. ग्रामपुरुषु रामनायकु । नागणनायकु । रामप्रभु मागेप्रभु । हे मुख्यप्रज सहित सम

७. थ ग्रामिचेनि दत्तः धर्मसासनाची भास एसि आमच्या गावाभितर गावा-भितरी श्री नागनाथदेवासनिधि गोपाळभ–

८. टा नावे वेदखंडिकेचे कुलाग्र प्राक् श्रीमांहालक्ष्मीदेवीसि अखंडज्योतिसि वर्षप्रतिवर्षं

९. तेला बारा तांबिए वेगळे करुनु त्याउपरी गोपाळभटान द्यावे टा २ तथ सूतु केशोभटा मळो कु–

१०. ळाग्र कटुवाण टा ६ पैकीं कार्तिक २ वादे द्यावा टा । उतउभाएजे टाक ३ समंधे तथा मांइ सेणवैया–

११. हु श्रीग्रामान रोकडे टा २० घेउनु तयाच्या कुळाग्रावरी आचंद्रार्कपर्यंत सहिरण्योदकदानधारा–

१२. पूर्वक करुनु सर्वनमस्य सर्वबाधाविवर्जित करुनुं दिधले तथा माइसेणवैएं आपुलिए भक्तिपूर्वक

१३. श्री नागनाथदेवासी वर्ष । प्रतिवर्ष कार्तिकपुनवे दिपमाळा जळूंचिये भासे आचंद्रार्कप–

१४. र्यंत तथा गोपाळभटान तथा पुनवेचां दिसि पर्वताच्या तांबिया येका प्रति सोळसिया १७ लेखिं

१५. तेला तांबिये तिनि समंध सोळासिया ५१ तिळेल नाहिं तरी नारलेल अथवा तूप भेजुनु देउळीं द्या–

१६. वें तथा दिपमाळेसि पणतियां ४०० वातिसि लाग तेतुकें सुत येतुकें गोपाळ-भटान देउनु दिपमा–

१७. ळ कराविं श्री नागनाथदेवासि रात्री महास्नानगंधधूपदीपउपहारा तंदूळा चौथ २ तुप सोळ–

......इत्यादि.

आमीं बयर सांगल्या कीं कोंकणी समाजावयर पंढरपूरचे वैशणव संप्रदायान आनी ताका लागून मराठी भाशेंतले संतसाहित्यान जबरदस्त मानसिक प्रभाव घालिलो. घरोघर ताजो प्रभाव अजून दिसून येता. ताका लागून कोंकणी भाशेंतु मराठी ग्रंथांतसली ग्रंथ निर्मिती जाली ना. वास्तविक जशें पयले काळांतु धार्मिक ग्रंथांची निर्मिती केवल संस्कृत भाशेंतु जाता म्हण्णु मानचांतु येतालें तेची तरेन पंदरावे-सोळावे शतमानांतु धार्मिक ग्रंथांची निर्मिती मराठी अभंग स्वरूपांतूची जावू शकता म्हण्णुं एक चुकीची कल्पना कोंकणी समाजांतु बावुरताली. ताका लागून जी कांय ग्रंथ निर्मिती कोंकणी लोकांकडचान जाली ती सर्व मराठी भाशेंतूची जाली शिवाय कोंकणी भाशेंतु न्हंय. मराठी संतसाहित्यान प्रभावित जालिलो असलोची एक नवो क्रिस्ती-ब्राह्मण फादर स्टीफनांक सोळावे शेकडयांतु म्हणता कीं जीं दौत्रिन पुस्तकं तो कोंकणी भाशेंतु बरयता तीं योग्य नासताना तीं मराठींतु आसका. कित्याक तर सर्व धार्मिक ग्रंथं मराठींतु वास्तविक आसाची. तो म्हणता,

"पण हे दौत्रिनी वांचोनी अन । काहीयेक आगळें शास्त्रपुराण ।
जरि आमां करवितें पाठण । तरी होते चांग ।
जैसे तेआं तेआं दिपावतीं । देसपरिचीं पुराणे होती ।
तैसी पुस्तकें कां न मेळती । आमचां देसी ।
हा मोटा अभिप्रावो जि म्हणें । तुमि तरी बारिलीं मागिलीं पुराणें ।
तरि प्रतिपुस्तकें आमाकारणें । कैसी न करिती तुमीं ।
या पासोनया जि आतां । जैतियांच्या पुराणकथा ।
नवेआ क्रिस्तावांच्या चिता । आठवति देखा ।
जरि मराठिये भासेचीं काहीं । शास्त्रपुराणें होतीं आमां ठांयी ।
तरी लोकाचा मनोरथु पैं । पूर्ण होतां ।"[१३]

हीं उत्रं फादर स्टीफनाक मानवलीं. आनी ताका लागून ताणें आपण्यालें क्रिस्तपुराण मराठी भाशेंतु रचयलें. पणून स्टीफनाले कार्य क्रिस्त धर्म प्रसार करचें आशिलें. आनी गोंय तागेलें केन्द्रस्थान आशिलें. म्हण्णु ताणें कितें केलें? "हें आ पुराणाचा फळु बहुता जनांसी सुफळु होउंसी, काए केले, मागिलेआं कवेस्वरांची बहुतेकें अबवडें उतारें सांडुनु सांपुचेआ कवेस्वरांचिये रितु प्रमाणें आणियेके सोपीं ब्राह्मणांचे भासेचीं (कोंकणी भासेचीं) उतरें ठाईं ठाईं मिसरित करुनु कवित्व सोपें केलें."[१४]

संदर्भ अवशेशांवयल्यान दिसून येता कीं मिशनरींनी कोंकणींतु पयलावयलें पुस्तक "दौत्रिन" १५५६ चे सुमाराक बरयलें. ताजे पयलीं कोंकणींतु साहित्य निर्माण जात आसका. ना जाल्यार त्या भाशेंतु "दौत्रिन" तयार करची जरूरियात मिशनरींक

भासनाशिलीं. कदाचित् गोंयचे लोक कोंकणी सामान्यरीतीन वापरताले, आनी हीं कोंकणी पुस्तकं तांगेले नदरेक आयिलीं आसूयेत. ताका लागून त्याची भाशेंतु ते तांगेली पयली पुस्तकं बरयताले. फ्रौन्सिसेंट द लागून हो गोंयचान १५ सप्टेंबर, १५३० तु पोर्तुगालचे राजाक बरयिले पत्रांतु म्हणता, "क्रिस्ती धर्मांतु आयिले लोकांले काळजांतु ह्या धर्माचीं तत्वं जास्तन् जास्त बिंबित करचाक आनी तांका मुखावयले कामाखातीर तयार करचें जरूर आसा. हे कामाखातीर हांवे स्थानिक भाशेंतु (म्हळयार कोंकणी भाशेंतु) जालिले तितले भेगीन निशणात जावचो प्रयत्न करत आसा. म्हण्टकूच माका त्या भाशेंतल्यान उत्तम रीतीन शिकोवचाक येत."[१५]

गोंयचो त्या काळाचो सुशिक्षित समाज म्हळयार ब्राह्मण—सारस्वत समाज—आशिलो हांतु दोन मत नांची. सामान्य निरक्षर लोकांक धर्मांतर करताना ह्या ब्राह्मणांलो विरोध मिशनरींक सहन जायनाशिलो. म्हणून ब्राह्मण समाजाचो वर्चस्व कमीं करचाक तांगेली पुस्तकांचो नाश करचो उद्देश आशिलो. गोंयचो पयलो बिशप दों जुवांव-द-अल्बुकेर्क हाणें पोर्तुगालचे राजाक बरयिले पत्रांतु तो एक हिंदू ब्राह्मणाले घरांतल्यान हे तरेन पुस्तकं जप्त केलिलो वृत्तांत दिता.[१६] हांका लागून ते काळांतु कोंकणी वा इतर देशी भाशेंतले ग्रंथ संग्रह दवरचांतु भय आशिलें.

व्हिकर पाद्रि मिगेल व्हाज १५४५तु बरलिये एक पत्रांतु म्हणता, "शेणवीं नांवाचे जे ब्राह्मण आसाची, ते स्वत: तर धर्मांतर जायनांची पणून दुसऱ्यांकबी जावचाक दीनाची. ताका लागून ते क्रिस्ती धर्माचे कट्टर वैरी आशिल्यान तांका जालिले तितले भेगीन गोंयचान भायर घालका."[१७]

हे तरेचे पोर्तुगीस मिशनरींनी साहित्य नाश केलिले विशय डा. गियर्सन म्हणता, "पोर्तुगीसांनी गोंय आक्रमण करचें पयलीं थंय कोंकणी भाशेंतु देशी भाशेंतु बरेंचशें साहित्य घडिलें अशें म्हणतांची. पोर्तुगीसांनीं क्रिस्तांव धर्म रिगोवचो नेम धरलो आनी मागशेची हातबरपांतु मूर्ति पूजनेचो धर्म भरला म्हणचे समजूतीन तीं जळनु काडलीं. पाद्रींनीं जेन्नां देवळां जळनु काडलीं तेन्नांची हीं पोरनी पुस्तकं नाश जालीं. ताका लागून आयज तांचो अवशेश दिसून येना. ताणीं ती भाशाबी नाश करचे हावेसान एक वटहुकुम काडलो आनी १६८४ पासून देशी वेव्हार कोंकणी भाशेंतल्यान मना केलो."[१८]

जे लोक क्रिस्ती धर्माचे उदरगतीक हात भार लायनाशिले तांका गोंय सोडनु भायरचे देशांतु वचचें पडलें. हे तरेन जे गोंयकार भायर सरले तांतूत सारस्वत ब्राह्मण जास्त आसचें साहजिक आशिलें. फिलिप सासेती नांवाचो एक इटाली देशाचो वेपारी आपण्याले ९ नोव्हेंबर, १५८५ चे पत्रांतु म्हणता, "गोंय हें पूर्विले काळापासून विद्येचे कुळागर म्हणुं प्रसिद्ध आशिल्यान हांगाचे हिंदू लोकांपैकी जास्त करनु उच्च वर्णाचे लोक विद्यापारंगत आसचें साहजिक आसा. पणून ते लोक आतां दुसरे देशांतु वसणूक करचाक गेलिल्यान गोंयचे सौंदर्य, तांतुतली श्रीमंती आनी वेपार ह्या सर्वांक

अवकळा आयल्या. हे लोक हो प्रदेश सोडनु विगड प्रदेशांतु रावचाक वच्चें कारण म्हळयार तांचेरी करचांतु आयिली धर्मांतराची सक्ती आनी तांगेले धार्मिक संस्कार करची आनी धर्मशास्त्रांची पुस्तकं वाचचाक घातलेली बंधन आसाची."[१९]

हे तरेन स्थळांतर जावचांतु आयिले घराण्यांतु कोचीन बाजून गेलिले जवळ जवळ तिनशे कुटुंब आशिली. ह्या कुटुंबांत एक कुटुंब कामत हें उपनांव धारण करत आसून ताणें कोची पासून सुमारे दोन कोसावयर आशिले "अंडिक्कडव" गांवांतु आपण्याली वसाहत बसयिली. ताणें येताना जें भागराचे मोहन्यो हाडिले ते व्हांवचाक दोनशें मजूर लागलें म्हण्णु दंतकथा आसा. दुसरो एक घराण्याचो मनीस म्हळयार "पै" नांवाचो गृहस्थ. ताणें कोचीपासून बारा कोसांवयर आशिले "बारापळ्ळी" गांवांतु बसणूक बसयली. म्हाळपै, बाव प्रभु असलीं अनेक नांव आमकां ह्या घराण्यांतु मेळताची. हे लोकांनी आपण्याबरोबर आपण्याली संस्कृती, धर्म, भाशा आनी रीत रिवाजवी व्हेलें. म्हैसूरचो टिपू सुल्तानाक इंग्लिशानी हरयलें नंतर तांगेलो एक अधिकारी जोन लेयडन केरळांतु प्रवास करतालो. तेन्नां ताका थंय निवास करचें कोंकणी लोकांली भेट जाता. तांचे विशय तो म्हणता, "कोंकणी ब्राह्मण महाराष्ट्रांतले ब्राह्मणांपरस सामके वेगळे आसाची. कोंकणी भाशा बी मराठी भाशे परस सामकी वेगळी. हे भाशेंतु भागवत, लिंगपुराण, रामायण, भारत इत्यादि भाशांतर केलिले आसून हे ब्राह्मणांकडेन असले अनेक ग्रंथ आसाची. उदारणेक वीरभद्र चरित, परशुरामचरित इत्यादि....."[२०] ग्रियर्सनान संवोधिले कोंकणी ग्रंथं हींची आसची साध्य आसा. जाल्यार ह्या ग्रंथांचो अवशेश आयज केरळांत नासल्यार ताजीं कारणं कोंकणी लोकांली कोंकणी विशय आशिली अनासक्ती म्हणयेत. कितेंयी उरो. आयज थोडी तरी पुस्तकांतले उतारे प्रातिनिधिक रूपान आमकां पोर्तुगालचे ब्राग शारांतले म्युझियमांतु मेळचे कृष्णदास शामाले कथासंग्रहांतल्यान मेळता. हो कृष्णदास शामा गोयांतले साश्टीचो आसून ताणें मराठी भाशेंतवी ग्रंथरचना केलिली आसा. तागेले कोंकणी भाशेंतले कथासंग्रहाचो नमुनो म्हण्णु उतारे सकयल दीवयेत.

"भीस्मु मंत्रया-प्रधाना लागीं उलेलो : "आमंच्या बापाक अस्त्रयेवीण जीवाक सुख नीं, माहा चिंताक्रांतु : तरी आतां तंव येकि कन्या तूर्तचि जोडीन" म्हणोनु आपुल्यां राज्यांतलो घोडे-हस्ति-रथ-पायदळ चतुरंग सहिन्या सहित भायर पडलो. इतुक्या मार्गावरी वेतां, येका समुद्राचे तारीं सुगंधु परिमळ् येंव लागलो. त्या परिमळाच्या लब्दान राव व समेस्त सहिनें वेदलें.

तंव रायान प्रधाना पासीं विचारिलें : "कस्तूरी-चंदना सारिखो परिमळू जो येता तो खैंचो?" तें उतर आयकूनु प्रधानान आपुल्या शेवकांक निरोपु दिलो: "कोणी कडे कोण देवस्थान आसा, खंय बरव सुगंध पुस्पांचो ठाव आसा? तरी तुमीं ठांय घालुनु वेगीं या."

तें उतर आयकुनु शेंवक धांवत गेले ते समुद्रा तीरीं सोदूं लागले. सोदितां सोदितां त्या समुद्राच्या तेवावरी येकु नेंवाडू—म्हणजे तीरी तारी उतर्तलो—ताची ती कन्या महा स्वरूपी सुंदरी, त्या शेवकांनी देखिली. तिचे आंगीचो सुगंधू परिमळू, त्या परिमळाच्या लब्दाक भोवरांचो रण जुणुकारू अंत्रोखेजिति. तावळी ते शेवकांनी देखुनु तिचे लागीं विचारिलें : "तुं कोणाची कन्या? हें सर्व वर्तमान आमकां सांग."

तावळी ती तांचे लागीं उलंव लागली, "मजो बापु खारवो, हांव ताची कन्या. पैलें मजे नांव मछगंध : येकु गांवभरी मजे आंगीची पोरटणी—जैसी मासळयेक हींवसाणी येता—तैसी येताली. तावळी ह्या मार्गानि येकु रूसी परस्परू म्हळ्ळलो तारी उतारनु वचूंक आयललो. तावळी मजो बापु खारवो अरण्यांतु गेललो. हांव येकलीची ते तारी लागीं . . . लागुलीं. माका देखुनु तो रसेस्पोरू वेगीं पलतडी थान म्होणु . . . लागय. तावळी हांवे म्हळें, "मजो बापु येनु उतारीत. हांव कन्या, कैसे होडें उतारूं ? "

तावळी येकांतुवासु देखुनु, तो रूसी आपण्याक भोगु लागलो. तावळी हांव भयभीत होवनु लाजिलीं. तावळी तो रूसी बोलूं लागलो, "वेगी. तूं माका भोग दिसी, तरी बरें. नां तरी तुका स्रापुनु भस्म करीन ! " तें उतर आयकुनु हांवे ताचें लागीं बोलिलें, "हांव कन्या, भोगु दींवंक नेण." तावळी ताणें म्हळें, "तुका बरवी पंदरा हो सोळा वरसांची सोवासीन करीन."

तावळी हांवे म्हळें, "दिसाचो भोगु दींव नये. समेस्त देव-चंद्र, सुरीया, समुद्र उरखे, वावतार—देखतांची. हांव तुका कैसे भोगु दींव?" तावळी ताणें म्हळें, "तूं भियेव नाका. त्या समेस्तांची दृस्टी आमीं भोगु करताना पडनासी हांव करीन. "म्हणोनु आटां दिसांक. कांमडिलियाचे उदक काडून उडैलें. त्या उदकान हींवार जावनुं अंधकारु पडलो. मनुशाक मनुश्य देखुं नये जालें. मग तो रूसी जें तप केललें इतुकेयें वचुनु नागावलो."

ऐसे हें मागिले वर्तमान त्या प्रधानाच्या शेवकांलागीं सुगंधेन सांगिलें तें आयकुनु ते आपुल्या स्वाम्या लागीं येवनुं सांगिलें. तें सर्व वर्तमान आयकुनु राव प्रधानांसी घेवुनु ते सुगंधेलागीं येवुनु समुद्राचे तीरी बैसलो. तिया बापा खारुव्याक आपोंक धाडिलो . . .

जेन्नां सर्व साधारण अर्वाचीन भार्शेतले साहित्य पद्यरूपान अवतरलें कोंकणींतले साहित्य मात्र जास्त करनुं गद्यांतु जालें. जेन्नां ही प्रथा पयलावयलें मिशनरींक दिसली तेन्नां तीची प्रथा ताणीं आपण्याले प्रचाराखातीर वापरली. थोमस स्टीफन्सान जेन्नां कोंकणी भार्शेतु आपण्यालीं ग्रंथ निर्माण केलीं तेन्नां ताणें गद्य वापरलें. आनी आपण्याले क्रिस्तपुराणाक त्या काळाचे मराठी रूढीक लागून पद्य प्रकार वापरलो. कोंकणींतले थोडे उतारे उदारणार्थ पोळोंवयां :

"सांता कुसाची कुरुः सांता कुसाचिये कुरुवेन, सोडय आमकां परमेस्परा आमंच्या द्रस्टांतले. बापाच्ये नांवी. आनी पुत्राच्ये, आनी स्पिरिता सांताच्ये. आमें जेजूस."

"आमंच्या बापा: आमंच्या बापा, तूं स्वर्गी आससी. तुजें नांव थोर जांव, तुजे राजे आमंका येव. तुजी खोसी जैसी वैकुंठा जाता, तैसीची संसारांतु जांव. आमंचो दीसपडतो ग्रासु आजी आमंका दी. आनी आमंचो पातकां भगसी. जैसे आमीं आमंचेरी चुकल्यांक भगसितांव, आनी आमंका टाळणिये वड्ं दीव नाका. पण जें कांय आमंचेरी वायट विघ्न येता. तें निवारी. आमें जेजूस."

"शेरण येतांव: शेरण येतांव तुका राण्ये, काकुळतिच्ये माते, तूं आमंच्या जीवाचें अमृत, तूं आमंची भरवंसी, तुका शेरण येतांव. आमी परदेसीं परदेसियां ऐवची बाळकां, ह्या दुखाच्यां कोंडांतु आसतां हास्कार-हुस्कार सोडुनु, रुधन करूनु, तुका कुळाहाळ् करितांव. तरी तू आमंचीं सखाय, ते तुजे कणिवळ डोळे आमंचे वरी पतिगे माये, आनी ह्या परदेसा उपरांते तुज्यें कुसिचें सुफळ फळ जेजूस आमकां दाखय. ये शांती. ये कणिवाळी. ये दुलेवी. सदा अंकुवारी मारिये, सदा परस्पराचे माते !"

"सतेमानिता :– सतेमानिता परमेस्परा बापा सर्व हुकुमदारा स्वर्गीच्या वा प्रथुमिच्या रचणाराक. आनी जेजू क्रिस्ता ताच्या पुत्रा, येकचि आमंच्या स्वाम्याक, जो स्पिरिता सांता वरवनु गर्भी संभवलो अंकुवारी मारियेच्ये कुसींचो जल्मलो. . . . क्रुसावरी जोडिलो मेलो आनी निरवेपिलो. लिंबा डेविलो, तिसऱ्या दिवसा पुणती जीवंतु जालो. स्वर्गी चडलो. सर्व हुकुमदारा परमेस्परा, बापाचे उजुवियें हातीं बैसला. थंय ठावनुं जीच्या जीव्या मेलेल्यांक मनुसुवी करूंक येतलो. सतेमानितां स्पिरितां सांताक, सांत इंग्रेज कातोलिक, भग्तांचो येक्तारु पातकांचे भगसणें कुडिचें रेजुरेयसांव, आनी अखंडित जीणें. आमें जेजूस."

हे तरेन फादर स्टीफनान क्रिस्त धर्म प्रचारार्थ कोंकणीचो उपयोग करचें पयलें संत झेवियराले आदेशानुसार क्रिस्त धर्माचो प्रसार ताजे पयलें पासून कोंकणींतु जातालो. संत झेवियर स्वत: आंपण्वालें प्रवचन गोंयांतु कोंकणी भाशेंतु करतालो. हे रीतीन उत्तेजन मेळिल्यान पयलावयलें ख्रिस्ती दौत्रीनाचें भाशांतर कोंकणी भाशेंतु १५५६ तु केलें. जाल्यार हाजो लेखक मात्र कोण आसू शकत म्हण्णु आतां सांगचें कठीण जाल्यां. स्वत: स्टीफनाले दौत्रीन ताणें इ. स. १६२२ तु गोंयांतु प्रसिद्ध केलें. ताजे उपरात ताणें आपण्यांलें "आर्ति–द–लिंग्व कानारी" म्हळ्यार कोंकणीं भाशेचें व्याकरण रचयलें. हाजी पयलीं आवृत्ती गोंयचे रायतूरचे सेंट इग्नेशस् कोलेजांतु १६४० तु उजवाडाक आयली. स्टीफनान बरयिले ह्या व्याकरणांतु नंतर पाद्री दियागु रिबैरु इत्यादींनीं भर घातली. ताका लागून ह्या व्याकरणांतु स्टीफनालो हात कितलो आनी दुसऱ्यांलो हात कितलो आसा म्हण्णु सांगचे आतां कठीण आसा. तशें पळयल्यार भाशेचें व्याकरण रचोवचें हे भाशेचे विकासाचे दिश्टीन एक म्हत्वाची पायरी आसा. भारतीय आधुनिक भाशांचे व्याकरण बरोवचें कार्य मिशनऱ्यांनी केलें हांतु संशय ना. पयलें व्याकरण बरोवचांतु येवचें श्रेय कोंकणी भाशेक मेळका ही अभिमानाचीं गजाल जावनु आसा.

स्टीफनाले दौत्रीनांतु भर घालचे आनी व्याकरणांतु मदत करचे त्या रिवैरुन कोंकणींतु स्वतंत्र साहित्यबी रचयल्यांची. हाणें कोंकणींतु एक कोश १६२६ तु रचयलो. ह्या कोशांतु कोंकणी भाशेंतले वेगवेगळे शैलींतले शब्द आसून तो कोश सुवाच्य आनी सुंदर अक्षरांतु बरयिलो आसा. सद्यां हो कोश गोंयांतले सरकारी वाचनालयांतु आसा.

रिवैरुलो दुसरो म्हत्वाचो ग्रंथ म्हळयार "क्रिस्तांवांचे दौक्त्रिनिचो अर्थु" आसून ताजी पयलीं उत्रां भोवम्हत्वाचीं आसाची. ताजो उतारो दिल्यार स्पश्ट जायत. "हे कातिलीचे आरंभी माका मनां आइलां. नव्या क्रिस्तावांक पण भोउ करुन् कोंकण्यांक समजावंच्याक कि तांतु जें लिहिलां, तें वाचितल्यांक, होव् वाचिललें आइकताचि हें नांव वैकुंठ नांवाडिलल्या बग्ता, तें आणि कांय न्होंय् बगर ज्या आस्थनांतु सत्यवंतु परमेस्परु आस, वा आपुल्या भग्तांक सद्रुस्ट प्रघटता, तेचि सदैव आस्थान कळता. तेणें प्रमाणीं पाद्रि नोसाच्या बोरसांवांतु जें म्हळां, म्हणजे तुजी खोसी जैसी वैकुंठा जाता, तैसीची संवसारांतु जांव् म्होण् म्हणताची. तावळी तेंची आस्थान, वा केवल वैकुंठ कळता. फिरेंगे भासेन आमि ताका पराईजु म्हणतांव. हे जाणापजाण ह्यांवे आधीं केलां, कित्या कोंकणे मनुस जे आसति, ते वइ, आपुल्यां लटिकां देवां देवस्थानांचे सुआतेक वैकुंठ म्हणताति. . . . . ."

रिवैरुले लेखनांतु कल्पनेचें वैभव अचूक दिसता. उदारण, "जेणें प्रमाणीं येक घर बांदूचें जाल्यारि, पइली बुन्यादि घेउंची, मागिरी वोणती उभारुंच्यो, सेवटी सिवचे, पण हें इतुक करुंच्याक कारागिराइकाचीं कांइ येका आइदानां जांइ, तेणेची प्रमाणीं आमंच्या आत्म्यांतु सगुणाचें घर बांदूच्याक भावार्थु जाओ, तो बुन्यादि म्होण्. भर्वंसो जाओ, तो वोणतो, कारिदादि जाइ ती सेज म्होण्. आइदन्नाई जाइ, तीं म्हणजे सांत साक्रामेंत."

" कोण् येकु येका आस्यांतु आपण्याक पळेता तावळी, तैसेंची आपुल्या सारिख्याचें येक रुप निपजैता, आणि ऐस्या परी ताचें सारिखें, कि ताका, वा रुपाक कांइ अंतर दुस्टी पडना; येणें प्रमाणीं तुवें मना हाडुचें कि परमेस्परान आपुलिए देवमतिच्या डोळ्यान आपुल्या देवपणाच्या आस्ट्यांतु आपण्याक पळेल्यान, आपण्या सारिखे येक स्वरुप निपजैलें; तंव त्या स्वरुपाक परमेस्परान आपुलें सगळें तत्व, सगळें देवपण दिलां देखुन्, तें देवस्वरुप परमेस्पराची निजु पुत्र."

क्रिस्ती धर्माचे ह्या परंपरेंतलो अभिमानास्पद वारसो म्हळयार पाद्री मिगेल-द-आलमैद (१६०७-१६८७) हागेलें पुस्तक "वनमाळयाचो मळो" सर्वात सुंदर आनी कोंकणी साहित्यांतली अेक आकर्शक कृती म्हणयेत. हांतु सेंट मेरि, जीसस, सेंट पीटर इत्यादि संताले बिशय कथन आसून हीं प्रवचनं रसाळ आनी परिणामकारक आसाची. तांतुतले अलंकारिक भाशेचे दोन उदारण दीवयेत.

" हो स्वामी तरी निर्मळु, नितळु, निस्कळंकु आरुसो, अखंडिती दिप्तीची प्रभा, कांती, वा स्वरुपाइ, मुगितचा प्रज्ञळिति, वा दीपपंजी दीवटी, अनाथसिधा

IESVS MARIA

# ARTE DA LINGOA CANARIM

COMPOSTA PELO PADRE Thomaz esteuaõ da Companhia de IESVS & acrecentada pello Padre Diogo Ribeiro da mesma Cõpanhia E nouemente reuista, & emendada por outros quatro Padres da mesma Companhia


Colleg. Roman. Soc. I.

IHS

Com Licenca da S. Inquisicam & Ordinario em Rachol no Collegio de S. Ignacio da Companhia de IESV Anno de 1640.

आर्त-द-लिंग्वा कानारीन-

स. १६१० तु राचोल, गोंयांतु
प्रसिद्ध जालिलें पयलें कोंकणी व्याकरण



DEVAPVTRA-

CHEAZALMAVARAV.

वनमाळ्याचो मळो.
फादर मिगेल-द-आतमैदांन
स.१६५८तु बरयिलें
कोंकणी पुस्तक



ACHARYEVANTA

भक्त अंतोनिचीं
आचर्या
स.१६५५

देवबापाचें तत्वादिक स्वरूप, ह्या स्वामिया ठाई आमीं भोउतेक पळंवचे, वा देखुंचे आस."

"हियें वेळी समग्री पक्षप्रजाती संवच्यानीं आपुले मायेन वजिलें, समस्ति मोनजाति आपुलिए कडे वोगिचि राविलीं; रुखां रुखस्थळांचें येक पान मुख्य हाल नास्तां सर्व थंड पडलें; झरी, व्हाळां, न्हईच्या उदकाचें नाद थांबले. वाऱ्यान आपुल्या झडा मोडाचो गर्झरु आडवानु धर्लो! सर्वंइ आपुलिए रितुचें भ्रमण खळुनु, स्वस्त सावकास होउनु वर्तली "जेसु क्रिस्तान जल्माक आयिले क्षणाक जी परिस्थिती बेथलहेमांतु आशिली ताजें वर्णन ह्याजे पेक्षां दुसरे खंचेतरेन करूंयेत? "मध्यानी रात्रीची घडी दिवसाच्यां दों प्रहरांच्या दिप्तीप्रकासा होउनु आदिकतारी तेजपुंजी जाली. जावळी समस्ती रचनवस्तु, मोहन धर्नु स्वस्त सावकाश थंडी रात्रीची वेळ भोगुनु आसिल्योति, तावळी आंकुवारिचे अंतस्करणिचो येकु देवाचो पुत्र, ह्या नव्या संवसारांतु जल्मलो, वा निपजलो."

देवान मनुश्याले रूपांतु जल्म घेवनु येवका हेंची पाद्रि आलमैदाक एक आश्चर्याची खबर जावनु आसा. तो म्हणता,". . . . संव्साराचो आकारु देखुनु, हांव अज्याप जाइनां, आणि प्रथुमिचे स्थापण, वा दृडाइ, इतुल्यां भ्रमणादिकां स्वर्गानीं मधें घाल्नु वेडिली आसतां, स्थिरी आसिल्यान अतोज पावनां, आणि येक दिवस सर्नु आणियेक दिवस लागुनु वेळा कालाक पलटु जाउनु ते त्या कालामधें येकेकि वस्तु सुकताति येकेकि पालेवनु लवलविति जाताति, येकि मरताति, हेरी जीताति, ह्या इतुल्याचेइं माका काइंचि नवल दिसनां; येकचि येकी अंकुवारिचे कुसीं देउ समवलेलो देखुनु हांव विस्मित जाउनु पडतां. सर्वप्राप्तु देउ येकी येदिए लाह्यानी, वा असिरि सुआतांत आविळतु जालेलो देखुनु माका विपरीत नवल दिस्ता. देवसह्यान रग्त मांव्श घेतलेलें देखिल्या निमितीं माका अविस्ट वाटता: देउ निराकारु आत्मतत्वु जाउनु, ताणें कोणि प्रमाणीं देहादिकि व्हेसपणी घेतली म्होणु माका थोक पडलां . . . . . ."

देवमाता मेरीले प्रति जी प्रार्थना स्टिवॅन्स बरयल्या ती हिंदू प्रार्थनेच्या धरती-वयर आसा. "नमो स्वामिणी मरिये, कृपाभरिती, नमो अंकुवारी समस्ति स्त्रियां होउनु माहा पवित्री, नमो तेजपुंज नक्षत्रा, ज्या वरऊनु सत्य सुरियु क्रिस्तु आमंचो तारकु जल्मलो: नमो दिप्तिभरिते अंकुवारी वा माये : नमो तुं आचरियेपणि सर्वंइं रचनेचो स्वामि प्रसंवलिसि : नमो तुं संवसाराचे सोस्त, सुख संतोसु, वा प्रणामु : तुं भोइव्याची तुस्ती, प्रांफेतांचे गायेन, तुं भग्तांचो मुकुटु, स्वर्गिचो सुंघारु, तुं सगळिये प्रथुमिचें अचरिए : नमो दुखियांचे वुजाविणि, सुखां संतोसाच्या मुग्तिस्थळा नमो जिणिच्या वृख्या, तुं भावार्थाचें कोट : व्यादिस्तां रोगियांचो प्रणामु : नमो परमगतिचे पेंठे तु भरवस्यांचो सेवटु, आमंच्या सर्वंइ वरव्याची सिम : नमो कृपेची झरी, तु कस्टा, आकांता, दुमाळया पडलल्यांचो धिरु, तुं पापियांची सारथिणि, अमां समस्तांई खातिर देवाक विनति करि; आणि ह्या परदेसांतु जितल्या परदेसियांची आठव् सांडु नाकासि."

पाद्री आल्मैदाले उपरांत आयिलो जेजुइत म्हळ्यार आंतोनियु-द-सालदांज. ताणें कोंकणी आनी मराठी भाशेचो अभ्यास केलिलो आसून तागेलो कोंकणी भाशेचो व्यासंग सखोल आशिलो. "पादुवा म्हळल्या शारांतल्या सांतु आंतोनीची जीवित्वकथा" ह्या तागेल्या ग्रंथाचे सुरवातीकची तो भारतीय लेखनशैली रीतीन सांतु आंतोनीक नमस्कार करता आनी ग्रंथ बरोवचो आशय सांगता. "ग्रंथ जे बरौताति, ते कोणुइ नरी येकु माहा थोरु, विरु, सुग्रमि कुळिग्रेचो किर्तिवंतु, येसगुणि, नांवाड्गो पळेताति. आपणें केलेलो ग्रंथु, नाका भेटंवक, वा ताच्या आधारा खाल करूक." ह्या दिश्टीन लेखकाक सांतु आंतोनीपेक्षां दुसरो "माहा उतमु येसादिकु दुसरो दिसून येना." सांतु आंतोनी हो "माहा उतमां पुरुसांचो पुत्रु. . .सर्वंइ गुणि संपुर्णु, बतिसलेखणिकु, माहा किर्तिवंतु, भग्तिवंचळु गर्जवंतांचो सारथी" आसा. मुखारसरनु सांतो आंतोनी विशय लेखक म्हणटा, "समेस्त परमेस्पराचे भग्त मनुशा ठाई काकुळतिसार जावनुं आसति होय, सत्य मनशांखातिर परमेस्पराक विनंति प्रार्थना करिताति होय, पण दयाळु भग्तु सांतु अंतोनियु जैसो मनुशांच्या सुमरणाक, गर्जे आकांताक वेगीं पावता, तैसो कोणु पांवना; आकांती, वा जुगांतकाळीं कोणांक उपेखी नां, ताचें सुमरण करित खेवीं,तैसोचि तो पावटा; आमि ह्या नासिवंता संसारांतु आसंव्, तंवपरिएंत्र, गर्जातुचि आसवं. गर्ज नासी कोणाक नां, आमंची गर्ज टाळिसो, आमंचे गर्जे बोबेक पावसो, आमंच्या कार्याक उभो रावसो, मजतिवारु सारथी जाओ, सांतु आंतोनी सारिखो दयाळु शाखारी सोदिल्यारि सगळ्या विस्वांतु आणिएकु कोणु मेळना, हें सत्य सत्य म्होणु, सर्वंइ लोकाक दाखौंच्याक हो तागेल्या विपरितां आश्चर्याचो ग्रंथु बरेला. तो वाचिल्यारि आंदळयाक डोळे, मेलेल्यांक जिवदान, मुक्यांक जिब, बळ्ळिकेच्यांक भलाय प्रणामु, भैन्यांक आइकणें, थोंटया प्रागळ्यांक हातपाय, आकांतल्यांक मजति आधारु सातु आंतोनीच्या पुण्यान मेळ्ळो, सविस्तर दृश्टी पडलता."

हो ग्रंथ बरोवचांतु सालदांजचो जो हेतु आशिलो तो ताणें परत परत आपण्याले ग्रथांतु सांगिलो आसा. तो म्हणता, "ह्या सुफळा भग्ताचें सुमरण चिंतन गर्जेचे वेळें करितल्यांक धिरु जावंक्, वा सर्वंइ लोकांक, तसले उपकार लाभुंच्याक हो ग्रंथु भग्ताच्या धर्मान संपादिला." किंवा "हो माहा कृपाळु भग्तु सांतु आंतोनियु आपुलि भग्ति सेवा करितल्यांक माये बापापासि आदिक मोगाळ जावनु साबारां प्रकारि राखुनु संभाळित तचेवेळें मरण चुकैत."

भाशा शैलीचे नदरेन सालदांजाले लेखन पळयल्यार, तांतु वर्णन, अलंकार, उपमा दृश्टांताचे अनेक नमूने आमंका कितले सरळ आनी रसाळ आसाची हें लक्षांतु येत. उदारण दिवचाक थोडे उतारे पोळोंवया.

"भग्ता सांतु आंतोनिच्या पुण्यान परमेस्परान येकु भुर्गो जो बुडुन मेलालो, ताका जिवो केलो.

"ज्या मुस्तैरांतु सांतु आंतोनिची कुडि निखेपिलाली, त्या मुस्तैरा आसगडी

येकी विधवी बायलेचें घर आसिलें, तिए विधविगेरि येकुचि पुत्रु दोंतीं वरुसांचो आसिलो, ताची माय येकीं दिवसीं सांतु आंतोनिचें सुमरण चिंतन करूंक, आपुलो भुर्गो धारा निदाव्न् इग्रजेडे वचूंक गेली, वचूंचे फुडे घरिचें येरझारिक तिणें येका भाणांतु उदक भरुन् दवरिलें. आणि यो सर्व घरिचें स्वस्ताव्न् इग्रजेडे गेली. इग्रजांतु आसतानां, भोव् वेळ् तिका लागल्या पावसावत धारांतु निदाइललो भुर्गो जागव्नु उबटटलो, धारांतु खेळूंक गेलो. उदकान भर्लेल्या भाणालागी पावतचि, भितरि जरि पळे, तरी उदकांतु आपुल्या स्वरुपाचो भुर्गो आसिलेलो देखिलो. देखतचि त्या नेणरा भुर्ग्याक उदकांतु आणिएकु चेडो आससो दिसुनु, उदकांतु ताणें उडी घाली. भाण व्हड आणि तांतु साबार उदक आसिल्या पासावत, त्या उदकांतु तो भुर्गो बुडुन मेलो. ताचि आवै इग्रजे ठाउन् धारा येताचि जिएकडे आपुलो चेडो निदायललो थइं सामुकिचि ताकितिन वचुन् जरि पळे तरि थइं आपुलो चेडो नासिलो म्होणु कळवळलि. ताचिए सोधिक उताविळि जाउनु सगळे घर धुंडाळुन् उदकाच्या भाणालागीं पावली. तांतु जरि पळे परि आपुलो चेडो बुडुन मेलेलो देखिलो. देखतचि कुल्हाळु जो केलो तो सांगता नये. आपुले माथे भुमिक आळाव्नु कपाल पेटिलें, माथ्याचे केस हुमटाव्नु नाखटांनि सगळें तोंड विधारिलें, रुधन आणि कुल्हाळु भोव्चि करूं लागली. तिचें बोबेक सेजारी लोक पावलो. लोका सांगाति मुस्तैराचे फादि मुख्य पावले. समेस्त तिका बुजाइति, संभोखिति. पण तिच्यान दुख सांभाह्वना जाउनु, भोव्चि प्रकारि सांतु आंतोनिक उलो दी, देवाच्या भग्ता तूं माका पाव. साबारा प्रकारीं भग्ताक प्रार्थिताली. ती बापुडी जावळी सांतु आंतोमिचें सुमरण करूक इग्रजेडे गेलली, आणि गेल्या पासावत तिचो भुर्गो बुडुन मेलो. तावळी तिच्या आकांताक पावनासतानां सांतु आंतोनियु कैसो रावतालो आसिलो ? खिणभरि राविलो नां. तैंसोचि तिका पावलो. कित्या त्या समेस्ता लोका हुजिर तिए बायलोचो भुर्गो जो मेलेलो तो जिवो जावुनु आपुलिए मायेहुजिर उबठालो. आणि बोबेक आइलल्या इतुल्या लोकाहुजिर संतोसाचियो उडकियो दिव् लागलो ते विपरोत देखुनु ताचिए आवैक आणि बोबेक आइलल्या लोकाक जो आनंदु भोगलो त्या आनंदाक मिति ना . . . . ."

प्रतिभावान साहित्यिक सर्व साधारण आपण्याले वाचकांले मन आकर्शण करचाक वर्णन आनी अलंकारांचो उपयोग करता. सालदांजान ह्या लेखनांतल्यान' आपण्यालें कौशल्य दाखयला. उदारण:

"दु:खि आवय आपण्याले पुताले मरणान त्रस्त जालिल्यान देवाक सांगता, 'देवाच्या भग्ता, माज्या आकांताक तूं पाव. हांव दुर्बळी म्हातारी, युकुचि पुत्रु माका आसिलालो. तोची माति पडुनु तो मेलो. तोची माका पोसितालो. तो मजे मीतार प्रायेचो टेंकणो, मजो विसव् मजो मानु, मजें सर्व बरवें जाउनु आसिलो. ताचे व्रहित मज्यान संसारांतु दिस काडव नांति'."

सालदांजाली कल्पनाशक्ति इतली तरल आशिली कीं ताजो उपयोग मधून तो

करतालो. उदारण:

"जैसे सूर्यु उदेव् जातची अंधारु छेदुनु उजवाडु जाता, तैसेंची सांतु आंतोनिचि उतरां किर्णां मणिके ताच्या मनांतु भेदुनु पापाचो अंधःकारु, जो तांच्या मनांतु आसिलो, तो छेदुनु मुग्तिचो उजवाडु जाऊं लागलो. त्या उजवाडान तांचे मन पाल्टलें."

"जैसे पळेया कुडिक सिर, तेणेंचिप्रामाणें आत्म्याक फेभावार्थु. सिर बरें आसि-ल्यारि सर्वांग; वा सर्वांगाची अश्टांगा बरी आसति. सिराक कांय नासु, ओव् दुखि वेदान जाल्यारि सर्वांगाकाइ जाता."

"रायान धाडिललें द्रव्य, ठिकां माणिकां तांका भेटइलीं. तीं देखत खेवीं सर्पु देखिल्यारि जैसो मनुशु पळता, आणि बोब करिता, तैसाचि सांतु आंतोनियु त्या रायाच्या सेवकारि माहा कोपारुढ जाउनु, म्होणु लागलो. . . ."

"उज्यालागिं लाकुडाचे बळ जैसे चाल ना, तैसेंची सांतु आंतोनि फडें सैतानाची तंत्रां काइ चालनांति."

"आपुल्या पिलांक जैसि पखिणि जैसे संभाळिता, तैसो आमंचो सुफळु भग्तु आपुल्यां सेवकांक सांभाळुनु तांचो आधारु करिता."

"वागु देखिल्यारि जैसि गोरुवां पोटणिकचि पळताति, तैसेचि अग्निकोंडांतले वाग, सैतान सांतु आंतोनिचें नांव आइकतचि पळताति."

"जैसो सुर्यु उदेव जाल्यारि स्वजनु, आणि दुर्जनु पळे ना, बगर सामकोचि येउनुं समेस्तांवरि सारिखोचि पडता, तैसाचि भग्तु सांतु आंतोनियु समेस्तांवरि काकुळतिसारु जाउनु, दयेमायेन सर्वइ लोकाक मजति करता."

"गरुडु देखल्यारि जैसे सर्पाचें बळ मोडता, तैसेंचि सांतु आंतोनिचो सांभाळु मेळल्यारि सर्वइ व्यादिचें बळ मोडता."

हे तरेन जेन्नां गोंयांतु कोंकणी भाशेचे साहित्यांतु भर पडताली तेन्नां दूर केरळांतु कोंकणी लोकांनी आपण्वालेची रीतीन कोंकणी भाशा आनी कोंकणी संस्कृती सांभाळुनु दबरचांतु सहभाग आशिले. चौंदावे शतका पासून कोंकणी लोक वेपार आनी व्हडविकेचे हावेसान दक्षिणेंतले सर्व पश्चिम करावळीवयर पसरिले. तशे पळयल्यार कोंकणी लोकानी केरळ आनी मलबारांतु इतले प्राधान्यतेन आर्थिक, सामाजिक आनी राजकीय क्षेत्रांतु भाग घेतिलो कीं तांगेलो वर्चस्व न केवळ वेपारी म्हण्णुं तर राजकीय वर्तुळांतवी (उदारण डच्–पोर्तुगीसांले बरोबरचे राजकीय संबंधांतु) मुत्सद्धी, राजदूत म्हण्णुं लाक्षणिक रीतीन दिसून येतालो. पयलें पयलें हांगेले स्थळांतर जरी वेपाराचे आर्थिक आनी राजकीय कारणांनी जालें तरी नंतर पोर्तुगीसांले कालवटींतु धर्मछळांक लागून अनेक हिंदू कुळं गोंय सोडनुं केरळांतु वास्तव्य करताले.

ही सर्व कुळं जेन्ना देशांतर जालीं तेन्नां आपण्याले धर्मा बरोबर संस्कृती, भाशा, रीत रिवाजवी घेवनुं गेले, जाका लागुन आयचे कोच्चींतु आशिले कोंकणी

# DOVTRI
## NA CHRISTAM EM LINGOA BRAMANA CANARIM.

Ordenada amaneira de Dialogo, pera enſinar os mininos.

Cõpoſta pollo Padre Thomas Eſte uaõ da Companhia de IESVS. natural de Lõdres.

Empreſſa no Collegio deRachol da Cõpanhia de IESVS Anno. 1622.

दौत्रिक क्रिस्त –

फादर स्टीफन्सान

कोंकणी भाशेंतु बरयिलें पुस्तक

स.१६२२

लोकांलो संबंध अजून अनेक शतमानांउपरांतवी गोंय आनी आसपासचे प्रदेशाबरोबर आसा. हाका एक मुखेल कारण म्हळयार कोंकणी लोकांले आद्य कुलदैवत अजून गोंयचे मंगेशी, शांतादुर्गा, रामनाथी इत्यादि आनी तांगेली मायभाशा कोंकणी म्हण्णु मानिलें आसाची. डा. कत्रे हाणीं एक विधान केलिलें आसा कीं पोर्तुगीस मिशनऱ्यांनी कोंकणी भाशेंतु साहित्य निर्माण करचें पयलें गोंयांतु किंवा गोंय भायर कोंकणी भाशेचें साहित्य अशें कांयी दिसून आयलें नां. ह्याका अनेक कारणं आसाची. जाल्यार मुखेल कारणं हे दुसरे तिसरें काय नासताना कोंकणी लोकांतु आपण्यान स्थळांतर जालिले उपरांत दिसून येवचो भाशेसंबंध आळस. तरी पुण पोर्तुगीसांनी गोंयांतु आक्रमण करचें पयलें गोंयांतु कोंकणी सारस्पत नाशिलीं म्हणचें धाडस मात्र योग्य इतलेंची न्हंय, तर वस्तुस्थितीक लागून ना म्हणका. जेन्नां गोंयकार धर्मछळाक लागून कोच्चीक गेले तेन्नां गोंयांतु आशिले अनेक ग्रंथ ते आपण्याले बरोबर घेवनुं गेलिले. तीं ग्रंथं अनेक शतमानमेरेन तांगेली बारस जावनुं आशिली इतलेंची न्हंय तर या संबंधान तांका अभिमान आसतालो. जेन्नां जोन लेडन टिपू सुल्तानाले पराभवाउपरांत केरळांतु प्रवास करतालो तेन्नां ताका कोंकणी ब्राह्मणांबरोबर सहवास येता. या वेळार ताका ते लोक आपण्याले भाशेसंबंधी माहिती दिताची ईतलेंची न्हंय तर हे भाशेंतु बरयिलीं अनेक ग्रंथं दाखयताची. भागवत, लिंगपुराण, रामायण, महाभारत, वीर-भद्रचरित, परशुरामचरित्र असले अनेक ग्रंथांचो उल्लेख लेडनाले प्रवास वर्णनेंतु आमंका मेळता. हे निःसंशय आसा कीं ही सर्व ग्रंथं केरळांतु निर्माण जालिली नासताना कोंकण्यांनी मूळ गोंयचान देशांतराचे समयारि हाडिलीं. हींची तीं ग्रंथं जे विशय ग्रियर्सन आपण्याले लिंग्विस्टिक सर्वे आफ इडियांतु उल्लेख करता.

तशें पळयल्यार त्या काळांतु आपआपसांतले वेव्हारांतु केरळांतले कोंकणी लोक कोंकणी भाषा बी वापरतालें अशें दिसून येता. इ. स. १६७८ तु केरळचे तेंग वैद्यांनी कोचीचे डच् सुभेदार हेनरीकूस फान व्हीड–आंड्रिकि फांड्रे—हागेले आज्ञेवयल्यान "मलबारांतली हिंदी बागाईत" हो ग्रंथ संपादित करनुं दिलो. हाजे विशय जें शिफारस-पत्र ताणीं दिलिलें आसा ते कोंकणींतु आसून भारतांतु मुद्रित जालिलो भारतीय भाशेचो पयलो लेख होची आशिलो म्हणयेत. तो लेख हे तरेन आसा:

"स्वस्ति श्री शालिवाहन शक १५९७ राक्षस संवत्सर चैत्र बहुळ १० कोचि राजपाटणीं वैसिके रंगभट तथा विनायक पंडित आपू भट तेंग वैद्य तानीं कोचिचा कुमदोर आंड्रिकि फांडे त्याचा निरोपान ह्या मलबार देशांतु आशिले औषधमात्र वृक्षवालि झाड खंड ओळखतल्या मनुश्याक मुसारो देवून् ते ते गावांतु पेट्टवून तिं तिं वोखद आणवून त्यां त्यां झाडांचे फल फूल पान बीज समस्त त्या त्या रुतुकाळावरि संपादून तीं तीं चितारिलीं. त्या उपरांत आमि आमगेल्या वैद्यग्रंथाचा निघंटा प्रमाणीं त्या त्या ओषधाचे गुण वा अनुभवान जो जो गुण आमकां कळेलो तो वा त्या ओखदांची नांव पळेउन् आंजि दोन वर्ष सकाळी सांजे आमि लागि रावुनु हा लिव्रु संपादून दिला.

ते लटिक म्हणुंचाक नज अशि म्हण्णु आमि आमंचि निसाणि कर्णु दिलि. हे सत्य म्हण्णु मानुचे जाइद म्हण्णु नागर बरपान हें बरवुनु दिला. श्री.

रंग भटु विनायक पंडित आपुचे ओप.

ह्या लेखावयल्यान आमि दोन निश्कर्श काडू शकताची. पयलो निश्कर्श म्हळ्यार जे गोंयकार देशांतराकारणान केरळ प्रदेशांतु निवास करताले ते आपण्याली मायभाशा जावनु आशिले कोंकणी आपण्याले वेव्हारांतु वापरताले. दुसरो निश्कर्श : कोंकणी लोक आपणयाले भाशेखातीर सहजरीतीन देवनागरी लिपी वापरताले. आनी रोमन लिपीचो जो वापर जेसुइटांनी गोंयांतु केलो तो तांगेले वैयक्तिक कारणांक लागून केलो. उदारण आमि जाणताची कीं जेसुइटांनी आपण्यालें लेखन देवनागरींतु करचो प्रयत्न केलिलो. स्वत: स्टीफनान सासस्ट गोंयचान जेजुइत पंथाचे आपण्याले बरिश्ठाक ५ डिसेंबर १६०८ तु धाडिले पत्रांतु देशी भाशेंतु निर्माण केलिलें साहित्य देशी लिपींतची छापची इच्छा व्यक्त केलिली.[२१] तशें पळयल्यार गोन्साल्व्हिश ह्या मनशान "कानारी" (कोंकणी) भाशेचे लिपीचे पन्नास एक टाइप तयार केलिले म्हण्णु फादर शूरहेमर म्हणता. जाल्यार थोडेची काळ उपरांत गोन्सालव्हिश मरण पाविल्यान तें काम मुखार सरलें ना.[२२] ताजे उलट लिपी आनी धर्म प्रसार हांतु आशिलो लागींचो संबंध मिशनरी जाणताले. डेविड डिरिंजर आपण्याले पुस्तक "दि आल्फाबेट" हांतु म्हणता कीं जशें ध्वजाबरोबर वेपार वता तशें धर्मप्रसाराबरोबर लिपी वता. ही गजाल अरेबिक लिपी विशय जितली खरें आसा तितलेंची खरी रोमन लिपी विशय आसा.[२३]

तशें पळयल्यार जेसुइटांनी कोंकणी भाशेखातीर रोमी लिपीचो वापर जो केलो ताजे मागशीं आशिलो तांगेलो आशयबी ताणीं स्पश्ट केलो. मोनियर विलियम्स म्हणता कीं रोमी लिपी वापरिल्यान तो समाज क्रिस्ती धर्मप्रसारासकयल येत जो समाज सर्व साधारण येवचो ना. इंग्लिश वा पाश्चात्य भाशा शिकिल्यान तांगेलो विचारबी त्या भाशेंतु जाता आनी ताका लागून तांगेली वैचारिक पद्धतबी पाश्चात्य जावत. मुखारसरनु ते मानताले कीं जेन्नां हिंदू आनी इस्लामी ग्रंथ काळाक लागून नाश पावतालीं तेन्नां मुद्रित जालिलीं क्रिस्ती ग्रंथ शाश्वत उरतालीं.

ताजे उपरांत जेन्नां मुद्रणकला भारतांतु सर्व लिपींतु आयली तेन्नांबी कोंकणी पुस्तकं देवनागरी लिपींतु येतनासताना रोमींतची येवचाक लागलीं. आनी मंगळूरांतु कोडियाल बैल प्रेसांन जीं पुस्तकं प्रसिद्ध केली तीं बी त्या प्रदेशाचे लिपींतु केलीं शिवाय देवनागरींतु न्हंय. हे सर्व कारणांक लागून कोंकणी भाशेंतले साहित्य जे क्रिस्त बांधवांनी निर्माण केलें एक न्हंय तर तीन चार लिपींतु येवचाक लागलीं. आनी काळांतरान भाशेक जें एक स्थैर्य वा सुसंगत चौकट तयार जावचाक जरूर आशिली ती निर्माण जात नासतना भाशा अनिर्बंध जाली.

**टीप :**

1 R. G. Bhandarkar—A peep into the Early History of India p. 66.

2 "समस्तराजावलीसमलंकृत श्रीरट्टराजेन स्वहस्तेन हस्तोदकं कृत्वा ब्राह्मण सेणावइ नागमैयसुत संकमैयस्य कल्वातु *भक्तग्रामाद् वाइंगण क्षेत्र *** स्तस्याभिदानं ।....अन्यच्च । अग्रहार पलडरे ग्रामात्पश्चिमायावडे नाम वाडी तत्र संज्ञैय नामा ब्राह्मणस्तस्य नप्ता कुंवरैयस्य च छाठव्वैय नाम्नी ब्राह्मणी तेन च स्वकीय नप्तिका अनूण स्वरूपेण सीमारसह जीवलोकों दत्त:"

—The Indian Historical Quarterly Calcutta, Vol. 4, No. 2, pp. 217-219.

3 Asiatic Researches, London, 1798, Vol. 1, pp. 361-7.

4 शणै गोंयबाब—कांही मराठी लेख, pp. 189-190.

5 Epigraphia Indica, Vol. 2, pp. 217-220.

6 Epigraphia Indica, Vol. 13, pp. 202-4.

7 शं. गो. तुळपुळे—प्राचीन मराठी कोरीव लेख.

8 शणै गोंयबाब—गोंयकारांची गोंयभायली वसणूक, पृ. ४८-४९.

9 Epigraphia Indica, Vol. 13, p. 322.

10 शणै गोंयबाब—गोंयकारांची गोंयभायली वसणूक, पृ. ५६.

11 V. N. Kudva—History of the Dakshinatya Saraswats—pp. 64-66.

12 V.N. Kudva—History of the Dakshinatya Saraswats—pp. 92-95

13 फादर स्टीफन्स—क्रिस्तपुराण, पयलें पुरण, अवस्वरु १, पृ. १३४-१४५.

14 फादर स्टीफन्स—क्रिस्तपुराण—प्रस्तावना.

15 डॉ. वि. बा. प्रभुदेसाई—सतराव्या शतकांतील गोमंतकी बोली, पृ. १४

16 डॉ. वि. बा. प्रभुदेसाई—सतराव्या शतकांतील गोमंतकी बोली, पृ. ४३

17 *ibid*—pp. 37-38.

18 Grierson—Linguistic Survey of India, Vol. 7, 1-166.

19 डॉ. वि. बा. प्रभुदेसाई—सतराव्या शतकांतील गोमंतकी बोली, पु. ४४

20 All India Konkani Sahitya Parishad, Cochin Session—Sovenir 1978—Quoted from John Leydon, plan for investigating the Languages, Literatures, Antiquities and History of the Deccan (1807) MS. in British Museum pp. 69-70.

21 A. K. Priolkar—"Two Recently Discovered Letters of Fr. Thomas Stephens", The Journal of the University of Bombav Vol. XXV, part 2, September 1956, p. 123.

22 डॉ. वि. वा. प्रभुदेसाई—सतराव्या शतकांतील गोमंतकी बोली, पृ. ७१.

23 "It has been said in reference to the Arabic alphabet that 'if trade follows the flag, the alphabet follows religion'. This was also true of various other alphabets of Aramaic origin, same varieties of which became the sacred scripts of the five great faiths of Asia—Zoroastrianism, Judaism, Christianity, Buddhism and Islam"—David Divinger, *The Alphabet*, p. 301.

# ५ कोंकणी साहित्याची रूपसंपदा–२

हे तरेन जशें रोमी आनी कन्नड लिपीचे सहाय्यान कोंकणी भाशा क्रिस्ती धर्म प्रसाराची भाशा म्हण्णुं वापरचातुं येताली तेन्नां कोंकणी भाशा उलोवचो हिंदू समाज मात्र आपण्याले, मायभाशेक विसरिले आनी आपण्याले कर्तव्यापासून भ्रश्ट जालिलो. गोंयचे हिंदुले मनावयर महाराष्ट्रीय राजसत्तेंचो, राजकारणाचो आनी संतसाहित्याचो प्रभाव पडल्यार कर्नाटक आनी केरळांतले हिंदुले मनावयर कन्नड आनी मलयाळम समाजाचो प्रभाव प्राबल्यान पडलो. आनी ताका लागून काळांतरान कोंकणी भाशिकांले मानसिक, सामाजिक आनी भाशिक जीवन उध्वस्त जालें. धन, दौलत, भोग आनी व्हडविकेचे हात्रेसान कोंकणी मनीस आपण्यालो निजधर्म आनी कर्तव्य बिसरलो. आपण्याले आत्म्यापासून पोरको जालो. इतिहासाचे राजकारण आनी सामाजिक प्रभावांक लागून तो स्वतःची भाशा आनी संस्कृती विसरलो. आपण्यालीं मूल्यं आनी अस्मिताय चिखलाचे फोंडांतु घालचाकवी तो मागशीं मुखार पळय नासतालो जालो. परकी भाशा आनी संस्कृतीचे पाय स्थिर आनी सुदृढ करचाक आनी वाढोवचाक कोंकणी मनीसान आपण्याले तन-मन पणाक लायलें. गर्भश्रीमंत आशिले आपण्याले आवयक गरीब आनी लाचार दवरनुं मावशेलें घर सजोवचांतु ताणीं आपण्याली बुद्धि आनी कर्तुत्व वापरका हें खरेंची लज्जास्पद आनी निंदास्पद आसा. वरिश्ट आनी जाणते जेन्नां हे तरेन कर्तव्यविमुख जाताची तेन्नां जनता दिग्मूढ जाता. आनी समाजाची घडी सढळ जाता. असले समयारि, असले बिकट आनी विस्खळित जालिले परिस्थितींतु मन शांत दवरनुं, भाशा आनी संस्कृती संघटित करनुं कोणेंतरी सावरली आनी मुखावयले पीढीचे उत्कर्शाक पोशक असली मनोवृत्ती आनी मनोभूमिका कोणेंतरी आयुश्यभर आपण्यालें जीणें खर्चून निर्माण जर केली तर त्या महापुरुशांली महानता कितली वर्णन करची.

असलीती एक महान विभूति–शणै गोंयबाब–गोंयचे पुण्यभूयेंतु जल्माक आयली. जेन्नां वरिश्ठ आनी जाणतो म्हण्णुं समजचो वर्ग लाचार जावनुं परकी भाशा आनी चालीरीती स्वीकारचांतु धन्य मानतालो तेन्नां जुलमेक बळी पडत नासताना, प्रलोभनाक लागून माथें सकयल करत नासताना, विरोधाक नम्रतेन तोंड दीवनुं तमोयुगांतवी स्वभाशा आनी स्व-संस्कृतीची निजज्योती ताणें प्रज्वलित केली आनी कोंकणी जनतेचें स्वधर्म टिकोवनुं दवरचें महान् कार्य त्या शणै गोंयबाबांनी केलें.

शणै गोंयबाब हो युगपुरुश जावनु आसा. कवि र. वी. पंडितांनी म्हळिलेवरी,

"आमि आसले
मोन जात
तुका लागून
फुलत गेले . . .
पावलांर तुज्या
चलतां चलतां
नकळतां
मनीस जाले."

शणै गोंयबाबाले विशय श्री काशीनाथ नायक म्हणताची,

"शिटूक बुद्धिचो, लांब विचारांचो,
घट्ट काळजाचो, उंच हावेसाचो,
बुद्द, बळगें खर्चून लावन जीण–
अजस्त्रांचो ताणें तयार केलो बाण.

जाली तांडी पळोवंक ही! लोकांची–
रांग लागली, जशि कांय ती मुयांची.
लोक व्हडले! बळखता तांका कोण?
बोटां घालीं तोंडात अजापान.

मागिर उठलो तो घेवन चंद्रजोत,
लावन सोडलो ताणें बाण अंत्राळांत
नवल तेन्नां आयकात, अजापांचें–
वोत पडलें जमनीर विचित्रांचें!

वयर गेलो उजवाड-लोळ खर
सर्ग दिसलो मनशांक धर्तरेर!
न्हंय अजाप, दिपकवलि जिवावळ
वाट चुकली आपली गिरावळ!

ताळयो तेन्नां खोसयेन कोणें चार–
दिवन, घाले हाडून गळयांत हार
कोणें जोडले ताका हात भावार्तान
"पिसो!"–बडबडले कोण मत्सरान.

गोड हांसलो, पळोवन चोंयवशीन
मान बागैली तशी नम्रतेन

जड जालें मन, हुंगित फुलां-हार—
घरा गेलो, उदास बाणकार!"

कोंकणी विशय शणै गोयंबाबांली इतली सेवा जाली कीं कवी मनोहर सरदेसाय म्हणूं शकलो कीं—

"आज आमी जाले गिरेस्त, आतां कित्याक मागची भीख?
तुजे कृपेन पौरसांत आमच्या, नखेत्रांचे आयलें पीक . . .
शणै, तुवें आमच्या भाटांत उलवंक लायलें झाडां रुखां,
दोळ्यां तुवें पियेवन घेतलीं गोंयचीं दुकां, आमची दुकां.

हे तरेन शणै गोंयबाब कोंकणाचे भूंयेवयर आयलो आनी तेन्नाचान कोंकणीचे रूपरंग सामकें बदललें. हरदत्त खांडेपारकर म्हणता,

"शिळा जावन पडिल्ली आवय भास
ती लाम उमास पुसपी —तूंच पयलो पुण्यपुरुस
तुज्या स्पर्सान कोंकणी भास घसाघस चंवल्ली-फुल्ली
ती लिखाणी न्हंय, जादवां कांडीच —नव्या निर्माणाची
आनी तुजी जीण?
ती तर जाली काणी— म्हात्म्याची !"

ह्या अलौकिक व्यक्तिन आपणाले भूंयेचेर, भाशेचेर, मातयेचे कणकणावयर इतलो गाढ प्रेम केलो कीं तागेलीं उत्रं सदांच लागून नासल्यार अहंकाराचीं अुत्रं— अवाजशे दिसताले. स्वतः गोंयबाब म्हणटाले, "म्हज्या आनी तुमच्या मनाची फटवण करूंक हांवें तुमकां नाका-जाल्ल्यो फटासी सांगूंक नांत. म्हजी दर एकली म्हणणी तुमी तुमचे बुद्धिचे साणीर घासून पळयात आनी कसांक लागल्यार घेयात."[१] कोंकणीची व्हडविक कोंकण्यांक दाखोवचाक ताणीं अडेच हजार वर्सांचो इतिहास धवळलो आनी तांतुतल्यान एकापरस एक मोलादिक रत्नं त्या सागरांतल्यान काडलीं. ह्या कामाखातीर तो इतिहास संशोधक, भाशापंडित, तत्त्वज्ञानी आनी साहित्यिक जालो. कोंकणीचो विकास आनी प्रसार चारी बाजून करचे खातीर ताणीं चार तपां तापस्य केलें, जाका लागून आयज ताका कोण सत्पुरुश म्हणता, कोण म्हापुरुश म्हणता, कोण भीश्माचार्य म्हणता आनी कोण पिसोबी म्हणता.

यशवंत पालेकर म्हणता,

| | | |
|---|---|---|
| "बुद्ध तुजीं | वज्रऱ्यावरी | वोतताना, |
| तरसादीच्या | खळखळत | लोकान म्हळें, |
| धारेवरी | व्हांवताना, | 'पिसो शणै |
| चारी दिकान | जीव तुजी | शणै पिसो ! |
| धुंवतानां, | पावसावरी | करडावरी |
| लिखाण जें तु | अुतरधार | जळता कसो ! |

| | | |
|---|---|---|
| जळून जळून | म्हण्टाले ते | मसणवटीत |
| जावन गोबर | पिशे तुका | गोबरा पोंदा |
| खंय वतलो | वाऱ्या वांगडा | हुयेल मारीत |
| कोणा खबर! | व्हांवत गेले | काबार जाले." |

जाल्यार व्हडविकेचे हावेस नाशिले ह्या मनशाक केवल आपण्यालें कर्तव्य मुखार आशिलें आनी तें तो करत आपण्याले जीण जगतालो.

शणै गोंयबाब हो शककर्ता आशिलो. ताका लागून तागेली दिश्टी न केवल हालीचे क्षणाक लागून आसताली तर इतिहासाचे वायुमंडलांतु चारी दिशेन फिरताली. तांगेले प्रत्येक शब्द हाका साक्ष दिताची. उदारण: "आमी फक्त आतांचो काळ—आताची घटकाच—पळेतांत. आज आमी सगळे तरेन खांकनवाळ जाल्यांत. देखून आमगेले भग्यवंत पूर्वजूय तशेच आसले अशें आमकां दिसता. आमी वर्तमानकाळावेल्यान भूतकाळ पारखतात. आज राजकारण, धर्मकारण आनी भासकारण हांतून आमी सूतकी जाल्यांत. आमी पेल्यान रावनुं, कोणाक आफड नासताना, हेर लोक कितें करतात तें मोन्यांनी पळेतांत. आमी तांगेले बंदेपणांत वावरतांत. हे भाशेन आमगेले कर्तुत्वी पूर्वजूय आमचे सारकेच सूतकी आनी बंदे आसले अशें तांगेले चित्र आमचें सामकार उबें रावता. आमकां ऊंच हावेसाची देख मेळना. आमगेलो जीव कसल्याच सात्विक उमाळ्यांनी फुर-फुरना. निखटचा बंदेपणांतूच दीस काडूंक आमी जल्मा आयल्यांत आनी सासणांची सासणां आमकां अशेच तरेन आसूंक जाय, अशी साप उणाक आनी हीण भावना आमची मनाची जाल्या. ही असली भावना जांवक नाशिल्ली जाल्यार, आमी निजाचेच हुशार आनी बुदवंत कोंकणे आज सगळ्या हिंदुस्तानाचे राजकारण, धर्मकारण आनी भासकारण हांतूत मुखावेले म्हालगडे चतुर येरेंकार जावनुं, हिंदुस्तानाचे भाग्यवंत तारुं केन्नाच खंचे भाटयेक लागूंक दी नासताना सुसंगीत,सायसंगीत आनी हुस्कयामेकळे चलैतले आसले. पगून भंगले आमीं. आमी आमगेल्या उजळ भूतकाळाचे सुंदर भूत विसल्ले. आमी तें पैस आडून घालें आनी आज सगळे तरेन कर्मकट्टे, भिकाड्डे जाले. अजून हांव मगेल्या आस्तपंत आनी उमेदीच्या तरण्या-धाकटचा भुरग्यांक आगरो करून आड्डून सांगतां कि येन्नादर तें भूत उपकार करनुं सोदनुं काडात आनी तुमच्या कांठचार बसयात. तुमि तुमगेलो पूविल्लो भाग्याचो इतिहास बारकायेन विसकून पळयांत आनी ते भाशेन, तुमी तुमची आतांची आनी फुडची काळ थारायांत. तुमच्या धंग-नासपान, न्हिदसुरेपणान, आळसायेन आनी घळयेपणान जे परके सुवारथी लोक तुमच्या घरांत रिगून तुमच्या हड्डचार बसल्यात आनी धनीपण चलैतात तांगेलो फटाशीचो तडुकि इतिहास तुमीं उश्टांव नाकात. तांगेल्या मेंदून तुमी येवजूं नाकात. तांगेल्या पोशग्रान तुमी उदक पियेंव नाकात. तांका तुमी कोंकणाच्या आड्याभायर वेगीन धांवडायात आनी तुमगेले निजाचे तेजिश्ट आनी ओजिश्ट बुद्दीन येवजात आनी वावरात. म्हण्टकी तुमी बऱ्याक पावताले."[२]

ते सात्विक संतापान मुखारसरनु घोश करताची, "आमगेलें भाशेचें कुळार वेदाच्या कुळवंत, गिरेस्त, नांवादीक आनी लौकिकवंत घराण्यांतले आसा म्हणपाचें घणघणील दिसता. ह्या खातीर आमकां कोंकण्यांक आमगेले भाशेचो मोटो अभिमान दिसूंक फावो. आमी कोंकणे बाबत कुळां न्हंयत. आमकां परक्या भासांच्या लोकिकार वांचपाची गरज ना. ह्यो भासो आमगेल्यो आवैभासो न्हंयत. देखून आमगेले भाग्यवंत आवैचे मांडयेर बसूंया आनी माथें वैर उबारून सगळ्या संवसाराकडेन पळोंवया."[३]

शणै गोंयबाब केवल राजकारणां वावुरपी न्हंय तर आपण्यालें कर्मविशय खोल जाणकार आशिलें. ताका लागून लोकांक केवल उपदेश आनी व्याख्यानं दिवनुं ते गप उरले नांची. आपण्याली प्रत्येक उत्रं पुराव्यासयत सिद्ध करनुं दाखयताले. ते म्हणताले, "म्हज्या आनी तुमच्या मनाची फटवण करूंक हांवे तुमकां नाका जाल्यो फटासी सांगूक नात. म्हजी दर एकली म्हणणी तुमी तुमचे बुद्‌दीचे साणीर घांसून पळयात आनी कसाक लागन्यार घेयात."

कोंकणी भाशा आनी कोंकणी लोकांली महानताय दाखोवनुं दिवचाक ताणीं जायत्या भाशांचो आनी ग्रंथाचो अभ्यास करनुं कोंकणीची व्याकरणाची बांदावळ बांदली. कोंकणीचें नादशास्त्र थारायलें. गोमंतोपनिशद् बरोवनुं सिद्ध केलें कीं कोंकणी भाशेचे सरळ भाशेंतु गंभीर विशयबी बरोवचें साध्य आसा. भगवद्‌गीतेचें रहस्य सहजतायेन कोंकणींतु उतरायलें. कोंकणी लोकांलो इतिहास सांगचाक गोंयकारांली गोंयभायली वसणूक दाखयली. अनेक विशयांचेरि ताणीं पुस्तकं बरयली आनी प्रत्येक पुस्तक कोंकणीचे सुप्त सागरांतले मोती आशिले. उदारण,

"आवयक उपाशी, रडत घराभायर धांवडावन परकेक लागीं करची आनी तिका पोळयांचे जेवण घालचें अशें धड मेंदूचो संवसारांतलो कोणूच मनीस सांगत अशें माका दीसना. अशानशीं तशें कोणूय म्हाका सांगूक येत जाल्यार ताची तकली थाऱ्यार ना अशें समजून ताचेकडेन वाद घालचे भाशेक 'दोनूय हारी आपणाकूच' अशें म्हणून हांव बोगो रावन. अखेरेक मराठी वा संवसारांतली दुसरी कसलीय परकी भास कितलीय कपलफोडणी केल्यार महासप्तमांतल्या लोकांची आवैभास जायसारखी नासून कोंकणी भाशेचोच जयजयकार जातलो म्हणपाचें भौन भौन सांगून म्हजी लिखणी हांव म्हजे आवैभाशेचे दुसरे सेवेक लांवक चल्लों."[४]

"फारीया आपण्याले विद्येक घणघणीत उजवाडाची न्हींद म्हण्टालो, फ्रांसेज भाशेंतु ताणें तिका 'Sommeil Lueide' हें नांव दिलां. इन्द्रियांक जें गिन्यान जागेपणांत जायना तें गिन्यान तांका न्हिदेंत जाता म्हणपाचें तो आपण्याले प्रयोगांनी सिद्ध करनुं दाखयतालो. ताणें पांच हजारांवयर मनशांक ही असली न्हींद लागशी केल्ली. हें घणघणीत न्हिदेंत आसताना तो तांका बांयचें निखटें उदक निंबाच्या रोसाभाशेन लागशें करतालो. १८१९ तु ताणें 'घणघणीत न्हिदेचें कारण' नांवाचे एक पुस्तक उजवाडा हाडलें. हांतूत ताणें सिद्ध केलें कि ती न्हींद

लागूंक चुंबकी व्हाळाची वा प्रयोग करतल्याचे इत्सेची गरज नाती. त्या त्या मनशाचे खाशा सुलूसेचेर आसा......तो कोणय मनशाकडेन एक उतरूय उलय नासताना तागेले भावनेन तागेलो हात वा पाय जैंचे थैं धरिल्यावरि करतालो. ह्यो करण्यो खरेपणानिशी प्रयोग, करतल्याच्या बळग्यान घडनात. त्यो त्या त्या मनशाचे भावनेन घट्टात. 'जशी जाची भावना तसो तो जाता.' अशें जें श्री कृष्णान भगवद्गीतेंत म्हळां तें इल्लेंय लटकें न्हंय. मन मनशाक बांदून घालता आनी मनूच मनशाक मेकळेंय करता हेंच खरें. राजवाक सोरोप समजून मनीस आंग काट्टा आनी जोर येवन मरता हें लटकें न्हंय. आपुण मरतलो असो वायटकाराचो समज जायत जाल्यार ताका ओखद पारना आनी तो खऱ्याचीच मरता. तशेंच आपुण बरो जातालो असो समज जायत जाल्यार तो निखटचा उदकान बरो जाता म्हणपाचो जायत्या वैजांक अणभव आसा. हाजे वयल्यान मनशाच्या मनाचेर सगळें आधारनुं आसा हांतूत दुबाव ना. ताच्या मनाक जशी सुलूस मेळत, तशी ताची भावना जावनुं, तशे तशे परिणाम घट्टात हो गडगंज सिद्धांत फारियान उक्ताडा हाडलो हांतूतच ताच्या शास्त्रीक सोदाचें महत्त्व आसा. हो सिद्धांत केन्नाच लटको जायसो ना. फारिया फाटल्यान भूलविद्येच्या शास्त्रांत सगळ्यांत पैलो पाट आनी पैले ति कलेचो मान दिला."[५]

शणै गोंयबाबाले हें एक व्याकरणी विवेचन पळयाची. "हो— कोंकणी आनी हेर भारतीय भासांतलो—ओकार खंयच्यान आयलो. संस्कृत कः कुसावयल्यान तो आयलो अशें भासशास्त्र्यांचे मत आसा. संस्कृतांतु कांय अुतरांक स्वार्थी कः लांवची चाल आसा. परंत तितल्यान ताचो अर्थ बदलना. देखिक, अवि-अविकः —कांवळ गोरुं,— याव-यावकः —जंवाचो रोटको,— घट-घटकः —बुडकुलो,— भ्रमर-भ्रमरः —म्होंवामूस. परंत कः कूस लायनासतानाय संस्कृतांतु "अः" न सोंपिल्या पुरुशलिंगी उतरांतु अः चो ओ जाता. अः च्या फुडे अ वा मोव व्यंजन आयल्यार विसर्गाचो उ जावनुं तो आदल्या "अ" त मेळून "ओ" जाता. देखिक— "माधवः जयति —माधवो जयति."[६]

शणै गोंयबाबांनी गीतेचे भाशांतर केलिलो उदारण:

"कोणाच जिवाचो द्वेस करिना जाल्लो, सगळ्यांचो इश्ट, तसो काकळूत आशिल्लो, म्हजेपणाची ओढ नाशिल्लो, सुखदुःख सारकीं लेखतालो, दुसऱ्यांचो गुन्यांव सोंसतालो,

"सदा धादोशी, योगबुद्धीन चलतलो, इंद्रियां आळावंदा हाडिलो, घट निश्चयाचो, मन आनी बुद्द म्हाका आर्पिल्लो, असो जो म्हजो भक्त तो म्हजो अपुर्बायेचो.

"जाका पळोवनुं लोक कांवचेनात आनी लोकांक पळोवनुं तो कांवचेना, जाय जाल्लें मेळून तो भुरकुटना, दुसऱ्याचें बरें पळोवनुं जाका दुस्वास रिगना, भय आनी उबगण हांचेपासून जो मेकळो, तो म्हजो अपुर्बायेचो.

"आस्त नाशिल्लो, कुडीन आनी मनान निर्मळ, आळसाय नाशिल्लो, बरें वायट लागनुं येना जाल्लो, दुसऱ्यान पिडल्यार कश्टी जायना जाल्लो, फळाचे आस्तेन कसलीय

करणी करिना जाल्लो, असो जो म्हजो भक्त तो म्हजो अपुर्बायेचो.

"जाय जाल्लें मेळून जो भुरकुटना, नाका जाल्लें मेळून जो उबगना, आशिल्लें होगडावल्यार जो खेद करिना, नाशिल्लें मेळपाची जो वान्सा धरिना, जाणें बरें आनी वायट सोडलें असो जो भक्तिवंत मनीस तो म्हजो अपुर्बायेचो.

"शत्रु आनी इश्ट, हांका सारको, तशेंच मान-अपमान, थंड-हून, सुख-दुख, हांतूत सारको, कसलीय ओड नाशिल्लो,

"निंदा आनी तोखणाय जाका सारकी, तोंड सुवादीन आशिल्लो, जें कितें मेळटा तितल्यान धादोशी, घरदाराची ओड नाशिल्लो, थीर बुद्धिचो, असो जो भक्तिवंत मनीस तो म्हजो अपुर्बायेचो.

"जोडचेले व्हडले वस्तिभाशेन म्हाका लेखून आनी म्हजेर पात येवनुं मर्णातसून मेकळो जावपाचो हो पवित्र उपाय हांवे सांगिल्ले भाशेन जे चलैतात ते भक्त म्हजे चड अपुर्बायेचे."[७]

शणै गोंयबाबांक आपण्याले प्रत्येक उलौप विचार करनुं मन:पूर्वक करचे आशिल्यान तांगेली लेखणी जितली प्रभावी तितलीची भावपूर्ण आसताली. उदारण: ताणीं विद्यार्थ्यांक दिलिलो उपदेश. ते म्हणताची, "बरप शिकिल्यांचे गिन्यान म्हळ्यार छापिल्लें गिन्यांन. तें "केसरी" त "सेरोल्दां"त ना. जाल्यार दुसऱ्या कसल्याय पुस्तकांत भरिल्लें आसता. बरप शिकूंक नाशिल्या भाशेन ते शरीचें ताजें ताजें गिन्यान पियेनात. तांका तितली फुरसदूच मेळना. समुद्र कित्याक गाजता, न्हंयो कित्याक धांवतात, दोंगर कितें म्हण्टात, झाडां कित्याक धोलतात, फुलां कित्याक हांसतात, सुकणीं कितें गातात, सावदां कशि नाचतात, हें ते निखालूस ध्यानांत घेनात. इतलेंय जावनुं ते बरपाक्षरी ते बरपाक्षरी. विद्वान ते विद्वान; गिन्यानी ते गिन्यानी. खरो गिन्यानी पडलो एके कुशिक. तो आसून नासून सारकोच. तो विद्वान न्हंय. ताका कोण विचारीनात. तांच्या हिस्पान खूपशें बरप शिकतात तेच बिद्बान.हो कस लांबक गेल्यार ऋग्वेदांतले, मुस्तितले सगळे मोटे मोटे रुशी अविद्वानांभितर जमा जाताले. येवजून पळेल्यार ते रुशी कसलें पुस्तकां वाचतालेत? खंयच्यो साळांनी शिकतालेत? ऋग्वेदांतलीं हजारावयर जीं स्तोत्रां आसात तीं ताणींच पयली वयलीं घडैलींत. तेंच तांचे पयलें कवीत. तेंच तांचे पयलें पुस्तक. सगळया संवसारांतलेंय पयलें म्हळ्यार चिंता ना. तांचे मुस्तिंत शिलेटी नासल्यो, फोली नासल्यो, आनी फळणेर धूळ घालून बोटां शरोंवची चाल नासली बोळके ते नकळ आसले. ते फकत कवीत घडयताले. आनी आयकून पाठ करताले. देखून तांगेले विद्येक "श्रृति" म्हळ्यार आयकप हें नांव पडलां. मित्र, वरुण, इन्द्र, अग्नि, वायु, सवित्रु, सोम, अश्विन, उषा, अदिती, सरस्वती ह्या आनी हेर जायत्या निजाची निर्माणी गाजैण्या देवतांक ताणीं आपल्या ऋचांनी, सूक्तांनी, मंत्रानी होरायल्यात. तांतुतले कवीत पळोवनुं माटी व्हडलीं पुस्तकां घोळैल्ल्या विद्बानांचीय मति गुल्ल जाता. खीणभर ही भूंय सोडून ते अंत्राळांत पेयतात. इतलें हें विद्येचें बळगें

त्या परिक्षा दिवक नाशिल्ल्या रुशींक खैंसून आयलें?...... पुर्विल्ले रुशी पुस्तक वाचतालेत. हाका दोनूच पाना आसात. —बयर मळब आनी सकल धर्तरी. हीं दोन पानां भौन भौन बारकायेन वाचून आनी घोळोवनुं ऋग्वेदांतल्या आमच्या जाग्टेल्यांक रुशी ही पदवी मेळ्ळी."[८]

हे तरेन शणै गोयबाबांनी कोंकणी सारस्पताक संजीवनीचें मंत्र दीवनुं माजघरांतु धूळींतु अलक्ष जालिले कोंकणी आवयक जेवण-ओखदा दीवनुं नवीं वस्त्रं आनी नवो पोशाखान सजोवनुं समाजाचे मुखार परत हाडलें. घोर अरण्यांतले अंधःकारांतु वाट-चुकिले भावा-भैण्यांक परत सरळ मार्ग दाखयलो.

शणैन रोंविले बींय पोरसांतु अंकुर पावलें, आनी एका बीयांचे अनेक कोटि झाडं कोंकणांतु उगवळे. अनेक लेखक, कवी, आपआपण्याले कर्तृत्वाप्रमाणे आपण्याले प्रतिभा कोंकणी आवयले मुखार दवरचाक लागले. असले अनेक लोकांपयकी थोडे जणांली तोंडओळख करनुं दिवयेत. काशीनाथ श्रीधर नायक जे बयाभाव ह्या नांवान कवीत बरयताले, हे शणै गोंयबाबाले खास सहकारी आसून हांगेले बिशय स्वतः गोंय-बाबांनी म्हळिलें आसा, "मराठीचो इतलो कुंड्डो मोग जैं चलता थैं आमगेले आवय-भाशेक जीव धरून रांवक कठिनशें दिसून मन उबगता. परंत अशा ह्या वेळार, काशीनाथ बाबांसारको आपलेपणाची वळख आनी अभिमान आशिल्लो एकलोय गोंयकार, म्हजे फाटीक फाट लावनुं म्हाका धिगी दिवक उबो राविल्लो पळोवनुं म्हज्या शिरंत्रांत नवो नेट रिगता आनी कोंकणी भाशेचे सेवेक उमेदीन वावरूंक म्हाका फुरफुरो चट्टा.. ...म्हज्या ध्याना मनात नासताना, म्हज्या मोटचा भाग्यान, काशीनाथबाबांसारके म्हज्या धर्माचे मनीस अगान्तुक, म्हज्या हाताक लागले आनी 'तो तूं आसा' म्हणपाची वळख म्हाका मेळ्ळी......"[९]

काशीनाथ नायकांनी गेलिले पन्नास एक वर्सांतु कवीत बरयलीं. तांगेले पदांचो पयलो झेलो "साडचांवयली फुलां"रूपान नदरेक आयलो. तांतुतली ही कवीत पळयाः

वाट पळैता, दुखां गळैता, दोळे गेले सुकून!
आतां येत, मागीर येत
म्हणून बसून काडली रात
दिवलेंतली पांचवी वात—गेली पळै जळून.
फांत्या-पारा बेगीन ऊठून
मोगरेचे कळे खुटुन
सोबित हार काडलो गुथुन—गेलो पळै सुकून!
वाऱ्यान दिसता वाजलें दार
म्हणून गेलें घेवनुं हार
पारव्याचें जोडें मुखार—जीव गेलो सुकून!
आतां धीर धरूं नजो

एक ध्यास्त लागलो तुजो
सांबाळ! तोल सुटलो म्हजो—धर आतां जिखून!

बयाभावाले काव्यांतु जशें भाव दिसता तशें जाग्यान जाग्यार आध्यात्माचो गंध येता, देशभक्ति आनी लागवगीचो छंद दिसून येता. बा. भ. बोरकर हे मराठींतले नामवंत कवी. ताणीं कोंकणींतु कवीत करचाक घेतलें कीं ते म्हणताची, "भाव अनावर जावनुं प्राणाक कंप भरता तेन्नां उतरांच घुंगरां जातात. आनी तांचीच पांयजणा करून कविता-रति पावली मारूंक लागली म्हणुकच शृङ्गार, वीर, वत्सल, भक्ति, हास्य बी रस घुमूंक लागून रेंव, थोडो वेळ जायना, अमृतान ओली करता." तांगेलें निळे सवणें हे गीत पोळोवंया. ते म्हणताची:

निळे निळें सवणें एक
सकाळच्या गो पारा!
भांगराचीं घुंगरां बांदून
आयलें म्हज्या दारा ।।१।।
सवणें गायत आलें तशें
झाडां पेडां लागलें पिशें ।
कोमन्यो आंकन्यो फुटुन म्हजें
पोरसुं आयलें चंवरा ।।
निळें निळें सवणें एक
आयलें म्हज्या दारा ।।२।।
म्हांवान भुल्लें फुलां—गेलें
हरयाळेक फुटले दोळे ।
अकस्मात अमृताचें
गीत सुचलें भोंवरा ।।
निळें निळें सवणें एक
आयलें म्हज्या दारा ।।३।।
सवणें जिवा भिडून गेलें
हांवय जालें गाड निळें ।
दिष्टाव्यान भेटलें हांव
म्हज्या राजकुंवरा ।।
निळें निळें सवणें एक
आयलें म्हज्या दारा ।।४।।

जशें शणै गोंयबाबांनी आपले अनेक ग्रंथांतल्यान कोंकणी भाशेची स्वतःची शक्ति दाखयली त्याची तरेन बोरकरांनी आपण्यालें गीतांतल्यान भावगितां, नाटयगितां, संगीतिका, भूपाळी रचोवचि शक्ति उघड केली. जाल्यार तांगेलो हो

नादतालाचो सूर तांगेले नंतरचे कवींनी जायते प्रमाणान धरलो ना. मनोहर सरदेसायनी आपण्याली भाशा सादि सोपी केली. हो तांगेलो प्रभाव कोंकणींतले सर्व सामान्य कवीं-वयर दिसून येता. मनोहररायांक आपण्याले चुटकुल्यांतु आपण्याले कवित्व आनी लोकांले जीवनांतले उमाळे दाखोवचें आसा. तांगेलें हे थोडे प्रगट विचार पळयां:

सोंपला दीस तरीय कशी
जमीन अशी हून आसा?
—सूर्याच्या मोगाची
अजून तिका याद आसा.
*       *       *
खिणा-खिणाक
जिवीत म्हजें सरत वेता
खिणा खिणाक
जीवित म्हजें भरत वेता.
*       *       *
सपनांत तिजो घेवन उमो
खुशालकायेंत बुडलों हांव
एकूच मात खंत मनाक
विचाल्लें ना
तिचें नांव.
*       *       *

ह्या परंपरेचे र. वि. पंडितांनी आपण्याले कवितेक छंदाबंदातल्यान साफ मोकळी केली. ते ताळतंत्र माननांची. 'आयलें तशें गायलें' 'उतरलें ते रूप धरतलें' 'म्हजें उतर गावड्यांचे' अशि तांगेली गजाल. पंडितांले कवीत वाचून बा. भ. बोरकर म्हणताची, "पंडितांची ही मुलखावेगळी कविता हांवे पयल्या प्रथम आयकली तेन्नां थोडो वेळ म्हाका रानांत पडिल्याबरी जालें. पुण आयकतां आयकतां म्हाका तिज्या प्राणाची नाट मेळि आनी तिजेर आयिल्लें भाराचें वारें म्हाकाय आफडून गेलें. म्हजी मनोमन खातरी जाली कीं ही वाणि मुळ्याची." पंडिताली काव्यप्रतिभा वयल्या पांवड्याची. उदारण:

चिंचेचें पान. . .
एक पान
आनी, पानांत,
परतींय पानां
ल्हान ल्हान ल्हान. . .
ल्हान ल्हान

पुण कुडके न्हंय...
अखंड.
आनी
सगलें पान?
म्हळ्यार अखंड
म्हळ्यार विखंड
...तशें मजें मन.
एकाच मनांत
भितल्लें भितर
आनीक खूब मनां.
ल्हान ल्हान ल्हान
तरेकतरेचीं...
आनी
सगलें मन?
म्हळ्यार अखंड
म्हळ्यार विखंड...
अशें चिंचेचें पान.

कोंकणी भाशेंतु बरोवचे कवी, उदारण: पांडुरंग भांगी, नागेश करमाली, शंकर रमाणी, रमेश वेळूसकार, शांताराम वालावलकार ह्या सर्वांचेर ह्या प्रतिभावान कवींलो प्रभाव जबरदस्त बसला हांतु संशय ना. ताका लागून आयज कोंकणी भाशेंतु सुयेपासून मूंयेमेरेन सर्व विशयांचेरि कवीत दिसून येताची.

आयचे गोंयांतु कोंकणींतले गद्य साहित्याचो पुढाकार रवींद्र केळेकारांनी घेतिलो आसा. तांगेले लेखनशैलींतु न केवल साहित्याची प्रतिभा आसा तर वैचारिक प्रवृत्ती जाग्यान जाग्यार स्पश्ट जाता. कोंकणी भाशेंतु सुसंस्कृत आनी व्होड विचाराच साहित्य बरोवचें साध्य आसा, हे तांगेले लेखनान सिद्ध जाता. तांगेले "सांगाती" ह्या पुस्तकांतले दोन उतारे दीवनुं हें दाखोवयेत. "म्हजी म्हाका सारखी वळख केन्ना पडटा, सांगू? हांव स्वस्त बसून रावतां, कितेंच करिना आनी म्हज्या म्हकाच नियाळून पळैतां तेन्ना. तेन्ना म्हाका जीव खावंक येता. एकलो-एकलो दिसता. रितें रितें दिसतां आनी हांव— वाजेतां, निर्खेतां, फणफणतां, खंती जातां.... म्हजें खरेलें रूप पळोवपाचो होच म्हजो हारसो." "चित्र पग्रसल्यान सारकें दिसना. लागिच्यानूय सारकें दिसना. अमक्याच एका अंतरार रावनुं पळैल्यारूच तें सारकें दिसतां. जीविताचेंय अशेंच. जे माय येवजितात तांका जीवित कितें समजना. जे चड येवजितात तांका कळना. एका अंतरार रावनुं येवजिल्यारूच जीविताचो अर्थ समजतालो." "एक कथा वाचिल्ली. जिव्रानाची जावं येता. सुंदर आनी कुरूप ह्यो दोगीं भयणी एक खेपे खंय न्हावपाक

दर्या वेळेर गेल्यो, आपापलीं लुगटां दोगांयनी वेळेर दवल्लीं आनी दोगीं उदकांत देवल्यो. मदींच कुरूपाक कितें येवजलें, कोण जाणां. तें अवचित् उदकांतल्यान भायर आयलें आनी सुंदराचीं लुगटां न्हेसून वेगी वेगीन थंयचें पशार जालें. सुंदर वयर येवनुं पळैतां जाल्यार, वेळेर आपलीं लुगटां नांत. कुरूप न्हेसून गेलां, कितें करतलें? नागडें रावतलें? बावडयाक कुरूपाचीं लुगटां न्हेसून वचचें पडलें. दोगांय खंय एकमेकांक अजून मेळूंक पावूंक नांत. हाका लागून खंय लोक गोंदळ करतात. सुंदराक कुरूप लेखतात आनी कुरूपाक सुंदर मानतात. तरी बरें, संवसारांत कांय जाण आसात कि जे लुगटां पळोवनुं फटवनात. लुगटां कोणायचीं घालीं तरूय सुंदर खंयचें आनी कुरूप खंयचें हें ते जिस्त वळखून काडटात."

रवींद्र केळेकाराशिवाय दुसरे गद्य लेखक म्हळयार श्रीपाद देसाय, रा. ना. नायक, अ. ना. म्हांबरो, लक्ष्मणराय देसाय, पुंडलीक नायक, चन्द्रकान्त केणि, वगैरे लेखकांनी कोंकणी साहित्याक हातभार दिलिलो आसा.

विसावे शतमानाचे कोंकणी साहित्य जरी प्राधान्येतेन गोंयांतु प्रगट जालिलें दिसून येता तरी पुण ताचो वावर कारवार आनी मंगळूर प्रदेशांतवी जालिलो आसा. कारवार जिल्ह्याचे संत सहजानंद आनी श्री शिवरामाश्रम स्वामी हांणीं भक्तिपर गीतां रचयल्यार पंडित मंगेशराव तेलंगानी भगवद्गीतासार कोंकणींतु दिलो. वेंकट-रावांले "विवेक रत्नाकर" आनी गुलवाडि हरिशंकराले "हरिकीर्तनसामर्थ्याचें सामर्थ्य" प्रकाशांतु आयलें. नाटक बरोवचांतु बैंदूर देवराय अय्यगळ, दोंगरकेरी उमानाथ, तलंगेरी वेंकटराव, मंजुनाथ प्रभु, हान्नीं पुढाकार घेतलो. नागेश सोंदे हांणीं आपण्वालो कोंकणी भाशेवयलो प्रेम "कौंडिण्य" हें त्रैमासिक चलोवचांतु आनी तत्वज्ञानावयलीं पुस्तकं बरोवचांतु व्यक्त केलिलो आसा. शिवरामाश्रम स्वाम्यांले हे पद पळया:

घोंगो आयलो घोंगो । संवसार नाका भोंगो ।
दोळचां दिसता हातां मेळना । न्हंय म्हण्णुं कोणं सांगो ।। धृ ।।
घोंग्या हातांतु सुडियो । सोब्बा र करता मोडियो ।
बशिल्ले कडचो आपुण हालना । भोंवता गुडियान गुडियो ।।१।।
मुगा एदें माथें । मळबा एदें सातें ।
पांय कांय नात गांवभर भोंवता । चार्मुर करता जोतें ।। २।।
चोवच्या गेल्यार भोळो । ब्रह्मांड करता गोळो ।
सान परंत आश्चर्य भारी । काजळापक्षीं काळो ।।३।।
सांसवा एदो दोळो । केसा सपूर गळो ।
कोटि सूर्य चंद्र मोडोवनुं । निडलार केला तिळो ।।४।।
आंगाक नाना रंगु । चोवचाक भारी चांगु ।
चोयतां चोयतां मनांत येता । हाजोच करका संगु ।।५।।

नागेश सोंदे हांगेले एक पुस्तकांतलो हो उतारो पळया:

"मानवांले आध्यात्मिक जीवनांतु देव केन्नां आनी खंय जन्म घेत म्हण्णुं विचार करचे प्रवृत्तींतु एक विलक्षण आकर्शण आसा. सर्वसाधारण सर्व धर्मांचे मूळ तत्व जावनुं आसा, कीं परमात्मा सदा सर्वदा अनादि काळापासून अस्तित्वांतु आसून अनंत काळा-पर्यंत तो उरचो आसा. ताजे शिवाय ह्या सर्व विश्वाचो व्याप ना, गति ना, अंत ना. तोचि सर्वांचो प्रारंभ, माध्यम आनी समाप्त जावनुं आसा. तोचि कर्ता, कारण आनी कर्तुत्व आसा. . . . स्थळ, काल आनी परिस्थितीनुसार देवांलो जन्म जालिलो आसा, विकास जालिलो आसा, मरण आयिलें आसा. कालचे देव ते आयजचे केवल स्वप्नांतले संदर्भ जावनुं उरले . . . मानव देवांक जन्माक हाडता, कारण ताजी जरूरियात मानवाक भासता . . . मानवालें मानस देवाक जन्म दितां, देवांले कर्तुत्व जागयतां, आनी देवांले अवनतीक, मरणाक सुद्धां कारणीभूत जाता. एक दिश्टिकोणान पळयल्यार देवांले मरणची मानवाले विकासाक स्फुरण दिता म्हणयेत. मूर्तिकारक आनी मूर्ति-भंजक–हे दोग्गयी मानवी जीवनाचे अविभाज्य घटक जावनुं आसाची. सत्यशोधनेचे मार्गारि देवरूपी रूपकं पायांतले सांखळी जावं न्हंय. कारण स्थिर प्रतिमा, स्थिर दिश्टी, स्थिर विचार आनी स्थिर निष्ठेंतु कर्तुत्व ना, श्रेय ना. हीं मानवाले विकासशील चैतन्येक, भावनेक, प्रवृत्तीक अनिश्चित बनयताची, दुर्बल बनयताची."

"ईश्वराबरोबर जीव एकरूप जाता हें वेदकालापासून मानचांतु आयिलें एक विधान जावनुं आसा. जाल्यारि ही अवस्था असली एक साक्षात्कार प्रतीत आसता कीं ताजें वर्णन लोकांक समजावचाक तांगेलेची लौकिक शब्दांतु करचें पडता. शिवाय, शब्द संपूर्ण सत्य सांगचाक असमर्थ आशिल्यान शब्दांनी केलिलें वक्तव्य कोणांक उद्देशून केलिलें आसा हें जाणचें आवश्यक आसता. नासल्यारि कवि जेन्नां जीव परमात्म्यालो संबंध पति-पत्नि किंवा प्रियकर-प्रेयसीले संबंधांचे नातें जुळवून संपुश्टांतु हाडताची तेन्नां मानवाले मनांतु मधुराभक्ति जागृत जावची सोडनुं प्रेमातसले शुचितम भावनेक कामासक्तिचो दुर्गंध येत."

यशवंत पालेकरबी ह्या प्रदेशांतुलो एक कोंकणी प्रेमी. कवीत, हें जरी तागेलें खास प्रांत जावनुं आसा तरीपुण ताणें कोंकणी भाशेचो पत्रकार म्हण्णुं थोडो जास्त वावर केलिलो आसा. "कोंकण भारती" हें साप्ताहिक तो काडता. तागेलें लेखनाचो एक उतारो तागेले जीणे विशय सांगता: "गोंयच्या दक्षिणेक आनी आग्नेय बाटारार जो कर्नाटक राज्याचो प्रदेश आसा ताका कारवार जिल्हो वा उत्तर कानडा जिल्हो म्हणटात. त्या जिल्ह्यांतु सगळे मेळून इक्रा तालुके आसात . . . कन्नड उलोवपी चड आसात पुण गोंयाक लागून आसलेल्या कारवार, सुपा, हळियाळ ह्या तालुक्यानी आनी तांका लागून असलेल्या अंकोला आनी यल्लापूर तालुक्यांतु कोंकणी उलोवपी लोक चड आसात. . . . हो प्रदेश भौगोलिक नदरेन गोंयचो सलग प्रदेश.

". . . तांचो देव गोंयांतूच आसात. तांची धार्मिक उत्सव, परब गोंयच्या परस वेगळे नांत. दक्षिण गोमंतकाच्या लोकावांगडा तांचो रक्तसंबंध पोर्तुगेज काळांतूय

तिगून रावलो. गोंयच्या जायत्या जाणांची अंकोलेची आर्यादुर्गा कुलदैवत. शांतादुर्गा, मंगेश, रामनाथ, दामोदर, नरसिंह ह्यांची सासायची. अंकोला, कारवार, सुपा, हळयाळ, यल्लापूर मेरेन पातळल्या. ताका लागून गोंयची सांस्कृतिक सीम अनादि काळापासून आजमेरेन सांभाळून उल्ल्या . . . हैलो भाग सांस्कृतिक, भासिक, धार्मिक नी सगळ्या नदरेन गोंयचो एकसंध भाग आसतानाय हे भागाचो इतिहास मात्र वेगवेगळो घडलो. ताका लागून गोंयचो खाशेलो भाग "भायलो" प्रदेश जावनुं उल्लो हें आमचें खरेलें दुर्दैव म्हणूक जाय.

"पोर्तुगेज भारतात यो मेरेन हो अखो भाग चड कमि प्रमाणांतु एकूच इतिहास घडयत उल्लो, पुण पोर्तुगेजान काय भाग जिखून घेतलो आनी तैन्नासून हे दोनूय भाग वेगवेगळो इतिहास घडोवपाक लागले. दोनूय विभागाचे संबंध ताका लागून उणें उणें जायत गेले. पोर्तुगेजांची झुजपाची तांक जर चड आशिल्ली जाताली तर ते कारवार, सुपा, हळयाळवी हेर भागूय जिखून घेतले जांवचे. आनी ताका लागून हो सगळो प्रदेश एकूच इतिहास आजमेरेन घडयत आसू येतालो. पुण नियतीन घडयलें ना; ताका लागून एकसंध गोंय विघटित जालें; पोर्तुगेजांची दुर्बलताय आमकां बादली!"

कोंकणी भाशेचो विकास हो कालाक आनी देशाक लागून जालिलो आसा. ह्या परंपरेंतु इतिहास आनी धर्माचो हातभार जायते प्रमाणान लागिलो आसा. हाजो प्रभाव मंगळूरांतु जास्त सखोल दिसून आयलो. पयलें पयलें मंगळूरचो किरिस्तांव संघ आपण्ग्रालें धर्म साहित्याक गोंयबाजून नियाळतालो तरी १९व्या शतकाचे अखेरीक ताणीं आपण्यालें स्वतःचे असलें साहित्य रचोवचांतु सुरू केलें. आनी मंगळूरांतु कोडियाल बैल छापखानो १८८२तु सुरू जालो कीं ह्या बावराक जास्त पुश्टि मेळि. ह्या छापखान्यांतु जास्त करनुं क्रिस्ती धर्मप्रसाराक पुस्तकं छापच्यांतु आयल्यारियी ह्या प्रयत्नान कोंकणी भाशेक संजीवनी मेळि. फादर आंजेलो माफेइले पुस्तक "कोंकणी रानांतनलो सोबित सुंदर ताळो" ह्याचि छापखान्यांतु उजवाडाक आयलो. १८८३तु बासेल मिशनान फादर माफेइले कोंकणी व्याकरण आनी कोश उजवाडाक हाडलो. १९१२तु "कोंकणी दिर्वे" हें पत्रक प्रसिद्ध जात पासून मंगळूरचे कोंकणी क्रिस्ती बांधवांले उत्साहाक महापूर आयलें. हाजे सकयल अनेक साहित्यिक लोकांमुखार आयलें. उदारण: लुविस मास्करनेस, कैतान लोबो, विलियम् सिक्वेरा, ग्रेगोर मेनेझिस, जे. एम्. रोडिग्स, फेलिक्स नोरोन्हा वगैरे. लुविस मास्करनेसालो "दुबळ्यां भाव", जुंजे मछादालो "सामाजीचो दिवो", जे. एल. डिसोझाले "उजवाड", जाकीं संतान आल्वारीसाले "मित्र", रायमंड मिरांडालो "कथां-झेलो", फेलिक्स डिसोझालें "कणस" हीं सर्व पुस्तकं प्रसिध आसाची. त्याचि तरेन जे. बि. मोरायस, चा. फ्रा. डिकोस्ता, वैटस् प्रभुदास अनेक कवि ह्या प्रदेशांतु वावुरताची. ह्या कवनांचे उदारण म्हण्णुं हे उतारे दीवयेत.

"मनीस म्हण्चें कितें सांग्शात म्हाका
मात्येचें एक घर तें

धनि आस्ता सोभित दिस्ता
नातर भेश्टे रितें
पर्गावांतलो एक जण आतमो सुंदर
जातच आपले स्थवंण
सांडता तें घर, अब्ळे मूट्ठभर
कुसड-किडयां पर्वण".

–लुविस मास्करनेस.

"मिणकीं नेकेत्रां चोयतालोंगो
कणकी मळचांत बसुनसो
चंद दिश्टुलां लायतालोंगो
मंदमंद म्हाका हासुनसो
आज तर म्हाका नवल दिशिलें
मोग करूंक तुजो लिपूनसो.
रातीच्या थळांत फुटटालोंगो
मतीच्या सळांक कापुनसो
खिणखिणाक एकदोळो मुंगो
मनांतलीं गुपितां मापुनसो
मतींतलें नवल बिरलेशें दिशिलें
मोग करूंक तुजो लिपूनसो.
कणकेचीं बोलीं बोडलीमुंगो
मिणक्या नेकेत्रांक धांपुनसो
वाऱ्यान विमानां सोडलीमुंगो
आतमो उटलो कांपूनसो
बिरलेलें नवल जिरलेंशें दिशिलें
मोग करूंक तुजो लिपूनसो.
नेकेत्रांक बिरमोत दिसलींनांगो
रडटालों मनीं झापूनसो
म्हाका कित्याक वाट सुचलीनांगो
दो म्हजे दोळे धांपूनसो
जिरलेलें नवल उरयेत आशिलें
मोग करूंक तुजो लिपूनसो.

–चा. फ्रा. डिकोस्ता

मंगळूर प्रदेशांतु क्रिस्त बांधवांतितली हिंदूनी कोंकणीची सेवा ना केली तरी अधून मधून

कोंकणीची सेवा जात आसताली. १९१२तु बोलंतिन कृष्ण प्रभून "चंद्रहास" आनी "प्रह्लादचरित" हीं नाटकं प्रगटायलीं. कुंबळे नरसिंह नायकांनी आपण्यालें "सावित्री" नाटक १९२२तु प्रकाशांतु हाडलें. पयलें "सारस्वत" ह्या साताळयाचो उप-संवादक आनी नंतर "पंचकादाय" ह्या म्हैनाळयाचो प्रकाशक आनी संपादक म्हण्णुं बंटवाळ बाळिगांनी कोंकणी भाशेचे उदरगतीक हातभार दिलो. "गीतासंचय" भजनांचो संग्रह आनी "संत तुकाराम", "पादुका पट्टाभिशेक" हीं नाटकं ताणीं बरयिलीं आसाची.

दूर केरळांतु पुरुशोत्तम मल्लयांनी कोंकणी साहित्य रचोवचांतु हातभार दिलो. तांचे शिवाय श्रीमति अमुलका शेनाय, रामचंद्र शेनाय, नारायण नरसिंह पै, जी. कमलमल्ल, नारायण मल्या, वेदवति शेनाय, अनंत शर्मा शास्त्रि, के. अनंत भट इत्यादिनीं कोंकणी साहित्य रचियिलें आसाची.

ही जाली कोंकणी साहित्याची काणी. संस्कृतांतल्यान जल्म घेवनुं, प्राकृताची संजीवनी पीवनुं, कोंकणी कोकणांतले लोकांले जीभेवयर आनी जनजीवनांतु सरळ पणून पडत उठत समरस जाली. कोंकणी भाशा बाघातरेन गर्जन करना, मेघातरेन गडगडना. ती न्हंयेतरेन सळसळता, वाऱ्याभाशेन मंद स्पर्श करता, कोकिळे तरेन गीत गायता –किंचित, सावकाश, जाग्यान जाग्यार. ह्या कोकिळेचो रंग ना काळो. ती अनेक रंगाची जाल्या. म्हणून तिगेली ओळख तिकाचि मेळना. हें कित्याक? कित्याक तर, तिणें आपण्गालो स्वाभाविक असलो रंग सोडनुं अस्वाभाविक रंग, विचार केलेशिवाय स्वतःचे आपण्गाले आंगांक, डबडबल्याची. आयज कोंकणी भाशा देवनागरींतु, रोमींतु, कन्नड, मलयाळम आनी उर्दू लिपींतु बरोवचांतु येता. ताका लागून भाशेंतु साहित्य आसून आयज कोंकणी लोक वारस नाशिलें जनांतरेन एकमेकांपासून दूर आसाची. प्रत्येक प्रदेशांतले कोंकण्यालें अविश्कार दुसरे प्रदेशाचे कोंकण्यापासून विलग जाल्या. ही अहितकारी परिस्थिती नाश करचाक एकचि उपाय आसा आनी तो म्हळयार कोंकणी भाशेचे साहित्य रचोवचाक कोंकणीची स्वाभाविक असली देवनागरी सर्वांनी आपणावका. तांतुतचि आसा कोंकणी भाशेचे श्रेय आनी कोंकणी समाजाचो अभूतपूर्व उत्कर्श.

---

**टीपाः**

१. वज्रलिखणी, प्रस्तावनेंतली पयलीं पानां.
२. शणैगोंयबाब—ऐन वेळार, वज्रलिखणी पृ. २४३
३.
४. रा. ना. नायक—शणै गोंयबाब–चरित्र, पृ. ६१
५. शणै गोंयबाब—आबे फारिया, पृ. १६-१८.
६. शणै गोंयबाब—कोंकणी व्याकरणाची बांदावळ, पृ. ९-११
७. शणै गोंयबाब—श्री भगवंतालें गीत, १२ पृ. १३-२०
८. रा. ना. नायक—शणै गोंयबाब–चरित्र, पृ. १०३
९. रा. ना. नायक—शणै गोंयबाब–चरित्र, पृ. ६०

# ६ भाशेचें भवितव्य आणि कोंकणी समाज

सर्व साधारण जेन्नां भाशा अवस्थांतर पावनुं जल्माक येता, तेन्नां भाशेचें विकासाक जरूर आशिले, पोशक असले साधनं उपयोजनेंतु आसताची. ताजे उपरांत काळांतरान त्या भाशेक स्थैर्य येता, शिश्ठत्व येता आनी ती भाशा साहित्यिक भाशा म्हण्णुं उपयोजनेंतु येता. ताका लागून एक समाज सलग जाता, संघटन पावता, ऐक्य पावता. भाशा, समाजांतले सर्व जणांक— धर्म, जात वा वर्ग बाजून सरकावनुं— एकत्र हाडता. ताका लागून एक समाज, देश, आपुलकीचे विचारान आपण्याले जीवन फुलयता.

भाशा जर समाजाचें ऐक्य साधचें साधन जावचें आसा तर ती भाशा समृद्ध जावचाक पोशक असलें वातावरण आसचाक जाय. तशें पळयल्यार भाशा-विकासांतु आयजमेरेन दोन मुखेळ कारणं मुखारसरनुं वावरत आसाची. तीं म्हळ्यार त्या भाशेक राजमान्यता आसची किंवा एक महान् व्यक्तीन आपण्याले विचार उक्तें करचे खातीर ती भाशा वापरची. कोंकणी भाशा जरी धाव्वे शतमानांतु जल्म पावली, तरी तिजो जाय त्या प्रमाणान विकास जालो ना. हाजें कारण म्हळ्यार तिका केन्नांयी राजमान्यता मेळी ना किंवा ती राजदरबाराची भाशा जाली ना. अनेक कारणांक लागून कित्येक शतमानापर्यंत ती भाशा प्रतिभावान व्यक्तींनी आपण्यालें साहित्याची भाशा म्हण्णुं वापरली ना. सोळावे शतकांतु जेसुयीट पाद्रींनी वापरचें पयलें कोंकणी भाशा साहित्याची भाशा म्हण्णुं वापरचांतु पेंवचें क्वचित् अशें आमकां दिसून येता. तरीसुद्धां जर आयजमेरेन कोंकणी भाशा जीवंत आसून आपण्यालें कर्तृत्व जागयता तर ताजीं कारणं त्या भाशेंतु मूळतः आशिलें अनुशंगिक सजीवत्व जावनुं आसा. आनी ताका लागून एक सिद्धांत मुखार दवरयेत कीं भाशेचे विकासाक ग्रांथिक रूपाचें महत्त्व जितलें आसता, तितलेंची महत्त्व तोंडी भाशेकबी आसता.

तोंडी भाशेंतु जर इतलें चैतन्य आसा तर कोंकणी भाशेचो विकास कित्याक जालो ना? जेन्नां वेगवेगळे भारतीय भाशा आपण्याले जन्मकाळापासून आयजमेरेन प्रतिश्ठित जावचांतु, प्रतिभावान जावचांतु सफल जाले तर तांचे इतलीची पुरातन आशिली कोंकणी भाशा कित्याक विकास पावली ना? मूळांपाळां खणून खणून ती अजून आपण्यालो आत्मो कित्याक शोधत आसा?

विचार केल्यार दिसून येत कीं कोंकणी भाशेचे ह्या दैवदुर्विलासाक आमीं कोंकणी मनीसचि कारण जावनुं आसाची. तशें पळयल्यार कोंकणी मनीस हो जातीन बुद्धिशाळी,

कश्टाळू, कर्तुत्ववान आनी क्रियाशील आसा. आपण्याले बुद्धीचो कस लावचाक सात समुंदरापेलतडेन वचचें धाडस तो करता आनी ताणें केल्यां. वास्तविक ताणें आपण्यालें कर्तुत्व साफल्य करचाक, महत्त्वाकांक्षा पूरी करचाक अनेक देश पार केले. जाका लागून तो आयज महाराष्ट्रांतु, कर्नाटकांतु आनी केरळांतु एक महत्त्वाचो अंग जावनं वावुरता. जशें महत्त्वाकांक्षेक लागून ताणें आपण्याली मायभूंय सोडली तशें धर्मछळांक लागूनबी मायभूंयेचो त्याग ताका करचो पडलो.

जेन्नां नवो देश आपणायलो तेन्नां तो प्रदेश जशें कांय आपण्यालोची देश म्हण्णुं ताणें आपणायलो. आपण्याले मूळ आर्य संस्कृतीक मान दीवनं आपण्यान आपणायिलीं भूंय, तीचि पुण्य भूंय, कर्म भूंय म्हण्णुं ताणें मानलो आनी त्या देशाची, त्या देशाचे भाशेची सेवा तनमनान केली. मानव जशें समाजाचो, युगाचो प्रवर्तक आसता तेंचि तरेन तो त्या समाजाचो, युगाचो अंकित किंवा आधीन बी आसता. कोंकणी भाशेचें हे दैवदुर्विलास आसा कीं जशें जशें कोंकणी मनीस परभाशेचो आनी परसमाजाचो युगप्रवर्तक म्हण्णुं लक्षणवंत जालो तशें तशें तो त्या त्या भाशेचो आनी संस्कृतीचो आधीन आनी अंकित बी जालो. आनी आपण्याले मूळ समाज, संस्कृती, भाशा आनी अस्मितायेपासून दूर जालो, परावृत्त जालो. ताका लागून तागेले मनांतु, जीवनांतु अनेक अयोग्य, अनावश्यक, अयथार्थ कल्पना विचार आयले. आनी काळांतरान तो आपण्यालेंची अशें आशिलें अस्तित्व, समाज, संस्कृती आनी अस्मिताय विसरलो. आपण्यालो आत्मो तो विसरलो.

मनीस जेन्नां आपण्यालो आत्मो विसरता तेन्नां तो आपण्याले मूल्यांपासून, संस्कृतीपासून, धर्मापासून विमुख जाता. आपण्यालीं मूल्यं, आपण्यालो धर्म आनीं आपण्याले कर्तुत्व शेजारचे भूयेंतु साफल्य करचें स्वप्न तो पळयता. जाल्यार प्रत्येकालीं कर्मभूंय प्रत्येकाले कर्माक लागून, प्रत्येकाले धर्माक लागून आसता. शेजारचे धर्मांतु कितले आकर्शण दिसल्यारीयी तांतु श्रेय निश्चयान आसना. भगवद्गीतेंतु म्हळ्यां, "श्रेयान्स्वधर्मो विगुणः परधर्मात्स्वनुष्ठितात्। स्वभावनियतं कर्म कुर्वन्नाप्नोति किल्बिषम् ।। सहजं कर्म कौन्तेय सदोषमपि न त्यजेत् ।" सुगम अशें दिसचे परधर्मापेक्षां गुणहीन अशें दिसचो स्वधर्म आचरचांतु जास्त श्रेय आसा. स्वभावानुसार केलिले क्रियेपासून पाप केन्नांयी येवचें ना. हे कुंतीपुत्र, कर्म सदोश आसल्यारीयी तें सोडचें न्हंय.

म्हण्णुं आपण्याले स्वाभाविक असलें कर्मभूयेंतु, स्वाभाविक असले समाजांतु, मांयभाशेंतु वावरु करनासताना अन्य देशांतु, अन्य समाजांतु वा भाशेंतु कितले लाक्षणिक रीतीन कार्य केल्यारीयी कोंकणी मनीस त्या समाजाचो अंग वा एकजीव वा समरस केन्नांयी जालो ना, जावचो ना. ताका लागून कर्तुत्ववान, कश्टाळू, ज्ञानाचो सागर आसून बी कोंकणी मनीस गोंधळेले मनस्थितींतु आयज दिसता. महाराष्ट्रांतु, कर्नाटकांतु किंवा केरळांतु ताणें कितलेमेरेन सखोल सेवा केल्यारीयी तो तागेले सामाजिक जीवनांतु अजून परकोसो आसा. हें जितलें सत्य आसा तितलेंची दुर्दैव जावनं आसा.

खरें पळयल्यार स्वदेश, स्वभाशा आनी स्वधर्म आपणायिल्यान मनुश्याक संकुचित वृत्तीचो दोश लागू पडना. ताजे उलट स्वदेश, स्वभाशा, स्वधर्म आपणायिल्यान कर्तृत्वाक स्वाध्यायाचो सुगंध येता. स्वतःचे घरांतु स्वतःचे हातांनी फुलयिले एक फुलाक शेजारचे बागेंतु फुलयिले सहस्त्र फुलांपेक्षां निश्चयान जास्त सुगंध आसता. म्हणून जेन्नां कोंकणीचो जाणतो आनी वरिश्ट समाज दुसरी भाशा आनी संस्कृतीची इमारत उभारचाक आनी सुदृढ करचाक धडपडतालो आनी स्वतःक धन्य मानतालो तेन्नां कोंकणी समाजाक दोळयांतु अंजन घालनुं तिगेलें मूळ स्वरूप दाखोवचाक माधव शानभाग आनी शणै गोंयबाब तसले महान् विभूति जल्माक आयले. ताणीं नम्रतेन आनी स्वाभिमानान आपण्याले अंतस्करणांतु आशिले फुलाक जतन केलें, ताका आकार दिलो, तें फुलयलें आनी ताजो सुवास चारी दिकान पसरायलो. ह्या तपश्चर्येचो परिणाम म्हळयार आयज कोंकणी मनीस अभिमानान मान ताठ करनुं कोंकणीचे विकासाक प्रवृत्त जाला. मुंबयपासून केरळमेरेन पातळेले समाजांतु स्वातंत्रतायेक पोशक असली मनोवृत्ती आयज जागी जाल्या.

पुण मनोवृत्ती जागी जाल्यारीयी ती सफलतेंतु हाडचाक जरूर आसची दिश्टी, संकल्प वा योजना मात्र अजून स्पश्ट ना. कोंकणी भाशेक साहित्य आकादमीन मान्यता दिलिल्यान ती भाशा कुलीन आनी शिश्ठ जायना. भारताचे शासनांतु स्थान मेळयल्यान मात्र कोंकणीक श्रेय मेळना. भाशा कुलीन, शिष्ठ आनी सांस्कृतिक म्हण्णुं मानादिक तेन्नां जायत जेन्नां कोंकणी भाशेचे केरलपासून मुंबयमेरेन पसरिले मोती एकठाय जायत. आनी ताजो एक सुंदर हार तयार जायत. हे पसरिले प्रत्येक मोती जातीन सुंदर आनी कर्तृत्वान लक्षणवंत आनी मोलादिक आशिल्यान ही मोती कुलीन आनी ती अशिश्ट म्हण्णुं मानचांतु बुदवंतपण ना.

आयज विंगडविंगड प्रदेशांतु वापुरचे कोंकणी भाशेंतु एक रूप ना, हें सर्व जाणताची. जाल्यार ह्याजीं कारणं इतिहासाचे वास्तविकतेंतु पळयनासताना तांचो उगम भाशा शास्त्रांतु पोळोवचें हास्यास्पद आसा. कारण जेन्नां मनीस भाश। उलयता तेन्नां तो व्याकरणशास्त्राचो,नियमांचो विचार करना. कित्याक तर जेन्नां विंगडविंगड भाशा उलोवचे समाज लागीं येताची किंवा एक समाजाचे साहित्याचो किंवा संस्कृतीचो प्रभाव दुसरे समाजावयर प्राबल्यान पडता तेन्नां त्या दोन भाशा-समाजांतु दिवचेंघेवचें अटळ आसता. जाल्यार हे दिवचेंघेवचें मर्यादित आसता. उदारण: आयज कोंकणी भाशिकांतु इंग्लिश, मराठी, हिंदी, कन्नड शब्दांचो उपयोग सरळ जाता, पणून ही प्रक्रिया सर्वसाधारण शब्दांची जाता, उच्छारांची वा व्याकरणांतले शब्दरूपांची न्हंय. आनी जाली तर ती थोडीचि प्रमाणांतु जाता.

शतमानांपासून कोंकणी लोकांलो संबंध महाराष्ट्र आनी मराठी भाशिकांबरोबर आयलो. तांतूत गोंयकारांलो संबंध मराठी संस्कृती बरोबर जास्त लागींचो आनी जास्त समयमेरेन आयलो. ताका लागून ह्या दोन समाजांतु भाशिक आनी सामाजिक

वेव्हार बरोच आशिलो. ह्याचिभाशेन जशें गोंयचे हिंदू समाजाचो संबंध मराठी बरोबर आयलो तशें गोंयचे क्रिस्तांवालो संबंध १६ वे शतकाउपरांत पोर्तुगीस भाशिकांबरोबर जास्त लागींचो आयलो. हाजो जीवंत परिणाम म्हळयार आयज जशें गोंयचे हिंदू कोंकण्याले भाशेवयर मराठीचो प्रभाव दिसता तशें गोंयचे क्रिस्तांवाले भाशेवयर पोर्तुगीस भाशेचो दिसता. हाजो विचार करताना आमी एक क्षण आमगेले दिश्टीकोणांतु १६ वे शतकांतु गोयांतु जेसुइट मिशनरींची बरयिली कोंकणी भाशा हाडयां. तेन्नां आमकां दिसून येत कीं आयज गोंयांतु जी कोंकणी भाशा हिंदू किंवा क्रिस्तांव उलयताची वा बरयताची ती कोंकणी १६ वे शतकांतुले मूळ कोंकणीचे स्वरूपापासून, अविश्कारां-पासून कितली दूर गेल्या.

हे तरेन विचार करचें कोंकणी भाशेचे भविश्याचे दिश्टीन अत्यंत महत्वाचें आसा. कित्याक तर गोंय हें कोंकणी भाशेचें कुळागर आसा. त्या प्रदेशांतु ती भाशा जशीं विकास पावताली तांतू सर्व कोंकण्यांक काळजी आसा. गोंय म्हळयार केवल तो प्रदेश न्हंय जो पोर्तुगीसांनी बळात्कारान आक्रमण केलो किंवा तो प्रदेश न्हंय जो आयज "गोंय" म्हण्णूं ओळखुयेचांतु येता, तर गोंय म्हळयार तो विशाळ प्रदेश जो सलग आसून गोंयचे अस्मितायेक चिकटून शतकान शतक आसा. शणै गोंयबाब म्हणताची, "तुर्तांक पुर्तुगेजांचे सत्तेतळा कोंकणांतली जितली भूंय आडावल्या तितलेंच गोंय म्हणपाचो समज जाला. हें गोंय उत्तरेक तेरेखोलसाकून दक्षिणेक माजाळी मुडगिरीमेरेन ६० मैल लांब आसून पूर्वेक दूदसागरासाकून पश्चिमेक हिंदी म्हालसमुद्रामेरेन ३० मैल रुंद आसा आनी ताचें सगळें भूंय माप १०६० चौखणे मैल आसा" (वज्रलिखणी, पृ. २६). गोंयचो आवाठ हे तरेन आजुबाजूचे प्रदेशांतु पसरिल्यान गोंयचो आनी कोंकणी भाशेचे उदरगतीचो विचार मर्यादित वा संकुचित भावान करचें योग्य जावचें ना. आनी तशें जर करचांतु येत तर तो विकास अ-परिपूर्ण, अ-सुसंगत आनी कोंकणी लोकांले मूळांक, अस्मितायेक, आशा-आकांक्षेक लागून जावचो ना.

भाशेचो विकास भाशेचे उगमापासून वेगळो जावचो ना. तशें पळयल्यार भाशेचें उगम लोकांले जीभेवयर आसता. भाशा म्हळयार ती, जी मूळांतु उलोवचांतु येता. भाष् म्हळयार उलोवचें. जें उलोवचांतु येता तिकाची भाशा म्हणताची. ताका लागून जर खंय भाशेचें मूळ स्वरूप दिसता तर ते तिजे तोंडी रूपांतु. ह्या तोंडी रूपाचें प्रतिरूप त्या त्या काळाचे लेखनांतु दिसून येता. म्हणून भाशेचो अभ्यास, एक विशिश्ट प्रदेशाचे तोंडी शैलीचो आधार घेवनूं जाय ना तर विंगडविंगड प्रदेशांतले तोंडी प्रकारांचो आनी ताजें प्रतिरूप जें काळानकाळाचे साहित्याचे गाभार्यांतु आसता, तांचो सखोल अभ्यास करनूं करचो आसता. आनी हो अभ्यास संकुचित भावनेन मर्यादित क्षेत्रांतु जावचो नासताना विशाळ, औदार्य आनी उदार दिश्टीकोणान अभ्यासिल्यान सफल जायत.

तशें पळयल्यार सर्वसाधारण सर्व भाशाशास्त्रज्ञ आनी व्याकरणकार भाशेचो

अभ्यास तिजे तोंडी रूपांचो अभ्यास करनुंचि साधताची. व्याकरणाचार्य पाणिनीन आपण्याले "अष्टाध्यायी"चो अभ्यास तत्काळांतु रूढींत् आशिलें तोंडी भाशाप्रकारांचो अभ्यास करनुं. पाणिनी पयलें यास्काचार्यांनी आपण्याले निरुक्तांतु म्हळयां, "अथापि भाशिकेभ्यो धातुभ्यो नैगमाः कृतो भाष्यन्ते दमूनाः क्षेत्रसाधा इति । अथापिनैगमेभ्यो भाषिका उष्णं घृतमिति ।"—थोडे वैदिक धातु आसाची— उदारण, दमूनाः आनी क्षेत्रसाधा—कोणांले मूळ तोंडी भाशेंतु मेळता. तशींचि भाशेंतले थोडे धातु— उदारणः उष्णं, धृतम्—वैदिक शब्दांतल्यान आयल्याचो. ह्याका लागून अनेक शतकांनंतरचो व्याकरणकार पतंजली आपण्याले "महाभाष्यां"तु म्हणता, "भूयांसोऽपशब्दाः । अल्पीयांसोऽशब्दाः। एकैकस्य हि शब्दस्य बहवोऽपभ्रंशाः।।" हेमचन्द्रान जेन्नां आपण्यालें प्राकृत व्याकरण रचयलें जेन्नां "लोकात् इति वर्तते" वा "लोकात् अवगन्तव्यः" अशीं व्याख्या करनुं तयार केलें. व्याकरणकारांनी हे तरेन विचार करचें कारण म्हळ्यार सर्वसाधारण तोंडी भाशा स्थानाक लागून, जातीक लागून, सामाजिक, धार्मिक विचारांक लागून बदलत आसता. तशें पळयल्यार भाशा जल्माक येता ती आपण्याले प्रकृती-प्रत्ययादि रूप घेवनुंची येता. उलयतल्यांलो स्वभाव, तांगेली रीतरिवाज, तांगेली वागणूक, तांगेलो एकंदर सांस्कृतिक दर्जो असले अनेक कारणं भाशेचें रूप घडयताची. प्रत्येक भाशेक हे तरेचें मानसशास्त्र आनी समाजशास्त्र आसता. तांचो विचार जर आमीं केलो ना तर भाशेचे विकासाक एक विकृत रूप येत.

कोंकणी भाशा आयजमेरेन जीवंत आसा ती कांय त्या भाशेंतले साहित्याक लागून न्हंय, त्या भाशेक राजमान्यता मेळिली म्हण्णुं न्हंय, किंवा त्या भाशेंतु प्रतिभावान व्यक्तिन आपण्याले विचार प्रगट केले म्हण्णुं न्हंय. ती भाशा जीवंत उरली ती त्या भाशेंतु आशिलें मूलगामी संजीवनीक लागून. त्या भाशेंतु स्थळ, काळ, जाति आनी सांस्कृतिक पातळीक लागून अनेक भेद मिश्रण जाले. ताका लागून त्या भाशेंतु जें शब्द-भांडार आसा तें अनेक शिश्ठ भाशा म्हण्णुं मानचे भाशेंतु ना. जी तद्भव उत्रांची भर कोंकणी भाशेंतु आसा ती हिंदी, मराठी वगैरे भाशेंतु मेळची ना.

ताका लागून आयज प्रचारांतु आशिलें कोंकणी भाशा शैलींतु खंची भाशाशैली आमी प्रमाण शैली म्हण्णुं स्वीकारका हे विचार करताना तोंडी भाशा आनी प्रमाण भाशेंतु आसचे सख्य वा परस्पर संबंध लक्षांतु घेवका. भाशा विकासांतु तोंडी भाशेचे आनी लेखी भाशेचे दोन विंगड पणून समांतर अशें दोन प्रवाह व्हांवचे आमकां दिसताची. हे तरेन ते समांतर व्हांवत आशिल्यान आनी ते एकचि न्हंयेचे दोन प्रवाह आशिल्यान त्या दोन प्रवाहांचे उदाक एकमेकांतु मिसळचें जशें साध्य आसा तशें स्वाभाविक आनी योग्य बी आसा. जाल्यार हे दोन प्रवाह एकमेकांक पूरक आसल्यारियी तांचें विंगड विंगड अस्तित्व मात्र नाश जायना वा जावचेंबी ना. तशें पळयल्यार तोंडी भाशाप्रवाह हो व्हडलो आसून ताजो प्रभाव लेखी रूपांवयर जास्त सखोल जावचें साहजिक आसता आनी त्या रीतीन आसचांतु दोग्गांचे आनी ताका लागून मायकोंकणीचे हिताचे आसा.

ह्या दोग्गांतु अभेद मानून तो भेद प्रत्यक्षांतु हाडचाक प्रयत्न करचें म्हळ्यार भाशेंतले जीवंतपण आनी मूळ वैशिश्ठ नश्ट करचें तशें आसा. ताका लागून कोंकणी भाशा म्हळ्यार हे तरेची आसा आनी ती तेची तरेन बरोवचाक जाय; आनी ते तरेन बरयिल्यानचि तें साहित्य जाता म्हणचें भाशेचे वाडीक शिश्टाचाराचे बंधन घालचें तशें आसा.

तोंडी आनी लेखी भाशेंचो संबंध जर हे तरेचो आसा तर शुद्ध भाशा आनी अशुद्ध भाशा म्हण्णुं खंचो मानची? हांगा शुद्ध म्हळ्यार शिश्टसंमत, ग्रांथिक, आनी व्याकरण-मान्य आसून अशुद्ध म्हळ्यार अजून शिश्टमान्यता ना मेळिली केवल तोंडी वेव्हारांतु वावुरची आनी ताका लागून ग्रंथगत ना जालिली, व्याकरण मान्यता ना मेळिली. आयजमेरेन अनेक कारणांकलागून कोंकणी भाशेक शिश्ट वा "शुद्ध" रूप मेळें ना. ती अजून अशुद्ध रूपांतुचि वावरत आसा. जें ग्रंथित रूप आमकां आयज दिसता तेंबी थोडे जास्त तरेन "अशुद्ध" रूपचि आसा. जाल्यार जें रूप आयज "अशुद्ध" अशें दिसता तेंचि रूप फाल्या "शुद्ध" रूप घेवूं शकता. जगाचे सर्व भाशांचो इतिहास हाका साक्ष आसा. संस्कृतांतु अशुद्ध अशें जें रूप आशिलें तेंचि रूप काळांतरान शुद्ध-प्राकृत-रूप जालें आनी ताजें व्याकरण वररुची-हेमचंद्रानी रचयलें. उपरांत तिका प्रतिश्टित आनी ग्रांथिक रूप प्राप्त जालें. "प्रयोगशरणाः वैय्याकरणाः" म्हण्णुं व्याख्या आसा. ताका लागून जे प्रकार स्वाभाविक रीतीन, परस्पर संयोगान, जनमानसाक पटिल्यान भाशा-वेव्हारांतु वापरचाक येताची तेचि प्रकार शिश्ट म्हण्णुं मानचांतु येताले; शिवाय प्रथम निश्चित धोरणेन आपणायिले प्रकार न्हंय.

हे तरेचे विरुद्ध प्रवृत्तीचे प्रभाव भाशेवयर पडत आशिल्यान कोणींयी ही रीत शिश्ट आनी ती रीत अशिश्ट म्हण्णुं आग्रह धरचें म्हळ्यार भाशेचे सहज विकासाक आतंक हाडचें तशें आसा. भाशादूशणाचे जे प्रकार आयज आमकां एकमेकांले शैलींतु दिसताची ते प्रकार जर आमी थोडे जास्त औदार्यान, आदरान, सहनशीलतेन स्वीकारल्यारि आयज अपभ्रश्ट, विकृत, अशुद्ध, विसंगत अशें दिसचे प्रकार फाल्या प्रमाण-भाशेंतु दूध-साखरेचे भाशेन एकरूप जाताले. भाशेचे विकासकार्यांतु ही वृत्ती उपकाराची, प्रयोजनाची, साफल्याची ठरताली. प्रत्येक शैलींतले वळण, भेद, वाक्-प्रकार, शब्दरूपांचे अस्तित्व मानिल्यान आप-आपसांतु आत्मविश्वास, परस्पर विश्वास, औदार्य, सन्मान जागें जातालें आनी काळांतरान भाशेक एकरूप, प्रमाणरूप प्राप्त जातालें. हे तरेचे संबंधान आनी तांचे प्रक्रियेन कोंकणी भाशा आधिकान आधिक समृद्ध आनी गिरेस्त जाताली. कोंकणी भाशिकांतु हे तरेन सहयोगाची, सहकार्याची मनोवृत्ती जागी जावनुं कोंकणी अस्मितायेचो सुकाळ फळाक येतालो.

भिन्न भिन्न प्रदेशांतु निवास करचे आनी भिन्न भिन्न जातिधर्मांचे कोंकणी लोकांतु जर हे तरेन सहवास आनी सहयोग येवचो आनी ताका लागून कोंकणी भाशेक सुसंगत आनी प्रमाणरूप येवचें आसा तर त्या प्रक्रियेक उपकारक, पोशक आनी पुरस्कार-

रूपी साधन आसचाक जाय. आयज कोंकणी भाशेंतु सर्व तरेचें साहित्य उपलब्ध आसून बी तें नाशिल्या सारखें आसा. कित्याक तर तें सर्व साहित्य विंगडविंगड लिपींतु बरोवचांतु आनी छापचांतु येता. ताका लागून जें साहित्य रोमी लिपींतु बरयल्यां ते हेर लोकांक समजना. कन्नड लिपींतले साहित्य गोंयचे भावांक मेळना. हाका लागून कोंकणीचे सागरांतु अनेक सान सान द्वीपं निर्माण जाल्यांची. ताका लागून कोंकणी समाज एकमेकांपासून दूर जाला.

ही परिस्थिती जर नाश करनुं समाजांतु सुसंगतपण हाडचो आसा आनी कोंकणी मूल्यांचे अस्मितायेचें संघटन करचें आसा तर सर्व कोंकण्यानी आपण्याले लेखनाची लिपी एकचि वापरका. कोंकणी भाशेची स्वाभाविक लिपी देवनागरी जावनुं आसा हांतु दुबाव ना. रोमी वा कन्नड लिपी देश काळाक लागून वापरचांतु आयल्यो. आयज हिंदी भाशेचे प्रसाराक लागून भारतांतली नवी पिढी देवनागरी लिपी शिकत आसा. म्हण्णुं जर विंगड विंगड तोंडी भाशा शैलींतले लेखनकार्य जर ह्या एकमेव लिपींतु केलें तर विंगडविंगड भाशाशैली सर्व प्रांतीयांक समजताले आनी ताका लागून जी प्रमाण भाशा जल्माक येताली ती सर्व जनमानसान आपणायिली भाशा जाताली. ही प्रमाण भाशा निसर्गाक अनुसरून, प्राकृतिक रूपान, प्रेमभावान, स्वाभाविक रीतीन ऐक्याची निशाण जाताली.

काळांतरान स्वाभाविक प्राकृतिक अवस्थांतराक लागून ती प्रमाण भाशा जल्माक आयिल्यान सर्वांक मान्य जाताली. तांतूत काव्य-प्रबंधाची रचना जाताली. ती भाशा तत्त्वज्ञान सांगताली. ती प्रमाण भाशा स्वाभाविक सर्वसम्मत अस्मितायेची साकार प्रतिरूप ठरताली. असले सुकाळांतु तोंडी भाशेचे विंगडविंगड शैलींचे सहवासान लेखी भाशाबी सुसंगत रूपान एकचि प्रदेशांतु समांतर पणून अगदी लागीचे प्रवाहरूपान व्हांवताली. दोन स्वतंत्र तरीयी निकट अशीं आशिले गंगा-यमुनेचें संगमस्थानावयर कोंकणी भाशेचें पुण्यपद, पुण्यक्षेत्र स्थापित जातालें.